नंदादीप

केरळचें उदयकाल कोंकणी साहित्य

संकलन आनी संपादन

शरतचंद्र शेणै

यज्ञं दधे सरस्वती

TĪNDRA ORIENTAL RESEARCH INSTITUTE
rch Centre recognised by the University of Kerala
and Mahatma Gandhi University.)
ady, Thammanam, Kochi-682 032, Kerala, India.

A234
Gen → Dev.
SHA

नंदादीप

केरळचें उदयकाल (1850 - 1950) कोंकणी साहित्य

Konkani Literature of Kerala - Dawn Era (1850 - 1950)

004234
-I

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) * Mangaluru

संकलन आनी संपादन

शरतचंद्र शेणै

4234
Gen
kon
SHA

यज्ञं दधे सरस्वती

Sukṛtīndra Oriental Research Institute

KUTHAPADY, THAMMANAM, KOCHI - 682 032, INDIA

Phone : (0484) 2349563

Email: sukrtindra@gmail.com

Website: www.sukrtindraoriental.org

Sukṛtīndra Indological Series - 34

NANDADEEP

(Konkani)

Anthology of Konkani Literature

August 2011

Compiled and Edited by

Saratchandra Shenoi

© Sukṛtīndra Oriental Research Institute

Printed and Published by

Dr. V. Nithyanantha Bhat on behalf of
Sukṛtīndra Oriental Research Institute,
Kochi - 682 032, Kerala, India
Phone : (0484) 2349563
E-mail : sukrtindra@gmail.com

Copies Available at

Sukṛtīndra Oriental Research Institute
Kuthapady, Thammanam, Kochi - 682 032
Kerala, India

Price : Rs. 200/-

ISBN 978-81-908966-4-1

Printed at

PAICO PRINTING PRESS
Jew Street, Kochi - 682 035

SHRIMAD SUDHINDRA THIRTH SWAMI

SHREE KASHI MATH SAMSTHAN, VARANASI

Sri Kashi Math

walkeswar - Mumbai-6

ॐ

Date 14.5-2011

message of Blessings to "Nanda deep" by Sukrathindra Oriental Research Institute - Kochi - 32.

praying at the Lotus feet of Sri Vyasa Raghupathi for very successful printing and publising of the Book "Nandadeep" giving very good information of Konkani Literature of Kerala along with useful and rare pictures and the Book become very helpful for history of Gowd Saraswath Brahmin - is Our Blessings

[illegible signature]

Publisher's Note

The Institute is happy to bring out this monumental Konkani anthology of rare and original literary samplings of the Dawn Era (1850-1950) by Keralite writers. Primarily an anthology of literature, NandāDeep also contains biographical notes, photos, and some informative write-ups on important historical landmarks concerning Konkani Language and literature related to that period. Introducing the Dawn Era of the Konkani Literature of Kerala as never before, along with much historical information, this volume would be the first of its kind from Kerala. It is compiled, transliterated and edited by well-known writer Sri. Saratchandra Shenoi, member of the Executive Committee of the Department of Konkani of this Institute.

Our Founder and Chief Patron, H. H. Srimad Sudhindra Tirth Swamiji, Mathadhipathi of Kashi Math Samsthan, has blessed us with an encouraging message written especially for this volume.

We take this opportunity to extend our sincere thanks to all the kith and kin of these pioneering Konkani writers and activists whose biographies and sample writings are included in this anthology. We also thank Sri. K. Purushothama Pai of Kochi, the sole living writer included herein, who wrote in Konkani during that era.

We are aware that those included herein are not the only Keralite Konkani writers or activists of that period. We look forward towards more and more information in this regard in the days to come. We welcome readers' comments and suggestions also.

Dr. V. Nithyanantha Bhat
Hon. Director
Sukṛtīndra Oriental Research Institute

Publisher's Note

समर्पण

कोंकणी भाषेचे हे महारथींक..

ज्ञानपीठ विजेते आनी पद्‌मभूषन
श्री. रवीन्द्र केळेकार

स्वातंत्र्यसेनानी आनी बहुभाषज्ञ
प्रोफ. आर. के. राव

कवि आनी बहुभाषापंडित
श्री. पी. जी. कामत

मांडावळ

- आमुख - श्रद्धांजली x
- आभार xiv

साहित्यप्रवर्तक / साहित्यरचना

- अम्मुलक्का शेणै 1
- एम. शेषगिरि प्रभु 8
- आर. एस. प्रभु 9
- पी. एन. नरसिंह पै 22
- मंजेश्वर गोविंद पै 49
- द्रौपदी बाय 58
- ए. डी. हरि शर्मा 68
- के. पत्मनाभ भट 72
- वेदवती अम्माळ 84
- सरस्वती रंग भट 91
- के. श्रीनिवास कामत 91
- आर. सी. शर्मा 95
- एस. जी. नायक 113
- आर. रंगनाथ प्रभु 114
- जी. कमलम्माळ 121

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No:004234

- गंगा बाय 154
- आर. माधव पै 155
- के. वामन वाध्यार 160
- एन. एन. पत्मनाभ शेणै 163
- जंबा बाय 170
- के. पुरुषोत्तम पै 177
- सुमित्रा बाय 154

अनुबंध माहिती / संक्षिप्त लेख

- चरित्रांतुलें एक भांगरा पान 180
- कोंकणीचें नवजागरण 183
- भाषेंचे आधारार एक मानचित्र 185
- परिषदांचो प्रभाव 186
- हरिकथा आनी नाटक 188
- जागृत जालेले जागे 190
- आनुकालिकांचो वांटो 192
- कोंकणी जायरात केरळांतूय 194
- उपकारिल्लीं पुस्तकां/नेमाळीं 195

श्रद्धांजली

कोंकणी भाषेचे आनी साहित्याचे सभागृहांतु **नंदादीप** जावनु सर्वत्र सदैव उजवाड दिवनु राबिल्ले केरळचे उदयकाल साहित्यिकांक आनी साहित्य प्रवर्तकांक ही एक मनस्पूर्वक श्रद्धांजली. केरळांतु कोंकणी साहित्याचो उदयकाल म्हूण घेतलोलो कालखंड 1850 थाकून 1950 पर्यंत आशिल्लो शंभर वर्षांचो वेळ. ताचे पूर्वीं हांगा कितें आशिल्लें म्हळ्ळेल्याचो परामर्श आतां संक्षिप्त रूपान करतां.

केरळांतु कोंकणी जनांचीं मूळां खरीं लागल्लीं आनी तांची सामाजिक जीण आरांभिल्ली क्रिस्ताब्द सोळाव्या शतकाच्या मध्याक. ते वेळार तांचे लागीं आशिल्ली साहित्य संपत्ती म्हळ्यार तरातराच्यो लोक-काण्यो आनी लोकगीत, साबार म्हण्यो आनी हुमाणीं. लोकगीत वेगवेगळे तराचे- बालगीत, खेळगीत, कथागीत, संदेश गीत, लग्ना गीत, परबे गीत, शोभानीं, फुगडीं, हास्यगीत, आनी थोडे दीर्घ रूपाचे अनुष्टान गीत.

हें असलें लोकसाहित्य - लोकधन - तान्नी जिवाळ राबयलें मात्र न्हय संगळ्याय आंगांनी वाड्डोवनूय हाडलें, नवीं शोभानीं विणलीं, नवीं फुगडीं बांदलीं, नवे बालगीत, खेळगीत केले, नव्यो काण्यो केल्यो, आनी नव्यान हास्यगीत निर्माण केले -

मिनपुतळे व्हारडिकेक घालें नेडुम्पेरें
घर परम माळी भरी मावळे वर्गा भीरें!

सान चेरडुवांक मलयाळम् भाषेचीं उतरां शिकोंवचे खातीर एक गीतकोश पर्यंत हांगा निर्माण जाला -

घोड्याक नांव कुतिरा
कुळिताक नांव मुतिरा

नांकाक नांव मूक्क
जिबेक नांव नाक्क!

क्रिस्ताब्द 1599 वर्षा कोची देवळांतु वेंकटपतीची मूलप्रतिष्टा जाली. ताचो फाटलो आश्चर्याचो इतिहास वर्णुपी जावनु एक अप्रूप गीत जाल्यां- "श्री वेंकटपतीची कथनी". गीताचे अंत भागाक रचनाकाराचें नांव येता - वसुदेव. तो एक मराठी विद्वांस आशिल्लो म्हूण उतरां आनी गीताची बांदावळि चोयल्यार समजता. आरंभाचीं थोडीं वाक्यां मात्र दितां -

श्री वेंकटपतीचीं चरणा वन्दुनि गातोमि तयाची गाथा
त्याची लीला अघनाशिनी भक्तीन तीवय आयकूनी
नारदादि मुनि सर्वय मेळुनी लीला गावुनि नृत्तन करूनी
तृप्ति न होती त्यांचे मनी अयसी वेंकटपतिची करणी
गावुनि थकला सहस्रफणी!

क्रिस्ताब्द सत्राव्या शतकांतु विश्वभरच्या समस्त कोंकणी भाषिकांल्या चरित्रांतुलें तें एक भांगरा पान रचूंक पावले कोचीचे तेग कोंकणी भिषग्वर - रंग भट, विनायक पंडित आनी आपू भट. हांची सविस्तर माहिती वेगळीच दिल्या.

ते कालाची प्रधान रचना आसा "वेंकटेश कल्याण" म्हळ्ळेलें संगीतसज्ज खंडकाव्य. भविष्योत्तर पुराणांतुले श्री वेंकटाचल माहात्म्याचेर आधारून निर्मिल्ले हे खंडकाव्याक चार अध्याय आनी 168 श्लोक आसाय. एकेक वांटे वेगवेगळे कर्णाटक रागांचेर बेसयल्याय. कवि अज्ञात. आरंभाचीं दोन वाक्यां मात्र दितां

ॐ नमो गणपति पाहिसरस्पती ज्ञानप्रदायनी परब्रह्मा पत्नी
गुरुदेव ब्राह्मणां चरणारि पतामि हृदयांतु वासु करूका स्वामि लक्ष्मिपती

हाचे उपरांतचो काल आतां ह्या ग्रंथांतु आयला. हांतूं विषयाचो परिचय तीन प्रकारीं केला.

1 साहित्यिक / साहित्य प्रवर्तकांची वळख.

2 साहित्यिक रचनांचो प्रत्यक्ष वाचनानुभव.

3 विषयानुसार अनुबंध माहितीचे संक्षिप्त लेख.

आसूनूय, ह्या विषयाचो / कालखंडाचो संपूर्ण वा समग्र परिचय हांगा साध्य जाला म्हूण सांगूक जायना. पुण ते दिशेर ही कृति एक सुदृढ बुनियाद घालतली म्हणूच विश्वास धरतां.

मायभाषेक मानाचें कांयीच एक स्थान नासलेले कालाक ह्या इतल्यांनी आनी इतर जायत्यांनी तिची कितली सेवा केली, केद्दे अपूरबायेन केली म्हूण आठयतना हर्दें आर्द्र जाता, दोळे ओल्ले जाताय... आनी तांची साहित्यिक प्रतिभाय केद्दी! थोड्योच पंक्ती हांगा दितां -

पंचप्राणांची केली वाती
कृष्णाक दाकयली आरती-

(जंबा बाय)

भक्तीची रोंपी वाड्डून रुकु जाला
ताजे पोंदाक राबूक माका स्थायु दिला-

(एन. एन. पत्मनाभ शेणै)

आमचें अंतरंग भोरनु दीर्घनिश्वसन
तुमचे वंद्य विग्रहांक तेंचि नीरांजन
हंत, महंतानू तुमचे दिव्य चरणांतू
अंत्य उपहारू एकु मूक अश्रुबिंदू-

(आर. सी. शर्मा)

मागीर 1950 चो लागीचो काल म्हळ्यार हांगाच्या कोंकणी साहित्यांतु प्रथम जावनु आयलेले ते नव-जागृतीचे ल्हाराचो प्रभाव ऊणे जावपी वेळ. ते उपरांतें सुमार एक दशकाचो काल दांटवल्यार आधुनिक पर्व उदेता. "कोंकणी भाषा प्रचार सभा" येता. "कोंकण जनता" आरांभता. नाटकांचो उत्सवूच येता. गोंय स्वतंत्र जाता. कोंकणीक केन्द्रीय साहित्य अकादमीचो अंगीकार मेळता. गोंयांत कोंकणीक राजभाषे स्थान मेळता. भारतसंविधानांतु कोंकणीक मानाचें पद मेळता. अखिल भारतीय कोंकणी परिषद संमेळन कोचींत येता. अशी अशी इतलें साबार जाता कि आमकां त्या पूर्वकालाची सारकी स्मरणा घेवूक पुरतो वेळ मेळना! ते भितर ते कालाचें कितलेंच साबार आमकां नष्टय जाल्यां....

दिकून, त्या मनशांची प्रतिभा, तांची आत्मार्थता, तांची निस्वार्थता, तांचो अश्रांत परिश्रम, मायभाषेवेलो तांचो अतूट मोग हांचो सर्व उडगास सदाकाल आसूका म्हणूच हें संकलन तयार केल्यां. तशी जातलें म्हूण विश्वास....तीच प्रार्थना.....

- शरतचंद्र शेणै

- आभार -

हें संकलन तयार करचे खातीर सुमार जनांचो आनी थोडे संस्थेंचो सहाय सहकार माका मेळ्ळा. तांचो हांव चिर-रिणी आसतलों. तांचो आभार हांगा प्रकट करतां.

- शरतचंद्र शेणै

- एरणाकुळम सुकृतींद्र प्राच्यविद्या शोध संस्थेचें पुस्तकालय माका खूब उपकाराक पडल्यां. ताचे भायर हें संकलन उजवाडांवचाक ही संस्था मुकार आयल्या. म्हणून हे संस्थेचो निदेशक (डॉ. वी. नित्यानंद भट) आनी इतर कार्यकरत्यांकडे हांव आभारी आसां.

- कोची एन. गोविंद पै स्मारक पुस्तकालयाचोय माका खूब उपकार जाला. हाची कार्यवाहक (डॉ. स्वर्णलता जी. पै) आनी कार्यकरत्यो श्रीमती श्रीलता महेष, श्रीमती शोभा आर. शेणै हांचो हांव आभारी आसां.

- कोची श्रीमती सुशीला त्रिविक्रम भट हान्नी सुमार तराची आनी सुमार जनांची माहिती दिल्या. मेळूक नातिल्लें एक पुस्तकय दिल्यां. तांकां उपकार.

- कोची श्री. के. पुरुषोत्तम पै हान्नि सुमार माहिती आनी एक चित्रय दिल्यां. तांकां उपकार.

- आलप्पुषा प्रोफ. वसुंधरा कामत हान्नी मेळूक नतिल्लें एक पुस्तक दिल्यां आनी सुमार माहितीय दिल्या. स्वर्गस्त वेदवती अम्माळ हांगेल्या नातवाले

घराकडे माका वाट दाकोवन सांगात आयलोलो हांचो पूत श्री. दिनेश कामत. ह्या दोगांचोय हांव आभारी आसां.

- कोची श्रीमती राजम जी. पै आनी श्री. एम. गोविंद पै हान्नी स्वर्गस्त द्रौपदी बायची माहिती आनी चित्र दिल्यां. ह्या दोगांचोय हांव आभारी आसां.

- कुषुपिळ्ळी श्रीमती प्रमीळा आर. प्रभु हान्नी सुमार जनांची आनी गीतांची माहिती दिल्या. उपकार.

- पळ्ळुरुत्ती श्रीमती जंयती पी. कामत हान्नी सुमार गीतांची माहिती दिल्या. तांकां धन्यवाद.

- चेराय श्रीमती कनकम् एस. नायक हान्नी सुमार गीतांची आनी सर्गेस्त वामन वाध्यार हांची माहिती दिल्या. आपुण जावनु माहिति दिवंचाक मुकार आयलेली एकमात्र व्यक्ति म्हूण हांचो हांव खूब आभारी आसां. तांचो पूत श्री. बालकृष्ण नायकानय सहाय केला. उपकार.

- चेराय श्री. कृष्ण वाध्यार हान्नी सर्गेस्त वामन वाध्यारा विशीं सुमार माहिती आनी तांचें चित्र दिल्यां. तांकां धन्यवाद.

- पुराक्काड श्री. गोपालचंद्र प्रभु हान्नी सर्गेस्त रंगनाथ प्रभू विशीं माहिती दिल्या. उपकार.

- मुंबै श्रीमती आनंदी हान्नीय रंगनाथ प्रभू विशीं माहिती दिल्या. उपकार.

- तम्मनम् श्री. पी. रमेश प्रभु हान्नी सर्गेस्त पत्मनाभ शेणै विशीं माहिती दिल्या. उपकार.

- कोची श्रीमती सोमलता आचार हान्नी सुमार माहिती दिल्या. उपकार.
- एरणाकुळम श्री. पय्यनूर रमेष पै हान्नी सर्गेस्त रंगनाथ प्रभूलें चित्र आनी तांचे हस्तलिखित मासिकेचे पानांचीं चित्रां दिल्यांय. तांकां धन्यवाद.
- आलप्पुषा श्री. विनयचंद्र प्रभु, श्री रामचंद्र प्रभु, श्रीमती शांता बाय आनी श्री. आनन्द कामत हान्नी सर्गेस्त वेदवती अम्माळा विशीं माहिती दिल्या.
- कायम्कुळम् श्री नित्यानंद प्रभून वेदवती अम्माळा विशीं माहिती दिल्या. उपकार.
- एरणाकुळम श्री वेंकटेश शेणैन सर्गेस्त सुमित्रा बायचे विशीं माहिती दिल्या. धन्यवाद.
- हांगा थांगा जावन वाचूक मेळ्ळेल्या थोड्या लेखनांतुल्यानय माका सुमार माहिती मेळ्या. तसल्यांच्या लेखकांकडेय हांव खूब आभारी आसां - प्रोफ. एन. एन. आनन्दन, श्री. पयन्नूर रमेष पै, श्रीमती सुशीला त्रिविक्रम भट, सर्गेस्त पी. जी. कामत, सर्गेस्त प्रोफ. आर. के. राव, सर्गेस्त आर. एस. राजु, सर्गेस्त वी. वी. सदानन्द प्रभु आदी...
- ह्या उद्यमांतु मिगेलि बायल राधिकालोय उल्लेखनीय सहाय माका मेळ्ळा.

अम्मूलक्का शेणै (1851-1902)

केरळचे कोंकणी साहित्या विशीं परामर्श करतना सर्वालेय जिबेरि प्रथम जावनु येंवचें नांव अम्मूलक्का शेणैलें. साहित्यिक स्वभावाचें कितेंच अप्रूप जावनु मात्र आशिल्ले कालाक, म्हालगड्यांली आनी समकालिकांली दृष्टी गेलीच नासलेले दिकान, मातृभाषेची सेवा करूक मुकार सरलेले अम्मूलक्कालें शुभनांव केरळचे कोंकणी मनशांले चरित्राचे पानार सदाकाल आसतलें - थळथळेतलें.

केवल तीस वर्षांचे प्रायेरीच तीणे ही भाषासेवा आरांभिली हें कार्य आमकां आजि आश्चर्यजनक जावनु आसा. आनी तिजे मर्णा उपरांत शेंभर वर्षां दांटवूनूय तिगेलीं कीर्तनां विसरांत पडलींनाय हेंवय आश्चर्यकर जावनु आसा. तिजी प्रत्यक्ष वळख नातील्ले जायत्यांनी तिगेलीं कीर्तनां हृदिस्थ केल्लीं आनी अनश्वर केल्लीं.

केरळचे कोंकणींतुले उदयकाल साहित्याचीं आद्यकिरणां हीं कीर्तनां.

अम्मूलक्का शेणैले विशीं सर्गेस्त श्री. पी. जी. कामत हान्नी बरयलेलीं उतरां श्रद्धेय जावनु आसाय. हीं उतरां कोचींत घडयलेल्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेळनाचे सुवनीरांतु (1996) आयल्यांय-

एकूणीसावे शतमानांतु कोचीचे सारस्वत समाजाचे प्रसिद्ध दोग नेता आशिल्ले - जनार्दन शेणै आनी तगेलो पूत हरि शेणै. अम्मूलक्का शेणै ही कोंकणी कवयित्री जनार्दन शेणैली धूव, हरि शेणैली भयणि. बारांपळेचे पै कुटुम्बांतु ती लग्न जाली. एक समृद्ध संपन्न जीवनाचो आनंद देवान तिका दिलो, गोड गोड ताळो दिलो. सतत तिच्या हरद्यांतु भक्ति भावना आशिल्ली. तिगेले गीत आयकून भुरगीं, बायलो, दादले रसलीन जाताले. सगळ्यांक

ती आपलीच दिसताली. तिच्या नावां लागी अक्का म्हूण लोकांनी जोडलेलें. तें तांगेले स्नेहाचें, वात्सल्याचें, आदराचें सूचक जावनु आसा.

1881 वर्षा जनार्दन शेणैल्या मुखेलपणार कोची वेंकटपती देवळाची नवी प्रतिष्टा करून वेंकटकल्याण दबाज्यान करयलें. त्या महोत्सवांच्या उडगासाक अम्मूलक्कान रचिल्लो गींत भों प्रसिद्ध आसा. 1886 वर्षा जालेले भांगरा गरुडा प्रतिष्टेची प्रशस्ती जावनूय तिगेलो गीतं आसा. ह्या दोनि गीतां शिवाय तिगेले जायते गीत आसूयात. ते सगळेय लोकसाहित्यांतु मेळसून गेल्याय.

लक्ष्मी प्रतिष्टा

लक्ष्मी वेंकट रमणा, चरण कमलानी शरणा
मिजवरी करी करुणा - लक्ष्मी-
मिजवरी करि करुणा, तुज विना आलामी शरणा
आमगेले सगटांलें संकट हरण करि धारारी
वेंकटरमणा-

जय जय जगदीशा, गोश्रीपुराधिवासा
दया कृपा करेशा, श्रीलक्ष्मी वेंकटेशा-
संतती संपत्ती पूर्ण, वेंकटपतीले कारुण्यान
जाण जाल्ले लक्ष्मीप्रतिष्टे प्रमाण-
जनार्दन शेणै स्वाम्याल्या गेलो
आरति काणिक कोरनु नमस्कारु केलो
प्रतिष्टे वर्तमान सांगू लागलो

स्वाम्या मनांतू होडु संतोषू जालो
प्रतिष्टेचें ऐतिकमान सर्व सांगीलें स्वाम्यान
नारलु केळें वीडो तिनीशें सत्तावन
तिनीशें सत्तावन पडी ओरोवु लेकान

रूप्याचे कलश आट, ताजे लेकान रुप्या ताट
भांगराचें चिपट, शंखू, घांट
घांटेरी बेसोलो गरुड भांगराचो थेट-
प्रमाण जाण जावनु लक्ष्मीमूर्ती कोरोवनु हाणु
भुवनेन्द्र स्वाम्या दाकोवनु
जनार्दन शेणैन बेसयली कूडींतु व्होरनु-

लक्ष्मी घालूक केलें आभरण
पदक सरपळी सुदर्शन
सुदर्शन पूजन केलें पुरोहित भटान
सुदर्शन लक्ष्मी घालें जनार्दन शेणैन-
सुदर्शन घालूक केलो उत्सवु
सत्रासी पडी कालयलो फोवु
फोवु काणु घेवंचाक आयलो जनपदु
फोवु वांटून दिवंचाक बप्पूल वास्तेवु-

ईश्वर सप्तस्वर
फणकेर वाजिताय नागेश्वर
कल्याण कृष्ण वेंकटाचल स्वर

ताळार वाजिताय फणकेर नागेश्वर-
जनार्दन शेणै हातांतू दिलें मू ताट
अक्षत घालूक ब्राह्मण भट
अक्षत घाले तान्नी एकेक मूठ
जनार्दन शेणैक दिले आशीर्वाद थेट-
अंबुजनयनांबु
पन्नगशयनाश्री
मंगळमहिमागिरि
वेंकटरमण हरि-

भांगरा गरुड

पाहि पाहि श्री वेंकटपती
चोवदाय लोकांतु तुगेली कीर्ती
आमी करताय तुगेली स्तुती
राक आमकां श्री वेंकटपती - पाहि-

वेंकटपतीलें होड देवळ
सद्द येताय चेरडुबाळ
नड्यारि आसाय द्वारपाल
कीर्तन गायन करताय गोपाल - पाहि-

भांगरान केलें गरुड वाहन
गरुड कोरूक कोण कारण
जनार्दन शेणैक दिलें देवान धन
णवी सासु रुपयांचें नाण्य - पाहि-

गरुड कोरूक कोणाली भक्ति
जनार्दन शेणैक दिली देवान शक्ति
भांगरा गरुड कोरका म्होणु
हरि शेणैली मू युक्ति - पाहि-

जनार्दन शेणै थारवाडारि होडु
ताणे केलो भांगरा गरुड
वेंकटपती म्होळ्ळोलो होडु
ताका व्होरनु दिलो गरुड - पाहि-

तिनी कूट्टक्कारि एक मन जावनु
दिलो वेंकटपतीक व्होरनु
गरुड दिलेली कीर्ती पावनु
गरुड चोयलो रायु येवनु - पाहि-

मकरमासु आटवो दीसु
वेंकटपतीन केलो गरुडारि वासु
तेद्दूस नड्यारी कसोलो आघोषु
जनाले मनांतु अति संतोषु - पाहि-

आचारी ब्राहमण देवा भट
ते म्हळ्ळेले गावांत श्रेष्ट
तान्नी हाळ्ळें प्रसादा ताट
जनानी दाकयले दोनीय हात - पाहि-

ताटांत केली काणिक
नमस्कारु घालो आनीक
जनार्दन शेणैन उळदीले चेरडुवांक
निवेदु वांटाय सर्वय जनांक - पाहि-

जनार्दन शेणैली लक्ष्मी मूर्ती
हरि शेणैक होडि कीर्ती
भागंरा गरुडारि देवु आयल्यारि
सर्वय जन करताय मू आरती - पाहि-

गोश्रीपुरां आशिल्ले जन
आमी येताय तुजें वंदन
वेंकटपतीले दयेन
पदं बांदीलें अम्मुलेन-

अयोध्यांतु रामु आयला

अयोध्यांतु रामु आयला
जनपदाक संतोषु जाला
व्होडि व्होडि तोरण घुडी
बांदू घाल्या अती घडी
चांगि चांगि केळी कातरूक
ना मू जनांक एद्दी मडी-

रोड हादी सर्वय झाणू
धवी धवी रेंव घालनू

अलंकारु कोरनु कोरनु
अन्नपान विसोरनु
सान होड चेरडुबाळ
हात पाय पशेवन उंचारि चोयताय-

आतां आतां येतोलो म्होणु
समाधान नातीलें जाताय
हूं म्होळ्ळोलो शब्दु जालो
उंचारि थाकून रथु आयलो
रथारि थाकून रामु देवला
जनपदाक संतोषु जाला-

सीते तोंड चोवनु बायलो
आनन्दान हासतली जाल्यो
काळूक वचून उजवाड जालो
अशी गांव सीतेन केलो-
प्रजांगेली भक्ति दिकून
रामु जनांक चोयतोलो जालो
सर्वांक आशीर्वाद दिलो
रावळरांचु रामु गेलो-

दोनीय हातानी मागताय जन
तोंडान म्हण्टाय रामध्यान
दी देवा दर्शन
कोरका आमकां चांगपण-



एम. शेषगिरि प्रभु (1855-1924)

तलशेरी माधवप्रभु, गौरी बाय दंपतीलो पूत. कोंकणींत व्याकरण, शब्दकोश आनी म्हणियां झेलो तयार केलो म्हूण परामर्श आसा तरीय तांतूं कांय एक आतां लभ्य ना. एफ. ए. उत्तम श्रेणींत घेवनु स्कूळ मास्तर जालो. मागीर चरित्र आनी संस्कृत विशयांनी बी. ए. जोडलें. 1903 वर्षा एम. ए. बिरुद जोडलें. मलयाळम मास्तर जालो, इंगलीष मास्तर जालो, कलालयांत लेक्चरर जालो आनी उप प्रिंसीपल जालो. एकदा स्कूल इंस्पेक्षन करचो डेप्यूटी डायरेक्टरूय आशिल्लो. मलयाळमांत सुमार पुस्तक आसाय. विख्यात व्याकर्णकार आनी तशीच समाजोद्धारक आशिल्लो.

तीन वर्षांक कोची टी. डी. स्कूळाचो मुख्याध्यापक आशिल्लो आनी कोची रायाचे हातान 'साहित्यकुशलन्' ही पदवी मेळ्ळी. 'कोंकणी ब्राह्मण' म्हूण हान्नी बरयल्ली लेखन परंपरा नेमाळ्यांनी प्रकाशित जाल्या. कोंकणी भाषेचो उगम आनी स्वरूप हाचे विशींय तान्नी सुदीर्घ लेखन रचलां. कोची सुकृतीन्द्र प्राच्यविद्या शोध संस्थेन उजवाडायलेल्या पुस्तकांत हें आसा (The Konkani Language- Historical and Linguistic Perspectives)

आर. एस. प्रभु (1878-1956)

साहित्य कुशलन एम. शेषगिरि प्रभूलो म्हालगडो पूतु जावनु 1878 वर्षा जन्मलो. एफ. ए. बिरुद घेवनु मंगळूरांत अध्यापक जालो. मागीर पुस्तक विक्रीचे कामांत चडून माक् मिल्लन कम्पनीचो प्रतिनिधी जालो. ह्या कामांत ताका जायती भोंवडी करका जालेल्यान समस्त गांवांतुले व्यत्यस्त कोंकणी शैलीची वळख जाली. ह्या वेळार ताणे जायते कष्ट पावनु सर्व कडेच्यो कोंकणी म्हण्यो आनी वाक्प्रचार एकडे केले आनी नागरींतूच ते सर्व अक्षरांक्रमान बरोवनु दवरले. थोड्या कालांक ताणे एरणाकुळम्, कासरकोड हांगा राबितोय केलो. मागीर मांगळूरांत राबून आसतना 1956 वर्षा निधन जालो.

तागेलो जीवितप्रयत्नु 1985 वर्षा पुस्तक रूपान केरळा कोंकणी अकादमीन उजवाडायलो. तांतूं दोन हजारांभायर म्हण्यो आसाय. 1924 वर्षा तिरुवितांकूर गौड सारस्वत ब्राह्मण परिषदेचे 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेचेर प्रथम जावनु कोंकणी विभाग आरांभितना ताचेर 'सीताराम प्रभु' ह्या नांवांर एक कौतुकाचें संभाषण आयलेलें. ताचे लेखक हेच म्हूण अनुमान आसा. हांतूं व्यत्यस्त कोंकणी शैलीची वळख मेळता. विमर्शनात्मक विषय देकून स्वंत नांव दवरलेंना आसूयात.

हे वरी सारस्वत बोधिनीचे ते संचिकेंतु दिलेलें एक वृत्तांत लागेन हान्नीच बरयलेलें जावनु अनुमान करूयात. 'मंगळूरचे प्रथमले परिषदेचें वृत्तांत' हे शीर्षकान आशिल्लें हेंवय मूल बरोवप्यान नागरींत बरयलेलें इतर कोणे तरी मलयाळम् लिपीन केलेलें जावनु स्पष्ट जाता. आर. एस. प्रभून म्हण्यो पुराय बरयलेल्योय नागरींतूच म्हूण आमी जाण.

म्हण्यांचो पुस्तक जालाच दिकून 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेंत आयलेलीं हीं दोन बर्पां (रचना) हांगा घेतल्यांय. भाषेचे आनी चरित्राचे दृष्टीन हीं अत्यंत उपयोगप्रद जावनु आसाय.

हळ्ळेंतुलो संवादु

लेखकु - सीताराम प्रभु

(मलबार, दक्षिणकन्नडा, उत्तरकन्नडा, ह्या तीन प्रदेशांतूय उलोंवचे भाषेचो भेदु ह्या संवादांतु दिकूयेता)

पात्रं

रामनायकु- मंगलापुराचो एकु साधु गृहस्थु

पुत्तीबाय- रामनायकाची बायल, कोचीचे भिकारी शेणैची धूव

अनंतु- रामनायकालो पूतु-इंग्रेजी हायस्कूळांतु 10 चा क्लासांत शिकता

तिथुभट्टु- रामनायकालो पुरोहितु - पर्थगाळी देशांतुलो

अरविंदाक्षु - स्कूळाचो हेडमास्तरु

कृष्णाचारी- स्कूळांतुलो आनी एकु मास्तरु

पुत्ती : कळ्ळेंवे अप्पा, पुत्ताक इस्कूळांतु अवधि आरांभता, ताका येवुंचाक बर्प घालका.

रामः तुका पिशें म्हणतीत. पैरी वैशाखांतुले रजेक येवनु देडु म्हयनो तो हांगाची आशिल्लो. आनी डिसेंबर रजेंतु येतलो. आतां तागेलो संबोळू आनी पुस्तकांचें मोल, तागेलो जेवणाचो खर्चु म्होणु 200 रुपायी पडलेली जाली. आनी ताणे हांगा येवुंचाक 10, 12 रुप्पया जावुंका. पुत्तान शिकवण जावनु येताना हांगा गंगाजलाक आस्पद नातीली स्थिती जातली हें निज.

पुत्तीः तुमी दामु दामु म्होणु प्राणु पेल्लान घालनाका. रूपायरीची प्राणु दवोरनाका. चेल्लाली देहप्रकृती चोयल्यार आगपाडे भीवंका जावनु आसा. चेल्यान लागी येवुंचें म्हळ्यारी एकी केडदी. कोणाकय चेरडुवानी लागी आसूचें एकु संतोषु.

रामः तूं चेरडाला लागीचि राब. तागेली शिकवण पुरो कोरनु ताका हांगाची येवनु तुजे लागी राबूनु तुका संतोषु करि म्होणु कागत फायीचि पेटैतां. पुरो वे? मुकारी तूवें ताकाय घेवनु भीक मागूयेता.

पुत्तीः हें व्होड बिम्मिष्ट! चेल्याक येवुंचाक बर्प घाल्यारी जायत म्होणु हांवें म्हळ्ळेलें, ताका उतूलो साबारु कोपु रे बप्पा! चिन्ना कायरीं! इष्ट ना जाल्यारी बर्प नाका म्होणु दवोरका. कायरीं जालीं. साबाव बल्लाव उत्तर वेचु कोर्का म्होणु आवश्य ना.

तिथुः काय वो महाराज आज प्रातः कालीं इकडे गलाट ?

रामः येयाती देवानो, बैसाती.

(तिथुभटु आसनारि बेसता. पुत्तीबाय वोरलचे रागीनी दोळे पुशीता आनी दीर्घ श्वासु सोडता)

तिथुः काय तुमची पुण्ययी व्यसनाक्रांत झाली?

पुत्तीः इत्तें मेगेला कपलांतुलो बोरो. तुमचा लागी सांगेचा मेगेला अवसान जायना. दैवाक मेगेलो उडगासु जायना.

तिथुः चिरंजीवी क्षेम वे? तागेलें पत्र आसावे?

आगपाडे - सुमार, केडदी - असौख्य, बिम्मिष्ट - घूसमूट

पुत्तीः दैवाले दयेन आनी आमगेले मालगडाले सुकृतानी आनी तुमगेले आशीर्वादनयी चेलो सौख्य

तिथुः तरी व्यसनाक आस्पद काय?

रामः हिका अवसानाची बुद्धी.

पुत्तीः भोटूमामू तुमीची आयकूका आनी इत्तें म्होणु चोयाती.

तिथुः हांवें आयकुचाक आक्षेपु ना जल्यारी सांगा.

पुत्तीः आनी 2, 3 दिसीं चेल्याक अवधि आसा. ताका येवुंचाक बर्प घालका म्होणु हांवें म्हळ्ळें. ताका आमगेला यजमानाक कोपु आयलो. रुपया वेचु केलो. चेल्यान लागी येवुंचाक पाडना. आयल्यारी हांवें ताकाय घेवनु भीक मागूका. अशी फाले फाल्यारी माका सम्मानु मेळ्ळो.

रामः भट्टो, हे बायलेली बुद्धी आनी उपदेशु आयकुचाक बहु रम्य आसा.

तिथुः हा हा कितें तें आयकूया नायकानो.

रामः रुपया खरचूची बायलांक खुशाली. रुपायी संपाद्य कोरचाक आमी काडचे कष्ट सांगल्यरि तुदी ना. चेल्यान हांगा येवनु देडु म्हयनो राबूनु वापस वोचूनु दोनि म्हयनेचि जाले की ना की. तन्मध्ये तागेला क्षेमसमाचाराक कागातां येताती. आनी 2, 3 दिसानीं ताका 10 दिसांची रजा आसा. ह्या रजेंतूय ताणे हांगा येवका म्होणु हिगेलो अभिप्रायु. रुपया 10, 12 आवश्य जावंका.

तिथुः स्त्रियांक चिरंजीवी जवळ राबूचें बहुतेक खुशी. या सुटींतु मुलान आयल्यारी शारदा पूजा वगैरी पोळोयेत. शारदा देवी विद्येची अधिदेवता. ती प्रसन्न झाली तर तुमचे पुत्र विद्ये विषयांतु प्रवीण होयिला. उद्यां अनंतास हिकडे यावें म्होणून पत्र लिहावें.

रामः सम्मा! भट बायल मनुष्यांक अनुकूल ना जाल्यारी ते उपाशी पडतलेची.

तिथुः ती गोष्टी कसें ?

रामः आतांचा परिष्काराचा समयारी आमगेल्या मता विषयांतु स्वल्प जाल्यारीय अभिमानु आसा जाल्यारी तो बायलांक. तांगेला उपद्रवांनी आमी अल्प स्वल्प कर्म कोर्का जाता. कर्म कोरचाक पुरोहित आवश्य जावंका. अशी तुमकां गुणांशु जाता. तुमी सांगीले तशीचि फायीची अनंताक कागत बरयतां.

दुशेरो भागु

(रामनायकु पुत्ताक कागत बोरोंवचाक विलवारी करता. पुत्तीबाय दूर मोटर बसाचो शब्दु आयकूनु वासरेंतु थाकून भायर येवनु चेलो येता कीं म्होणु चोवंचाक राबता)

रामः तूं थंयी इत्ताक राबल्या?

पुत्तीः चेलो येता की म्होणु चोयतां.

तुदी - अंत, जवळ - लागी, मुलान - चेल्यान
होयिला - जातलो, उद्यां - सकाळीं, लिहावें - बरोंवका
ती गोष्टी कसें - तें कसलें वर्तमान

रामः तें कशी? हांवें ताका कागत बरयनि!

(बस रामनायकाला घराचे मुकारी राबता. अनंतु आनी कृष्णाचारी बसारी थाकूनु देंवताती)

पुत्तीः चेलो आयलो.

रामः कोणु?

पुत्तीः अनंतु आयलो.

रामः अनंता, सप्तंब्र म्हयन्याची परीक्षा जाली वे?

अनंतुः परीक्षा जाली.

रामः तूं पास्स वे?

(अनंतु मौन जावनु राबता)

रामः तुगेलो प्रोग्रस रिपोटू दाकयी.

पुत्तीः चेलो दूरा गांवांतु थाकूनु आयीलो तो कोपी उदाकु पिवो. परूक्षे वर्तमान मुकारी चोवूं.

रामः आजि कापी पिल्लारी नुप्रो. फायीय कापी पिवुंका ताणें.

(अनंतु ट्रंकाचें बागील काणु प्रोग्रस रिपोर्ट भायर काडता)

रामः अरे तूं कर्णाटकांतु मात्र हारवला. कर्णाटक देशभाषा म्होणु लेकूनु तुमी हे पाठाक मन्न दीनांती. आमी शिकताना मिश्येनेचे कर्णाटकांतु फेयल जाताले. आतां हिंदूंलीं चेरडूवं काथलिक चेरडूवांकयी फाष्ट जालीं. कष्ट!

अनंतुः आना, हांवें कर्णाटक घेने. अरविंदाक्षाले परामर्षेन माका तांतूं घालाची.

रामः छी, तुगेले तप्पाक मास्तराली चूकी सांगूनाका.

अनंतुः निज जावनु हांवें कर्णाटक घेने. आतां स्कूळ फैनल येताती. विद्यार्थ्यांक खुशी आशिल्लें पाठ घेवयेत.

रामः आरे चोरा, फटी सांगूनु माका फोटोंवचाक पोळोवनाका.

अनंतुः हांवें फटी सांगने. कृष्णाचार्या लागी निमगिल्यारी संगती कळतली.

रामः कृष्णाचार्यानू आमगेलो चेलो कर्णाटकांतु फेयल जालो म्होणु सांगता. परमार्थ तुमकां गोत्तू आसा वे?

कृष्णाचारीः अनंतान सांगिल्लें निज. ताणे चरित्र मात्र घेतल्यां. चरित्र घेतिल्यांक कर्णाटक ना.

रामः मागीरी तागेले प्रोग्रस रिपोरटांतु मार्क कशी घाल्याती? हेडमास्तरान दस्कत्तु घाला. हेड मास्तराक सुमार पेनष्यन घेंवुचाक जालें. तो हुशारू म्होणु नांव पावला. ताणे दस्कत्तु कशी घालें?

कृष्णाचारीः हेड मास्तरु ताका प्रायी 60 वर्षां जाल्यांती. जाल्यारी तो ताका 45 वर्षां म्होणु सांगूनु येता. काम कोरचाक प्राप्ती ना ताका. क्लासांतु येना तो. चेरडूवं तांगेला प्रयत्नानीची पास्स जाताती. आनी स्कूळ प्रारंभु केलेले मनुष्यांगेला सुकृतानी पास्स जाताती. आनी स्कूळाचें नांव चलता.

रामः आचार्यानू, ही खबर आयकुचाक माका व्यसन दिस्सता. स्कूळ इनस्पेक्टरान स्कूळाचे खातीरी चांग रिमार्क बरयलाती म्होणु आयकू पडता. तुमी सांगिल्लें व्हय जाल्यारी इनस्पेक्टरान चांग रिमार्क बोरोंवचें कशी?

कृष्णाचारीः नायकानो, तुमी ह्याची हळ्ळेंतु आसूनु पाटणांतु सक्कडय रामराज्य म्होणु लेकताती. आमगेलो इनस्पेक्टर एकु दोरे. ताणे इंगलीष रीडर्स

बरयल्यांती. तीं पुस्तकं स्कूळांतु चोरडुवानी घेतलावे म्होणु पोळोवुचाक मात्र तो वर्षाक एक सर्ती येता. पुस्तक चेरडुवानी घेतलारी ताका संतोषु. परीक्षा जाली. मास्तर इत्ते शिकयताती म्होणु तो पळयना. रिमार्क बरयता. सुमार 10 वर्ष तो ह्याची जिल्लेंत आसा. ताणे स्कूळांतु येवनु परीक्षा कोरनु प्रयोजनु आसा म्होणु डायरेक्टराक दाकोवचाक तो गुड, वेरी गुड, एक्सलेंट म्होणु बरयता. 'होळगिना गुट्टू शिवने बल्ला' देवाला दयेन आमी वांचूनु वरलाती. मुकारीक तो वेरी वेरी वेरी एक्सलेंट म्होणु बरोंवचें आमी आयकूयेत. आमगेलो हेडमास्तरु एकु शुक्राचारी. इनस्पेक्टराला आनी मेनेजराला दोळांतु पुडी घालचाक सामर्थ्य आसा ताका अपरिमित.

रामः कष्ट! कष्ट! अरविंदाक्षाक आतां सूपरविश्यन नां वे?

कृष्णाचारीः सूपरविश्यन गोपी. ताणे स्कूळांत येंवुचेंचि संबोळु घेंवचाक. स्कूळाचा माळियेरि खुर्षेरीच बैसूनु तो सूपरविश्यन करता. प्रोग्रस रिपोर्ट बरोंवचाक तो तोगू क्लासांतुला मास्तरांक तांगेली क्लास सोणु बरोंवचाक आपयता. ते मास्तर फोडीपान खावनु मदोन्मत्त जावनु काम सूरु करताती. अरविंदाक्षु विगताक्षु जावनु ताका कैळो घालता. मेनेजरु एकु वकीलु ताका नंब्र हेरळ आसति. ताज्या भायर ताका बेंक, चेलियांलें स्कूळ, होस्टल, जातीक उद्धार कोरचा अनेक काम ताणे बोडारी काळ्यांती. ताका जेंवुचाक ना फुरसती. तें देकूनु तो एक्कय सम पळयना. 'अंदा माट्टक इंदा साट्ट' ही जाल्या आतंची स्थिती. आमी सांगिल्लें काम कोरनु मेळ्ळोलो संबोळु घेवुचो 'पंडित बोले फाडी ननुप्पु'. आमी कांयी पुणीय

सर्ती - फंता, पावटि

सांगिल्लें दंद घालेलें अन्न

उलेल्यारी तो चाणक्यु हागे दवोर्नु मेनेजरा लागी दूरा सांगता. आमी मौन आचरण कोरचें उत्तम.

रामः आमगेलेची म्होणु आशिल्या स्कूळाची स्थिति ही म्होणु आयकुचाक माका व्यसन दिसता. स्कूळ सूरु केलेला महात्मालु सुकृतानीची स्कूळ अभिवृद्धीक येवो म्होणु हांव प्रार्थना करतां.

पुत्तीः कोपी उदाक नीवनु गेलें

रामः स्वामी, येयाती, कापी घेवुंया.

(रामनायकु, कृष्णाचारी, अनंतु कापी पिंवचाक वताती)

मंगळूरचे प्रथमले परिषदेचें वृत्तांत

(एक परणे रिपोर्टांतु थाकूनु)

मंगळूर केनरा हैस्कूळ भुवनेंद्र सभागृहांतु 1908 एप्रिल 20, 21 आनी 22 ह्या तारीक सोम, मंगळ आनी बुधवारा गौडसारस्वतांली एकि सभा मेळ्ळी. मंगळूर विनहावर्कड गावांचे चड ऊणे 175 प्रतिनिधी हाजर आशिल्ले. उत्तरकन्नडा, बेलगांव, श्यापुर, मलबार, कोच्ची, तिरुवांकूर आनी मद्रास थाकून प्रतिनिधि येवनु आशिल्ले. मंगळूरचेची 300 वैरी आशीले. एप्रिल 20 तारीक सोमवारा 3 घंट्यारी सभेच्या कार्याचा आरंभाक गांवांचे वेदमूर्ती मंगळूर नारायणाचार्य आनी वेदमूर्ती उद्यावर नारायणाचार्य ह्या दोग वैदिकांनी सभे कडेन देवाची प्रार्थना केली. नंतर सर्वाल्या सम्मती प्रकारी श्रीयुत् मंगळूर रामचंद्रय्यांक अध्यक्ष केले. आचार तकीत अग्रस्थानारी स्वल्प मिनुट बेसून आपण्याल्या अपरिमित प्रायेचा नित्राणा निमित्तीं रामचंद्रय्यांनी त्या स्थानाक माजी डिस्ट्रिक्ट जडजी दिवान बहदूर अम्मेंबाळ वेंकटरमण पैक नेमक केले. ह्या सभेचें कार्य मराठी आनी कोंकणी भाषेन निर्वहिसिलें.

आमंत्रण सभेच्या अध्यक्ष श्रीयुत् अ. सुब्राय पैनी प्रतिनिध्यांक स्वागत सांगूनु भाषण केलें. आद्याक मूलस्थान आशील्या त्रिहोत्रपुरां थाकून ही जाती गोमंतकाक कशी गेली, थंचान कशी चारी दिकाक प्रसरली आनी आतां एक भागांतु आशिल्यांक आन्येकांतुल्यांलो समाचारु कशी ना म्हळ्ळोलो विवरु सांगलो. आनी देवाल्या कृपेन ह्या परिषदा मुखांतर हे शाखे वापास मेळोती म्होणु प्रार्थना केली. अध्यक्ष वेंकटरमण पैनी सभे मुखारी आशिल्या कार्यांचें किंचित वर्णना कोरनु निर्णयसभा नेमक कोरूंक प्रतिनिधींक विनंती केली. 63 प्रतिनिधींली एकी निर्णयसभा नेमक जाली. आनी सभा हेरदीसु प्रातःकाल 7.30 घंट्याक मुखारसली.

हेरदीसु (21 तारिक मंगळवारा) प्रातःकाल 7.30 घंट्यारी मेळ्ळेली सभा 11 घंटे थांय आसूनु नेवान सांजे ६ घंट्यारी मेळनु 9 घंटे थांय आशीली. ह्या दिवसु फुडेची निर्णय सभेंतु सम्मति मेळ्ळेले सकलचे निर्णय सभेंतु मंजूर जाले.

1) ह्या सभेक गौड सारस्वत ब्राह्मण परिषद म्होणु नांव दींवका. आनी जातीक बरेपण कोरचें ह्या सभेचें उद्दिश्य जावंका. कुमटेच्या श्रीयुत् एन. एस. कामतीनी सुचून बेळगांवच्या श्रीयुत् जी. बी. कामतीनी अनुमोदन कोरनु सर्वान मंजूर केलें.

2) आमगेल्या समुदायाचा जनांक धर्माशिक्षण जावंका. मंगळूर श्रीयुत् दामोदर किणियानी सुचून जी. बी. कामतीनी अनुमोदन कोरनु सर्वांनी मंजूर केलें. मंगळूर उद्यावर नारायणाचार्यांनी आनी चेर्तले अनंत शेणैनी निर्णयाक पुष्टि दिवनु उलयलें.

3) आमगेल्या समुदायांतु प्रति एक चेल्याक आनी चेल्येक प्राथमिक शिक्षण मेळचाक विलेवारी कोर्का. दामोदर किणियानी सुचून शिरसी पि.एन.

पंडितानी अनुमोदन कोरनु सर्वांनी मंजूर केलें. ह्या निर्णयाक मद्दत दीवनु भाषण केलेले गृहस्थ कोणु म्हळ्यारी कोच्ची श्रीयुत् नरसिंह पै, मंगळूर अडिगे श्रीयुत् पत्मनाभय्या, वीरराजपेटचे श्रीयुत् गोपाल राव, कोची श्रीयुत् अप्पा राव.

4) आमगेल्या समुदायाच्या चेल्यांक उच्च शिक्षण दिंवचाक विलेवारी कोर्का. श्रीयुत् एन. एस. कामतीनी सुचून श्रीयुत् एस.वी. देशायी, श्रीयुत् एम.बी. कामती आनी मंगळूर अ. सुब्राय पैनी मद्दत दीवनु उलैलें. आमगेल्या समुदायाक उच्च शिक्षण दिवंचाक आमगेल्यानी कुमटेंतु आतां कोर्चा प्रयत्नांतु सभेचें पूर्ण तात्पर्य निशीं हो ठराव मंजूर केलो (समुद्र प्रयाणान परदेशा वचा विषयांतु कार्कळ श्रीयुत् के. एन. पैनी केलेली प्रतिसूचना परिषदांतु ती खबर येनी म्होणु काणु घाली)

22 तारीक बुधवारा फुळ्या दीसा वरीची सकाळीं सांजे सभा मेळ्ळी. जाल्यारी त्या दीसु सांजेची सभा सुमारु 10 घंटे थांयी आशिल्ली आनी सकलचे निर्णय मंजूर जाले.

5) आमगेल्या समुदायाक जीवनेक थर जालेले मार्ग मेळूक कलाशिक्षण दिंवका. मंगळूर श्रीयुत् वी. एस. कामतीनी सुचून मुल्केचा श्रीयुत् बी. नारायण कामतीनी अनुमोदन कोरनु, एन. एस. कामत, कलिकोड डी. गणपती राव, खेड एन.एन. भांडारकार हान्नी मद्दत दिवनु उलैलें. हें निर्णय सर्वांनी मंजूर केलें.

6) थंय थंय मुख्य स्थलारी संस्कृत शाला स्थापन कोरनु वा इतर रीतीन संस्कृत विद्येक प्रोत्साहु दींवका. मंगळूर श्रीयुत् एम. एस. प्रभूनी सुचून एन. एस. कामतीनी अनुमोदन कोर्नु मंगळूर श्रीयुत् उ. माधवार्चानी,

पांगाळ श्रीयुत् केशव नायकानी आनी मंगळूर श्रीयुत् अडिगे श्रीनिवास रायानी मद्दत दीवनु सर्वांनी सम्मत दिलें.

7) आमगेली भाषा परिष्कार कोर्चा विलेवारी जावका. एम.एस. प्रभूनी सुचून एन.एन. भांडारकरानी अनुमोदन कोरनु सर्वांनी मंजूर केलें.

8) हिंदुस्थानाच्या त्या त्या प्रदेशांतु आशिल्या आमगेल्या जनाली खानेसुमारी कोर्चें योग्य. मंगळूर श्रीयत् वेंकटरायांनी सुचून श्रीयुत् अ. श्रीनिवास रायानी अनुमोदन कोर्नु सर्वांनी मंजूर केलें.

9) जातीच्याले विवाद तीर्मान कोरूकयि जाती वृद्धीक हाडूंकयि जाले तेतल्या मट्टाक प्रति पाटणांतु आनी ग्रामांतु पंचायतांक नेमक कोर्का. एम.एस. प्रभूनी सुचून पी.एन. पंडितानी अनुमोदन कोर्नु जी.बी. कामतीनी मद्दत दीवनु सर्वांनी मंजूर केलें.

10) आमगेल्या समुदायाचें एक चरित्र बरोवनु फायीश कोर्का. आनी हें काम जातीच्या योग्य विद्वांसांक दींवका. जी. बी. कामतीनी सुचून एम. एस. प्रभूनी अनुमोदन कोरनु एन. एस. कामतीनी मद्दत दीवनु सर्वांनी मंजूर केलें.

11) प्रति वर्ष परिषद मेळचें बरें. ह्या संबंधी सभेचे नियम ठरायसुचाक एक कम्मिटी नेमक कोर्का. आनी येंवची सभा मंगळूरांतु मेळका. नगर श्रीयुत् नागप्पय्यानी सुचून श्रीयुत् के.एस. बडेस्करानी अनुमोदन कोर्नु कास्रगोड श्रीयुत् अच्युतय्यानी मद्दत दिवनु सर्वांनी मंजूर केलें.

परिषदान केलेल्या कामाचें संक्षेप वर्णन कोरनु मुखारी सभेन कोर्का जालेल्या परिश्रम दाकोवनु अध्यक्षांनी भाषण केलें. श्रीयुत् के.एस. बडेस्करानी आपणाले भाषणांतु प्रतिनिधील्या कडेन मंगळूरकारांक वंदन

कोरनु तांगेल्या सत्काराची आनी स्वयं सेवकांगेली प्रशंसा केली. श्रीयुत् अ. सुब्राय पैनी प्रतिनिधींलो उपकारु स्मरणा कोरनु स्वयम् सेवकांक दाकोवनु सांगलें इत्तें म्हळ्यारी 'यथार्थ विद्येचे महिमेन ह्या तरुणांक निष्काम कर्माची परोपकारी बुद्धी उत्पन्न जाली'. नंतर बंग्ळे नारायण कामतीनी आपणे आमगेल्या भाषेन तर्जमा केलेल्या भगवद् गीतेचे स्वल्प श्लोक वाचले.

सभेचे कार्यारंभारी प्रार्थना केलेल्या आचार्यानी देवान कार्य निर्विघ्नान जय कोरनु दिलेल्याक तागेली प्रार्थना केली. ह्या सभेचे पसावत आपणे रचिल्लें एक पद एका चेरक्यान म्हळ्ळें. 'देवु रायाक राको' म्हळ्ळेलें इंगलीष पद म्होणु सभा समाप्त जाली.

स्वस्ती.

पी. एन. नरसिंह पै (1879-1959)

एरणाकुळम गांवचो पुल्लेपरम्बिल नारायण नरसिंह पै 3-7-1879 दिसा जन्मलो. तागेले सानपणांतूच तागेलो बप्पा निधन जालेल्यान आनु श्रीनिवास पैले संरक्षणार ताणे धाव्यां भित्तर शिकवण केली. तो वेळ भितर ताणे संगीत, फिडिल, हारमोनियम आनी ताचे ओटू तकनीकी अभ्यासूय जोडलो. 1900 वर्सा विवाह जावन एक धूव जाली. सुमार सवीस वर्साक अध्यापन करून जावन मागीर तरातराच्या कामांनी जीवित मुकार व्हेलें - सूप्रेंड, कंत्राक्टर, ड्राफ्टमान आदी. ह्या कालार तांची कला साहित्यसेवा चडचड जाली. भजन, कीर्तन, नाटक, कथकळी, हरिकथा हांचेर तांची तान आसून स्वगृहांतूच केन्ना केन्ना कथकळी खेळयतालो. श्रीकृष्णाचो व्हड भक्त आसून तसल्यांतूच मग्न जातालो. 1931 वर्सा तांची बायल निधन जाली. धुवेलो बामूणूय निधन जालेल्यान तिगेलो आनी तिगेले तेग चेरडुवांलोय जीवित भार ताचेरीच जालो. जिणेचे कष्टान आनी मनोविचारान अनारोग्यांत पडलो. वातज्वर आयलें. पुण ताणे दैवभक्तीन आनी आत्मबलान जीवित मुकार व्हेलें.

कोंकणी भायर मलयाळम आनी इंग्लीष भासांनीय कीर्तनां, हरिकथा इत्यादी रचलीं, अवतरण केलीं. दक्षिण केरळचे जायत्या गांवांत हरिकथा सांगली कीर्तनां म्हळ्ळीं. 'श्रीकृष्ण भजन सारस्वत समिती' ताणे स्थापन केली आनी कोची रायाले सभेंतूय (1940) गीत संगीत आलापन केलें. दोन घंट्यांक जावन केलेले प्रस्तुतींत 'भीष्म प्रतिज्ञाभंग' म्हळ्ळेली हरिकथा ताणे इंग्लीषान अवतरण केली! अशी रायाच्या हातांनी तांय प्रशंसापत्र, उपहार जोडिल्ले पै मामान आपण्याल्यो साबार कृती पुस्तकरूपान उजवाडावनु स्वयं तीं पुस्तकां विकूक जावन घराघरांची भोंवडी घेतली...

जीवितभारान स्वंत घर नष्ट जावन, भाड्या घरांत राबून आसतना 1959 फेब्रुवारींत शिवरात्रीचे दिसा ताणे इहलोक सोडलो.

पि. एन. नरसिंह पै हांच्यो कृती

1) कुचेलोपाख्यान (हरिकथा) (1927)

2) चेल्लया चरित्र (हरिकथा) (1927)

3) भीष्मप्रतिज्ञाभंग (Kathakalakshepam in English)

4) श्रीकृष्णभजन, शिवभजन, शिवाष्टक, श्रीमहामाया कीर्तन, श्री वेंकटेश कीर्तन, श्रीकृष्ण आरती, इत्यादी

5) सत्यवान सावित्री, द्रौपदी वस्त्रापहरण, जन्म साफल्य (आदी हरिकथा) आनी सुमार कीर्तनां (1951)

6) श्री भगवती मानस पूजा (1951)

7) जीव चरित्रां (मलयाळम - 1951)

कुचेलोपाख्यान - हरिकथा

आदींत देव गुरु गणपती सरस्वती हांका सर्वांक नमस्कार कोरनु पूर्व द्वापर युगांत अत्यंत दरिद्रीय विष्णु भक्तूय जावनु आशिल्ले कुचेल ब्राह्मणालें चरित्र सांगूक प्रारंभ करतां.

- शंकराभरणम्. चाय्य ताळम्
- भक्त पारायणमा-मावनन्दा- यी रीती

कुचेलु म्होळ्ळोल कोण, आयकायि जन तागेलें चरित्र पावन-
ताका भूमीर मोहु ना मू सायूज्य मेळका म्होणू

रातीय दीसूय तपस्व कोरनू बेस्तोलो जालो ब्राह्मणू. (कु-
रात्यान स्नान करता नित्यकर्म केलोलो जाता
विष्णूचें ध्यान करता तपस्व कोरनू बेसता. (कु-
चोवधा जाण चेरडूवां जालीं जेवंचा खांवचाक नातीलीं जालीं
मागून मेळ्ळेलें खावनू पडलीं न्हय जाल्यार उपाशी पडलीं. (कु-
कुचेलाक भोजन नाका सुखाची निद्रा नाका
घर नाका दार नाका पूत नाका एकय नाका. (कु-
पोटय फाटीय एक जाली खाड मीशी वाढली
हातांतु बडी जाली तुळसी माळा गोमटेक घाली (कु-
दोळे भितरी फोंडां गेल्ले मांस नातिलें देह जालें
देह सुकून ना मू जालें हाडा बल मात्र वरलें (कु-
बायल तागेली पतिव्रता चेरडुवांक रक्षण करता
घरानी घर मागून हाडता निश्या घोटु सगटांक घालता (कु-

भीक मेळ्यार निशें पिताय न्हय जाल्यार उपाशी पडताय
बापा लागी रोणु सांगताय हरद्यार कपलार मारनु घेताय (कु-
तांका कोणाक न्हेसूक ना मू मागल्यार केदनाय दिवंचाक ना मू
निशें पिंवचाक वाट ना मू तांगेली गति अशी जाली मू (कु-
कुचेलु नित्य तपस्व करता बायलेक मागून पूरो जाता
जन सर्वय आंबुडता सांजे वेळा भात मेळता (कु-

(फाले फाल्यार सतड घडी रात्री आसतना कुचेलु स्नान कोरनु तपस्वाक बेसता. ताका घर आसा म्होण जावो,बायल चेरडूवां आसा म्होण जावो, तीं जेवता वे खाता वे म्होण जावो तो एकय नेण. ते कुटुंबाची नित्यवृत्ती आनीक सांगता)

- सूरत - रूपकम्
- तिल्लांतिरी तिल्लांतिरी - ये मट्ट

मध्यरात्री बेसून विप्रु मध्याह्नारी उटायलो
बायलेन इतेंय दिलें जाल्यार तोवय खातोलो जालो.
सांजेवेळा दुशेर कुचेलु स्नान कोरनु येता
भजनांक प्रारंभ करता रात्री पर्यंत बेसता.
इहत्र बायल पुत्र सर्वय त्यागु कोरनु राबीलो
कशी तो मागून हाणू कुटुंब पोशीतोलो.

(अशी बापूस चेरडुवांक चोयना. आनी तीणेय चोयनातीलें राबिल्यार चेरडुवांली गति इतें अशी म्होण व्यसन पावनु-)

काडचे बाळांक काणु तीवय भीक मागूक वता
बाकी आशीले बाळ सर्वय तिजे मागल्यान येता.

मागूक गेल्यार कोण दीना, भूक लागून येताय
सांजेवेळा घरकडे येवनु रोणू रोणू पडताय.

(चेरडूवां सगटय अत्यंत पोटा भुकेन इत्ति सगटय करतानी म्होण सांगतां)

दुशेर दिसा फालें जालें चेरडूवां सर्वय उटायलीं
अम्मा लागी एकडे जावनु तिका बाधा दितलीं.
अम्मा वाडी खांवचाक दी गे कालि कांय खेल्लेना
इत्या बेसून रडता अम्मा, उदाक सरी दीना.
पळ्यां पळ्ळेलें चेरडूं रडता आनीक पोट ताणता
आनी एक चेरडूं येवनु तिजे मागल्यान भोंवता.
वाडी म्होण एद्दे जाण फाडीं तिगेलीं ओडीताय
व्चोरला धोरनु बाकी सर्वय ओडून अन्न मागताय.

(चेरडूवां समस्तय तिजे मागल्यान निशें मागून भोवनु कांय जाल्यारीय मेळनातीले पसावत बप्पा लागी वचून ताका पोटोवनु धोरनु रोणु ताजे लागीय अन्न मागतल्लीं जालीं. तागेलें देहय मनय समस्त परमात्मांचेर जावन आसा देकून चेरडूवां आयलीं म्होण कांय तो नेण. दुशेर अम्मा लागी वचून सांगताची)

- सुरुटी रागम् -रूपकम्
- व्यर्थया जन्मासी आलो कैसे वाट देवा -ये मट्ट

अम्मा, बप्पा नांक धोरनु कोणा लागी उलयता
आमी लागी गेल्यार चोयना मनांत तो हासता.
(दुशेर बोब घालनू अम्मा लागी सांगताची)

कालि कांय ना, आतांय कांय ना, इतेंय दी गे अम्मा
उबी राबल्यार कपाल घुंवता पोट दुक्कतम्मा.
चेरडूवां सर्वय तिका सोणाय- भुकेन वेष्टण घेताय
खांवचा दी गे वाडी म्होण मागल्यान केदनाय भोंवताय.
रडतले चेरडुवांक चोवनु तांचे लागी सांगता
पुता तुमी रोडूनाकाय अशी म्होण मागता.
आतां बप्पा उटावून भायर भीक मागूक वतलो
खांवचाक घेवनु तुमचे लागी बप्पा आतां येतोलो.
आयंडे गीळनु बाळ सर्वय होळ्ळो हर्ष पावले
केद्दाण उटायतोलो म्होण बप्पाक चोवनु बेसले.
मध्यान वचून सांज जाली बप्पा बेसोलो उटायना
पोटा साल्यो दुक्कतम्मा. बप्पा आमकां चोयना.

(पोटाक भूक तारासूक पाडनातीलीं जावन आतां चेरडूवां अम्मा लागी वचून बोब घालताय.)

अय्यो अम्मा कपाल घुंवता पोटांत इतेंय जाता
अय्यो इतेंय दीगे अम्मा प्राण वचाक वता.

(पोटा भुके वेदनेन एदींय चेरडूवां थांगा थांगा बोब घालनू क्षीणित जावन पळ्ळीं. बाकी चेरडूवां कपाल धाडावनु रोणु रोणु हरद्यार मारनु तींवय पळ्ळीं. दुशेर उटावनु बोब घालनु सांगताची)

इतेंय दीगे, कांय नज, पोटांत इतेंय जाता
पाय वळता, हात वळता, जीब आमची सुकता.
एकोल चेलो पाले खाता, एकोल उदाक पिता
सान चेरडूं रोणु रोणु पोट ताणू पडता.

(यें सर्वय देकून ब्राह्मणस्त्री अत्यंत संकटान चेरडुवांक पोटोवनु धोरनु रोणु उलयता)

आरे पुता रोडू नाका हर्कि जावन चोय
बप्पा आतां उटावनु खांवचाक हाणु दितोल चोय

(ब्राह्मणस्त्रीयेन चेरडुवांक काणी सांगून पांच घडी रात्री पर्यंत काळ्ळी. उपरांते उप्पासा क्षीणान पोटा साल्यो फाटी लागून समस्तय चेष्ट नातिल्लीं जावन, श्वास सरी बलान सोडूक निवृत्ती नातिल्लीं जावन थांगा थांगा पळ्ळीं.)

चेरडुवांक चोवनु रोणू हरद्यार बायल मारता
तांचे लागी वचून चोवनू कपाल खाल धाडायता.

(मोहालस्य येवनु पळ्ळेले चेरडुवांक चोवनु रोणू जाल्ले उपरांते आनीक हाका वाट इतें म्होण आलोचन करतली जाली. एकि वाटय मनां जाली ना. भर्तारु कांय यें नेण. आनीक जगदीश्वरु साक्षात् श्री गोपाल कृष्ण विना आमकां कोण बन्धू ना म्होण निश्चय कोरनु ते पर्णशालेंत पळ्ळेल्या चेरडुवांचे मद्दें बेसून कृष्णाक उळदून बोब घालता)

- कमाशी - चाय्प
- माताडा बारदनु-ये मट्ट

दारिद्र्य दीवू नाका, गोपाल कृष्णा (दा-
दारिद्र्यांत पोणू आमी कष्ट पावंताय स्वामी (दा-
ध्रुवाक तूवें रक्षण केलो, गजेन्द्राक मोक्षु दिलो
प्रह्लादाक जावंका जावनु, तागेले बप्पाक वध केलो (दा-
दुर्योधनाली शासना मेळनु द्रौपदीक सभेर हाळ्ळी

दुश्शासनान शेंडी ताणू होडी पीडा तिका दिली (दा-
दुष्टांचे हातांत ती जाली. सहायु नातिल्ली जाली
तुका उळदून बोब घालनु रक्षा मेळूक मागतल्ली जाली (दा-
बोब तिगेली अयकल्ली जाली. तिका तूवें रक्षण केली
अक्षय वस्त्र दीवनु तिका भयांत थाकून तारण केली (दा-
मनुष्य जन्मांत माका घाली, संकटांत बुडल्ली जाली
संतान झायतीं माका दीवनू उपासाची गति केली (दा-

(अशी रोणु दीन स्वरान मध्य रात्रींत देवाक उळदून बोब घालचे समयार कुचेलु समाधी सोणु उटायलो. दुशेर बायल रोणु देवाक उळदूनु बोब घालता)

श्रीकृष्णा नरकारे, जगदीशा कंसारे
आमी पांवचे कष्ट चोवनु रक्षण करि होगी हरे-

(कुचेलु धरार उटावनु बायले लागी वचून तिजे लागी इत्याक व्यसन करता म्होण निमगीता. आतां ती भर्तारा लागी सांगता. देवाक उळदून संकटय सांगून रडता)

- नाथनामक्रिया - आदी
- ओरडि वैक्क मट्टोरडि वैक्कयिल - यी रीति

हे स्वामी जेंवचा ना मू
भीक घालूक कोणेय ना मू
चेरडुवांक अन्न ना मू स्वामी
हांव सर्वय चोंवका जालें मू
सहायाक कोणेय ना मू
आमगेली गति अशी जाली मू.

(कृष्णा तुका विसोरनू हांव कांय करना
इत्या तूं आमकां चोयना)
पयरीय कांय ना, कालीय कांय ना
केदनाय कोणेय दीना स्वामी
चेरडुबाळ परदी दीना
निशें पुणेय दिवंचाक गति ना
मेजे देहाक प्राणु कांय ना. (कृष्णा-
मागू गेल्यार सर्वय सवताय
आंबूण आमकां भायर घालताय
सांजेवेळा भात दिताय स्वामी
उसळ म्होण आमकां सांगताय
कांय नातीलें आमी येताय
अपमानु आमकां करताय (कृष्णा-
दोनि दीस हांवे काळ्ळे
चेरडुवांक फोटोवनु गेल्ले
आयची रात्रीय गेल्यार जाले स्वामी
पूत जन्मा वतले
दुःख आमी भोगितले
कष्ट आमी चोंवका जातले (कृष्णा-
कालीय पयरीय मागल्यान भोवनु
अन्न निशें मागूनु भोंवचा दिल्लेना रोणू
स्वामी दोळे धांकून भूक लागून
देहाक चेष्टा ना मू (कृष्णा-
चेरडू नातीली गति ना मू

चांगी गतीक वाट ना मू
नातीलो व्रत कोरनु भर्तारा
काल वताय जाण मू
चेरडू एकय जायना मू
नाका म्हळ्यार माका जाता मू (कृष्णा-
तुमी आतां वोरोव हाडका
निशें कोरनु आमकां घालका
आमचेरी दया जांवका स्वामी
आयचें तपस्व सोडका
ताळो तिमोंवका आमकां
सर्वांक रक्षण कोरका (कृष्णा-

(अशी सर्वय भर्तारा लागी सांगिल्ले उपरांतें ती पोटाक भूक तारासूक निवृत्ति नातीली जावनु कपलाक मूर्छ येवनु व्यसनान भूमीर पडतली जाली. कुचेलु इत्ति कोरतोलो. परमात्म म्हळ्ळेलें एक नांव मात्र ताका रक्षण करता. विना आहारु देकून थोगडे दीस जाले. चेरडुवंय बायलय थांगा पळ्ळेलीं देकून व्यसन पावनु बायलेक शैत्योपचारु कर्तल्लो जालो. उपरांतें-)

- मोहन रागम् - चाय्प ताळम्
- रंगनायकारा जीवलोचना - यी रीती

हे स्वामी जगत्पते, राक करुणानिधे
आतां तूं आमकां पांवका लक्ष्मीपते-
कुचेलान बायलेक काळ्ळी
संकटान पोटोवनु धरली
भर्ताराक ती भक्तीन चोयली

हर्द्यार कपलार मारनु रळ्ळी. (हे स्वामी-
उलोवनातीलें बालकांक चोवनु
कुचेलान हर्द्यारि मारलो
निशें पिंवचाक वाट ना म्हूण
चेरडूवांक पोटोवनु धोरनु रोळ्ळो
व्होडु गोंदोळु ताणे घाल्लो
मोहालस्य येवनु पोळ्ळो
तावतावळी उटावनु बेसूनु
चेष्ट नातीलो तोवोय जाल्लो (हे स्वामी-
(कुचेलु चेरडुवांक चोवनु रोणु उलयता)
मेजे पासून जनन जाल्ले
उपवासान अशी जाल्ले
मेजें देह इत्या वरलें.
कष्ट हांवें चोंवका जाल्ले.
असले बापा पूत जावनु
तुमी समस्तय जनन जाल्ले
पापी जावनु हांव वोरनु
तुमगेले जन्म प्रथा केल्ले (हे स्वामी-
(बायले लागी कुचेलु उलयता)
हांवें खंयी मागूक वचूका
तूवें माका सांगूका
वचूनातीले दिकार पांवका
मेळ्ळेलें हाणु तुमकां दिंवका
तुमी संतोष पावनु जेवनु खावनु राबूका
सायूज्य मेळचे खातीर विष्णूचेरि भक्ति जांवका (हे स्वामी-

#234

(भर्तारान अशी चेरडुवांचेरि वात्सल्य पावनु मागूक खंयी वचूका म्होण निमगुचाक आतां ब्राह्मणस्त्री भर्तारा लागी सांगतली जाल्ली)

- आनंद भैरवी - चायप्
- दर्शन दी तूं माका श्री वेंकटेशा- यी रीती

हे देवा पांव तू आमकां रुग्मिणी रमणा (हे देवा-
हे स्वामी सांगूचें आयकायी
स्त्रीयेली बुद्धी मेगेली चोयाय
देवाले खेळ आयकायी
हांवें सांगूका नाका तुमकांय (हे देवा-
कंसालो मदु चड जाल्लो
भूमीक भारु झायतो जाल्लो
जीवु साधूंक नाका जाल्लो
पतिव्रताक भंगु आयलो (हे देवा-
ताका संहार करूक जावनु
देव गेल्ले संकट पावनु
क्षीराब्दींतु विष्णूक देकूनु
नमस्कार केल्लो हर्की जावनु (हे देवा-
विष्णु सर्वय जाण जाल्लो
संतोष पाविल्लो जाल्लो
देवांक चोवनु हर्की जाल्लो
कायरें सांगून बळयतोलो जाल्लो (हे देवा-
कंसु सर्वय जाण जाल्लो
भयान व्यसन पावलो
संकाळ हाणु बंधन केल्लो

वसुदेवाक तुरुंगां घाल्लो (हे देवा-
देवकीक बाधा दिल्ली
भर्तृसमेत तुरुंगां पळ्ळी
देवा उळदूनु बोब घाल्ली
दिल्लेलि बाधा सहन पावली (हे देवा-
अष्टमी रोहिणी आयली
सोळा घडी रात्री पावली
पावसाची खेस्ती जाल्ली
असुरांक नीद पळ्ळी (हे देवा-
पायाची संकाळ गेल्ली
महाविष्णूक प्रसवु पावली
मूर्ती चोवनु हर्की जाल्ली
पांयी पोणु स्तुती केल्ली (हे देवा-
भांगराचें किरीट आसा
वज्रा बळी हाता आसा
चारि हात चेरडाक आसा
शंख चक्र धर्शिल्ले आसा (हे देवा-
श्रीवत्सलांचन चन्द्रावरि वदन
वसुदेवाक संतोषान जाल्लो तोवोय अचेतन (हे देवा-
पुत्रु जावनु जनन पावलो
विष्णु म्होणु मनांतु जाल्लो
मागीर कोर्चुपदेशु दिल्लो
सान चेरडूं जावनु पोळ्ळो (हे देवा-
पूतनेक सोसूनु मारली
कंसान झायती बाधा दिल्ली

सर्वांक कृष्णान फटवण घाल्ली
विष्णु म्होणु संजणी दिल्ली (हे देवा-
चाणूर मुष्टिकांक
युद्ध कोरनु नाशु केल्लो
कंसाले माळियेर बलान चोणु
कृष्णान मामाक संहारु केल्लो. (हे देवा-
पांडवांलो मित्रु जाल्लो
द्रौपदेक सहायु केल्लो
पांडवांक मुकारी घालनु
असुरवंशाक नाशु हाळ्ळो (हे देवा-
द्वारकेंतु आसा कृष्णु
अवतारू तागेलो विष्णु
सांगाती तागेलो पांडव जिष्णु
तुमगेलो तो मित्रु कृष्णु (हे देवा-
कृष्णु सर्वांक रक्षण कोरचो
भक्तांक सर्वांक इच्छिल्लें दिंवचो
अनाथांक धारारि पांवचो
तुमी केदनाय स्तुति कोरचो (हे देवा-
कृष्णाक देकूक तुमी वचाय
कष्ट ताजे लागी सांगाय
तो आमकां दितोलो चोयाय
तोडोवु नाका वचून येयाय (हे देवा-

(बायलेन जगदीश्वराचेरि आशिल्ले दृढभक्तीन सांगिल्लें आयकून आतां तिजे लागी कुचेलु उलयता)

- मुखारी - आदी
- पालिम् पवन्मा - यी रीती

प्राणप्रिये तूं आयक, तूवें म्हळ्ळेलें हांव करतां- (प्राण-
कृष्णूय हांवय गुरूथंय दोगांय सहपाठी जाल्ले
आतां साभार काल गेल्ले, कोण माका वळकतले? (प्राण-
रायाक देवाक चेरडाक देकूक वता जाल्यार
इतेंय जाल्यारि हातां जांवका
खांवचा पुणेय लागी व्होरका
संतोषान तांका दींवका
मागीर गेलेलें कृत्य कोर्का-
प्राण प्रिये वचून इतेंय हाडि
धारारि तोडोव नाका हे प्रिये
पतिव्रते वोगी धावनु दी तू हाणु
हांव देवाक देकूक चमकतां
भक्तीन देकून येतां (प्राण-

(ब्राह्मणस्त्री धारारि सेजवासार वचून मागतल्ली जाल्ली. तिका एदेंच भात मेळ्ळें. घरकडे हाणु फोव कोरनु गोपालकृष्णाचेरि आश्लि्ले दृढभक्तीन भर्तारा लागी दित्तल्ली जाल्ली)

- बिहाग - आदी
- नामदेवकीर्तन करि पुढे - यी रीती

वस्त्रा चिंदियांतु ते बांदीलें, खाक्यांतु दवरलें
बायलेकय चेरडुवांकय आशिर्वाद दिल्ले.
निशें दिकून थोकडें जालें, पोट फाटीक लागलें

उबी राबल्यार कपाल घुवलें, असलें कर्म जालें.
चिंदियो काणु देहाक वेडायल्यो
गोंवटेक माळा घाल्यो
पर्णे सात्तें बडी काणु
संत भायर सरलो.
चमकून चमकून वतलो जालो
कपाल घूवनु पोळ्ळो
भुके क्षीणान थांग थांगा बेसोलो
उटावनु संत गेल्लो.
कृष्णाक चोयतोलो म्होणु मनांतु संतोष पावनु
देवाचेरि मन दीवनु वता पांय पोणु-
द्वारकेचे लागी पावलो
कुटुंब म्हळ्ळेलें विसोरलो
विष्णु भक्तींतु लीन जाल्लो
गायन कोरनु गेल्लो-

- यदुकुल काबोंधी - चाय्प
- नामाडिते कर्मबलवंते - यी रीती

श्रीकृष्ण मुरारे द्वारकानाथा शौरे
नरकारे कंसारे पालय मां हरे-
अशी कृष्णाली स्तुति कोरनु
कुचेलु भायर सोरनु
संत संत चमकूनु
वत्ता द्वारकेक चोवनु (श्रीकृष्णा-

(कुचेलु द्वारके गोपुरांतु पावलो. तागेलें विकट रूप देकून द्वारपालकानी भितरी ताका सोळ्ळोना. तो भायर राबून परमात्माक इत्ति कोरनु देकूचें म्हूण विचारु काणु राबीलो. ते विळारि -)

अंतपुरा मांचारी परमात्मान शयन केल्लें
कृष्णाक रुग्मिणी समेत क्रीडेरि मन जाल्लें
गोपस्त्रीयान कीर्तन केल्लें. जांबवतीन वारें घाल्लें
सत्यभामेन तांबूल दिल्लें, कृष्णान चर्वण केल्लें (श्रीकृष्णा-
तांबूल विसर्जन करूक कृष्णु उटायतोलो जाल्लो
गोपुरांतु कुचेलु दृष्टींतु पोडतोल्लो जाल्लो.
उटावनु धावनु गेल्लो गोपुरांतु पाविल्लो जाल्लो.
कुचेलाचे पायारि पोळ्ळो साष्टांग प्रणामु केल्लो (श्रीकृष्णा-
कुचेलाक पोटोवनु धरलो, संकट पाविल्लो जाल्लो.
पल्लक्यांतु बेसयलो अंतपुरांतु हाळ्ळो.
उबारनु माळियेरी व्हेलो, मांचारि बेसयलो
उदाक हाणु पाय धूवनु पाद्यपूजन करतल्लो जाल्लो (श्रीकृष्णा-
पाय धुल्लेलें उदाक काणु शिरसारि प्रोक्षण केल्लें
सर्व बायलांचेय मात्यारि भक्तीन घाल्लें
विप्राक पूजन केलें. अभ्यंगान स्नान केल्लें
पंचपक्व समेत ताका संतोषान अन्न दिल्लें (श्रीकृष्णा-
मांचारि बेसयलो. तांबूल दितोलो जाल्लो
कृष्णु खाल बेसूनु पाय चिरडितोल्लो जाल्लो
पर्णी कथा उलोवनु कल्पना बायलांक दितोल्लो जाल्लो
आयणे काणु वारें घालूक सर्वा लागी सांगतोलो जाल्लो. (श्रीकृष्णा-

(आतां कृष्णु कुचेला लागी उलयता)

- आनंद भैरवी - चाय्प
- नामसंकीर्तना रीती

हे स्वामी ब्राह्मणा विद्या शिकू गेल्ले
विद्या अभ्यास कोरनु आमी राबीले, आमी राबीले.
राकडाक आमी गेल्ले वनांतु पावले
राकूड आमी काळ्ळें भायर सरले.
संध्याकालु जाल्लो पावसु व्होळ्ळो आयलो
काळूकु जाल्लो तूंवय भिल्लो तूंवय भिल्लो.
वनांत आमी राबिले, राती थांगा पळ्ळे
गुरु व्यसन पावले बेसूनु रळ्ळे बेसूनु रळ्ळे.
सन्न प्रायेरी खेळ्ळेले खळ विसोरलो वे कुचेला
झायते कष्ट भोगूनु हांगा आयला
ईश्वरान माका झायतीं चेरडुबाळां दिल्लीं
नातूर पोणतूरवाळो स्थिती जाल्ली स्थिती जाल्ली.
जालो वे विवाहु तुका, दया कोरनु सांगूका
जालीं वें चेरडूवां कथन कोरका

(यें आयकून कुचेलु लजेवनु मातें खाल घालनु नमस्कार कोरनु उलयता)

विवाहु जावनु माका पूत झायते जाल्ले
हे स्वामी तुगेलें माका दर्शन मेळ्ळें, माका मेळ्ळें

(यें सांगून जाल्ले उपरांतें कुचेलु पांय पोणु देवाचें ध्यान कोरनु भूमीवेली आशा विसोरनु देवाक प्रत्यक्ष जावन देकीलो म्हळ्ळेले संतोष सागारांतु मग्न

जावनु देहाक संज्ञा नातीलें दोळेय धांकून बेसतोलो जाल्लो. एदे दिसांक जाल्यारीय चिन्ना कृष्णा लागी वचून मागून हाड्याय म्होणु बायलेन सांगून बळयलेली अवस्था कुचेलु विसोरलो. बायलय चेरडुंवय थांगा पोणु ताका उळदूनु घालची बोब परमात्मांचे कानांतु पडता. कुचेलाक एकूय मोहु ना म्होणूय जाण जाल्लो. भक्तांचेरि वात्सल्य आशिल्लो तो जगदीश्वरु कृष्णु यें सगट देकून कुचेलाक कांय जाल्यारीय मनां कोरनातीलें, कठिन जावनु आशिल्ले वोतांतु पोणु कीडो आंग लासून कशी विडविडेता ते वरी पोटा भूक म्हळ्ळेले अग्नींतु पोणु बाधा काडचे ते कुचेलाले चेरडुवांलेय बायलेंलेय दारिद्र्यपण पेल्यान घालूक जावनु निश्चय कोरनु आतां कुचेला लागी उलयता-)

- कल्याणी - आदी
- राजाधिराजनान हस्तिनपुरी - यी रीती

देवदेवेशा मुकुंदा, श्रीकृष्ण प्रभो
रक्षण करि आमकां-
हे स्वामी ब्राह्मणा माका खांवचाक इत्तें हाळ्ळें
मिजेरी वात्सल्यान बायलेन इत्ती दिल्लें
तें दी म्हूण तोंडान सांगीलें
दीना देकून हातान मागीलें
भक्तान हाळ्ळेल्याचेरी आयंडे दिस्तल्ले जाल्ले.
कुचेलाक पोटोवनु धोरनु दुशेर दुशेर मागीले जाल्ले. (देव-

(कृष्णान निमगिल्लें कांय कुचेलु नेण. तो साक्षात् परमात्माचेरी मन जावनु बेसला. संजणी येंवचाक कृष्णु दोनीय हात कोंजोली कोरनु धोरनु मागून राबिल्लो देकीलो. तावळी थांगा इत्तें जाल्लें म्हळ्यारी-)

सुधामु लजेलो, फोवु निपयतोलो जाल्लो
कृष्णु सर्वय जाण जावनु खाक्यांतु हातु घाल्लो
पट्टळी काडतोलो जाल्लो, काणु सोणु चोयलो
एकु घासु फोवु काळ्ळो भक्तीन खातोलो जाल्लो
बायलेले कष्ट वचून थांगा संतोषु जातोलो जाल्लो (देव-

(परमात्मान भक्तीन एकु घासु फोवु खांवचाक कुचेलाले घरकडे इत्ती सगट जालें म्होण आनीक सांगतां-)

एकु घासु फोवु खेल्लो
ये जन्मांतु मोक्ष मेळ्ळो
आनी एकी कोंजोली काणु
कृष्णु खांवचाक भायर सरलो
रुग्मिणीन हाता धोरलो
फोवु ताणु व्हेलो
मागीर खांवचा दीवनातीलें
फोवु तीणे भितरि व्हेलो
कुचेलु बहु व्यसनान
चारि दिकार चोयतोलो जाल्लो (देव-

(आनीक कृष्णान दुशेर फोवु खेल्यार कुचेलालें आंगण झाडूका जातलें. तें नातीलें राबूक जावनु अत् तीणे मागीर फोवु उप्पून व्हेलोलो. हाजें कायरें इत्तें म्होण कुचेलाक एकय मनां जालेंना. राती मांचारी व्होरनु निदायलो. सुखान निदेवनु फालें जाल्लें. कुचेलु उटावनु कृष्णा लागी वचे बगेक अनुवादूय काणु घेवनु भायर सोरनु वाटेरी पावलो)

तावळ ताका उडगासु जाल्लो
हांव इत्याक आयलोलों
बायलेक चेरडुवांक निशें पिंवचाक
निमगूक गेलों
देवाले मायेंतु पोळ्ळो
सर्वय तावळ विसोरलों
घरकडे गेल्यार बायले लागी
इत्तें म्होणु सांगतोलों
चेरडुबाळांक समाधान
कशी हांव कोरतोलों (देव-
दुःखान चमकीलो
लागी लागी पाविल्लो जाल्लो
व्होळ्ळे व्होळ्ळे गोप्रां चोळ्ळो
व्होळ्ळें घर देकतलो जाल्लो
जनपदान मानु केल्लो
विसोरनु द्वारकेक पावलो
म्होणु विस्मयु पावनु
मागल्यान मुकार वतोलो जाल्लो.
वचून वचून घरा लागी
संकटान पांवतोलो जाल्लो. (देव-

(कुचेलालो दिकू उजवाडेलो. द्वारकेंतु आशिल्ले वरी सर्वय थांगा देकतोलो जाल्लो. उपरांतें जालोलो विशेषु सांगतां-)

- बलहरी - एक ताळम्
- मलयातिरु मनमे - यी रीती

जय जय जगतिबंधो गुणसिंधो (जय-
कुचेलु ब्राह्मणु विस्मयु पावलो
धायी दिकारि चोयतोलो जाल्लो
पोरतून मागल्यान वचूनु
दुशेरि घूवनु मुकारी गेल्लो
जन सर्वय नमस्कार घालताय
यजमान म्होणु सर्वय म्हणताय
वाटेरी धूरा सरताय
तोंडारि हातु दवरताय
मागल्यान सर्वय येताय
जय जय म्होणु शब्दु करताय
वाहन हाणु चडाय म्हणताय
पाल्लकी हाणु मुकारि दवरताय
संतोषान तोरण बांदिताय
पिट्येन बोरोवनु अलंकार करताय
पांय पोणु जन चोयताय
भक्तीन ताजे लागी उलयताय (जय-
कुचेलु पिशारि पोळ्ळो
स्वप्न म्होणु विचारु केल्लो
जना लागी निमगून
थांगा थांगा बेसोलो जाल्लो
हांव दरिद्री ब्राह्मोण
निंदा करताय म्हण्टल्लो जाल्लो
चेरडुवांक पोसूक नातीलो
महापापी हांव जाल्लो

ये दिका नांव इत्ति म्होणु
जनपदा लागी निमगितोलो जाल्लो
धूरा थाकून चमकून आयलो
वाट विसोरनु हांगा पावलो (जय-

(यें आयकून जनपद समस्तय कुचेल ब्राह्मणांचेरि दया पावनु उलयता)

हे स्वामी कुचेला
यें सर्वय तुगेलें यें राज्य तुगेलें
देकूयेंवचें तुगेलें, आमी सर्वय तुगेले
यें घर तुगेलें, धनधान्य तुगेलें
गोपुर सगटय तुगेले, आमी सर्वय विस्मय पावले
देवान तुमकां चांगपण केलें
माफ कोरका आमी केलेलें
तुका आमी शरण आयले (जय-

(कुचेलु ब्राह्मोणु पर्णे सात्तें बडी सगटय काणु घरा मुकार वाटेरि पावलो. तार्वाळि बायल इत्ती करता म्हळ्यार-)

- जिंजरुटी - देश्यादी
- आकाशांतिलरंग सांगया - यी रीती

वासुदेवा जगत्पते तूं मेजेरी दया करी
दया केल्लेना जाल्यारी गति इतें मुकारी (हरेश्री वासुदेव-
भर्ताराक चोवनु बेसतली जाल्ली
दृष्टि वाटेरी जाल्ली
चेरडुवांक चोवनु संतोष पावली

पोटा भूक गेली - (हरे श्री-
पिंजल्लें सात्तें हातांतु करटें
भीक मागूक वचे वरी चोवनु
व्यसन पावनु बामणा लागी धावनु वत्तली मू- (वासुदेव-
पिंजल्लीं वस्त्रां धूरा उडयलीं
पाट्या वस्त्रां दिल्लीं
भृत्यानी थांगा पाल्लकी हाळ्ळी
तोवोय तीवय चळ्ळीं (हरे श्री-
घरकडे हाळ्ळो मांचार बेसयलो
व्होडु आदरु केल्लो
अभ्यंग स्नान कोरनु
पंच पक्वानी वाळ्ळो (हरे श्री-

(जेवण खाण सगट सुखान जाल्लें. उपरांतें आतां बायल भर्तारा लागी उलयता-)

तुमी थांगा गेलेले वेळा
हांगा जाले खेळ
धन धान्य सर्वय जालें
आमकां कृष्णान दिलें (हरे श्री-
कृष्णा लागी इत्ति सांगीलें
ताणे इत्तें केल्लें
देवान चोंवचाक सर्वय जाल्लें
दरिद्र सर्वय गेल्लें (हरे श्री-

(यें वर्तमान आयकूचाक कुचेला दोळ्यां थाकून आनन्दबाष्प येतल्लीं जाल्लीं. स्वल्प गेल्ले उपरांतें बायले लागी उलयता)

प्राणप्रिये थांगा पावलो कृष्णाक देकीलो
झायतो आदरु माका केल्लो. सर्वय विसोरलों (हरे श्री-

(द्वारके विशेषु अधिक सांगूनातील्लो जावनु बायलेक ज्ञानोपदेशु करता.)

स्तुति कीर्तनां

- मध्यमावति - आदि
- शेषाद्रिवासा - यी रीती

वसुदेवा तनया कृष्णा द्वारकनाथा
मधुसूदनरामा कृष्णा दी तूं नित्य मंगळ
परमात्मा जगदीशा कंसारे कृष्णा
देवकीतनया कृष्णा दी तूं नित्य मंगळ
पुत्रदार धन देकून तुका आमी विसरताय
केलेलें सर्वय क्षमु पावनु दी तूं नित्यमंगळ
दारिद्र्यांतु पोणु आमी वोड कष्ट पांवताय
दारिद्र्य पेल्यान घालनु दी तूं नित्यमंगळ
सुधामु ब्राह्मणाली यी कथा आयकाय
म्हळेल्यांकय आयकिल्यांकय दी तूं नित्यमंगळ

- धनाशी - आदि

पंचसरोजश्री वेंकट रमणा, करि मेजेरी करूणा
मोहन तुजें गात्र
भक्तांक अभय दिंवचाक पात्र
आमी कर्ताय तुजें स्तोत्र

मागिल्लें आमकां दी तूं आतां (पंच-
आमगेले पूर्वजानी कष्ट साभार भोगीले
देवालय कोरनु घालें
आमी तुका विसरले, तुजेरि विश्वासु नातीले जाले
अत्यंत दारिद्र्यांतु आमकां तूवें बुडयिले (पंच-
मधुसूदना हरे पाहिमां नरहरे
विश्वमोहना शौरे
संसारतारणांक तूं विना मुरारे
कोण ना जाले पासूनु सहायाक योरे (पंच-
नृसिंह शर्मान स्तुति भक्तीन केली
समस्तानी म्होणका जालेली
कामिदायक श्री श्रीनिवास देवागेली
भक्तीन नित्य म्होणका पठन कोर्का जालेली (पंच -

● शुद्ध सावेरी - आदि

महामाये तुका नमन करता हांव भक्तीन
करी माका चांगपण आयलो तुका हांव शरण
वज्राकिरीट आसा मस्तकार कुंकुमे तिळो निडळारी
सुगंधाचे पुष्प मात्यारी कस्तूरीचो पोर्मोळ आंगारी
हासूनासा तुजें तोंड पत्माक्षा वरी वोंट
कोमळ तुजे हात तुजी चरण अती श्रेष्ट
पीतांबर न्हेसूनायल्या केत्वील भांगार गळ्याक घाल्यां
वज्रा बळीं हाताक घाल्यां आयदूव धरसूनायल्या
कुरटाक आसा वोढ्याण हाताक घाल्याय कंकण

श्यामळ नीळ वर्ण आसा देह कांतीन
हे देवी मानसान करतां हांव पूजन
स्वीकार कोरनु तृप्तीन दी वोरू दयेन
रत्नांचें आसन धरी ताजेरी स्थिती करी
गुरबा उदकान स्नान करी दिव्यांबर स्वीकार करी
कस्तूरी मिश्रण केलेलें चंदन देहाक लायी
रत्नान केत्वीलें भांगार देहाक घाली
दूद तूप मिश्र केलेलीं पदार्थ स्वीकार कोरका
धूपदीप निरांजन अंगीकारु तूवें कोरका
एचोय तुजे चरणारी साष्टांगान नमन करता
श्रेष्ट तुजे हात आतां मेजे मस्तकारी दवोरका
माका जावंका मेगेल घरांतु नित्यवासु तुगेलो
आनीक शिष्टकालु सुखान वोचूका मेगेलो
कोटीन कोटी नमस्कारू ना कोण माका आधारू
मानस पूजन दयेन करी स्वीकारू



मंजेश्वर गोविंद पै (1883-1963)

मंजेश्वर गोविंद पै 23-3-1883 दिसा जन्मलो. बापूस तिम्मा पै आनी आवस देवकि. मंजेश्वर आनी मंगळूरांत शिकवण जावनु मद्रास क्रिश्चन कोळेजांत शिकलो. सानपण धरून नाटक, हरिकथा, यक्षगान इत्यादींत तान आशिल्ली. साबार भाषा आनी ज्योतिष, चरित्र, नक्षत्रशास्त्र आदींतूय प्रावीण्य आशिल्लें.

गोविंद पैली बायल कृष्णा बाय 1927 वर्षा निधन जाली आनी ताका लागून एक तराचें तपस्वी जीवन तांगेल्या वांट्याक आयलें. साबार वाचन, पठन आनी तशीच लेखन करीत आसलो. कन्नड भाषेक तांगेलें अनन्य योगदान आसून तांकां भांगरा पदक आनी राष्ट्रकविचें पद प्राप्त जालें. विशेष जावनु कन्नड साहित्याच्या काव्यरंगार ते प्रातः स्मरणीय जावनु आसाय कविता, खंडकाव्य, काव्यपरिभाषा आदींतुल्यान अमोलीक अंशदान.

कोंकणींत उणेच कविता, लेखन इत्यादी रचल्यां. TGSB सभेले 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेर 1924 वर्षा उणेच कविता आयल्यो. पुण त्यो ते प्रतिभेची गवाय दिवपी! मंगळूरचे 'कोंकणी दिर्वें' पत्रिकेचे विशेष अंकांतु टागोराले गीतांजलींतुलीं उणेच पदां कोंकणीन उतरायलीं. 'सारस्वत' हे पत्रिके खातीर कोंकणी जनांविशीं संशोधनात्मक लेख रचले. शेणै गोंयबाब हांगेल्या भगवद् गीता परिभाषेक (श्री भगवंतालें गीत) गोविंद पैन स्वतः अवतारिका बरयल्या.

ह्या महाकवील्या जन्म शताब्दीचे वेळार 1983 वर्षा केरळ कोंकणी अकादमीन 'श्रद्धांजली' म्हूण एक स्मरणिका पुस्तक उजवाडायल्यां. हांगा

संकलन केलेली गोविंद पैली 'आमचें गोमंत' ही कविता तांतूं आशिल्ली. गोविंद पैलेच दोनि संशोधनात्मक लेख ते स्मरणिकेंत आसाय.

1963 सितंबर 6 दिसा मंगळूरांत निधन जालो. कोंकणी भाषेची युक्त सेवा करूक पावलोना म्हूण तांकां खंत आशिल्ली. कोंकणी भाषेक आवस म्हणूच मानतालो.

कन्नड तशीच कोंकणींतूय प्रथम जावनु चतुष्पदिका (*Sonnet*) रचिल्ली हाणींच.

सारस्वत माता

● कल्याणी ● त्रिपटा

जय गे सरस्वती शारदे
चिरकल्याणी तव अभय कर दे (पल्लवी)
सूर्य मंडलांतुली सावित्री
वेद बल्लकीची तूंची गायत्री
मानस सृष्टीची तूंची विधात्री
पुण्यपयस्विनी कृपावारेधे
तूं हरिहरविधि शक्तिरूपिणी
भारती भुवनेशराणी वाणी
महालसे अमृतकलश पाणी
आयी गे तव करुणेचें क्षीर दे
पशुपक्षी कृमी कीड पतंगा
अंतरीं तूं तांचा स्वरगंगा

बल्लकी - वीणा, कनिनी - कृष्णमणी

मानवांली तूं मानसगंगा
सर्वजीव जीवन तूं वरदे
सारस्वतांली तूं कुल जननी
तूंची कवींली मनांची कनिनी
विद्या बुद्धि समृद्धि दायिनी
भक्तहृदय चातक नव नीरदे
बैस माने मम मन मोरारी
मम वचनांचा वाजी वीणेरी
मोय मिजा मननांचा माळेंरी
प्रेममयी मयि सद्धिचार दे

विसरलों

(चतुष्पदिका)
केदना मृत्यून जीवाचा नीढांतूं
निपयलें हें तांतें तें हांव नेण
आशेचीं पाकां फुलावनु उबचांतूं
तुका विसरलों, सोदीतां सुखा खाण!
भास मागूनु ओरडतना हांवे, मिजा
हातांतूं कोणि हो खिलखिलो घालो
तें नेण, तुजो विसरु पळ्ळो, ताजा
नादांतूं भाषेची मागणी ही भुल्लों !
हालनू हालनू हो खिलखिलो खुल्लो
काळकाचा पावलानी आयकता राती

आतां विसरु कळता! तुजें घेवनु नांव
दिता हे हृदयदोळ्यांतून उल्लो !
दोळे उघडी गा ! मिजेरी धांपनातीं
केदनाय तुजे दोळे- म्हण ! मागता हांव-

केदना

● मोहन ● आदि

तूं केदना येशी गा तें हांव नेण
तुजी वाट राकचें, हेंची जाण (पल्लवी)
तुजें तोंड दोळे भरी हांव चोवो
म्होण हो आशेचो लावनु दीवो
पावलां निल्कता हांव, तेल पुरेंना
वारें मारता, वाती हालता, तूं येना
विश्व वीणेंतून आयकून तुजें गान
मिजें हृदय तांतूं एक तान
जांवचाक वतना ताजेंत एकि तंती
तुंटून सुंटता ही मौनाची खंती
तुजा प्रीतीचा वालीवेलें हें पान
तुजा हासाचो गंधु घेवो मन
म्हणतना वयल्या पानाक फूल पांवता
पिकूक नातीलें ताजें हें पान बांवता
क्षणभरी बैसूं तुजा पायां ठायीं
म्हणतना ग्रहणांची देवली सायी
ग्रहण निसरतना अमासेची राती

हांव माकाची दिसनातीली भीती
ताटोरू तांबियो हो लागी घेवनू
तूं तान निवयता हांतूं पीवनू
सांग गा केदना हो पोवनाशी करशी?
केदना हो तुगेल्या भक्तीन भरशी?

भारत भाग्यविधाता

• असावेरी • त्रिपटा
भारतभाग्यविधाता - जय जय (पल्लवी)
जयजय दीनजनावन नाथा
अशुभत्राता चिरशुभ दाता (अनुपल्लवी)
तुजी भारतमूर्ती किति सुंदर!
फूल पान कणसां चित्रांबर
नदी नद माल्लें, पाळां पाडंग
विंध्या दाबी हिमा बाशिंग
तनुमनांची भुंयची अशांती
परतंत्रांली ही नीरव खंती
एकधरीं चोय अनेक भेद
आनी तुजे स्नेह शंखनाद
पूर्व पश्चिमां संगम स्थान
हें भारत तुका एक कंठान
मागता मनीं घेवनु तव चरणां
खंय प्रभो तुजीं करुणा किरणां
भारताचें सौभाग्य उदेवो
शांतीची जागृती जग भरि जावो

नवजीवनान ह्रदय फुलेवो
नरनारी तव महिमा गावो!
सर्व हि धर्मांक एक कुळार
हें भारत कोरो प्रेमाचें घर
स्वस्ति ध्वज हिजो तव नांवान
जगत् ऐक्याचें दीवो आह्वान
भारतावरी सकल भूंयीरि
एक भक्ती वोय आमचा अंतरीं
आमचा वरी सकल जनगणांरी
आमचा मनीं एकि प्रीती भरी
तांतांगेल्या देशीं तांकां तांकां
स्वराज्य दी गा सर्वांक आमकां
बंधुपणान आमकां एक तरी
भूंयीरी आनंदाची शेस भरी
आजि आमचें धन दुर्बलपण
कांय करूं तव चरणीं अर्पण?
घे आमचा आंसूची झंझरी
झणझणेवोती ह्यो तव पायांरी

आमचें गोमंत

आवय आमचें गोमंत - जय जय
धन्य धन्य तूं निरंत - जय जय
कीर्ती सदा तुजी दिगंत - जय जय
गावूं नांव तुजें महंत - जय जय
फूल पान न्हेसणांचे पांच - तुजे

लाटांच्या पांयजणांचे नांच
दूदसागाराचे मोतिया गांच
सह्य गिरीचे चोय किरीट ऊंच
भार्गवान जंय विंदलि कुडारि
थंय सून तूं खंय फुल्ली तटारी
भारतान तुका हांडीरि घेतली
रवि शशि किरणांनी शेंस ओतली
माधवान मागधाक धपेलो
मांगरीशु हांगा खंय लिपलो
भार्गवान खत हांगा धुल्ले खंय
धात ऋशींनि तप हांगा केलें खंय
यादु आसा मू तुका न्हयें अघाशी
व्हड व्हडील आमचे तुजा पाशी
उतरिल्लो तो पाटीलो शुभ्रदीसु
जंय सून आसूचो गोंयांत आवासू
आसूनी खंय खंय तरि आमी मायि
आमचीं ह्रदय सदा तुजे पायीं
तुजे न्हय गे हे आमचे हाड-मांस?
तुजि विना खंयचि आमची दूद-भास?
धर्म अगदीं सागरांत थोर
आमचा आमचांत जळोंवचाक वैर
तूं आमचें एकमात्र कुळार
खंय खंयचेय आमी गे गोंयकार

भार्गवु हांगाच मेकळो जालो खंय -

किरिस्तांव मुस्लीं आनी हिंदू
तुज्या मोगांत आमी सर्वय बंधू
एक तो देव आमचो जन्मदाता
तूंचि एकि अपूरबायेची माता
भौ मोगाची चिंतूप तूं बावलि
तूं भूंय वयलि सरगाची सावलि
म्हाळशे मिजें अमृत घेवन येय गे
तनु मन भर नव जीण पियेय गे
आवय मोगाळे विसरू नाका माका
आमकां गोंयपण विसरू सोणक्का
तुजांत आमचो जन्मु जन्मु जांव
लिखय उरो मांय तुजें पवित्र नांव.

(कोंकणी महापुरुष शणै गोंयबाब हांगेलें भगवद्गीता भाषांतर 'श्रीभगवंतालें गीत' ह्या पुस्तकाक मंजेश्वर गोविंद पैन बरयलेले प्रस्तावननेंत थाकून हो एकु सानु वांटो, नमूनो)

हिंवाळ्यांतु कितले कि जंतू न्हिदोन पडतात आनी गिमांत पुना सशक्त जागे जातात खंय. तशीच आतां जागेल्या आमची कोंकणी. कोंकणी ही तिजी भयण भास जी मराठी हिचेपरस कितलि फाटली म्हणु शासनांत मराठीकय कितले की पूर्वांसून थंय थंय दिश्टी पडचे कोंकणी शब्दांसूनय कळता. तशेंच ईसवी 1290-त रचन जाल्ल्या मराठीचें आद्यकाव्य म्हणोन घेंवच्या श्री ज्ञानेश्वरींत वापरल्या कितले कि कोंकणी शब्दांसूनय समजता इत्यादि. जाल्यार आदले कान कशें मागल्या शिंगांत निपून वेतात, तशें वेळु मुकार सरतां आमची कोंकणी मागशीं मागशीं पडली आनी दीसु

सांजेतांच उजवाडु कशें घरघरच्या दिव्यांत मात रावता, तशें ती उलवणेंत मात उरली. शिवाय माका तम अशें दिसता कि ती साहित्यांत अद्याप पावली ना- न्हय, न्हय, पयरचे पयर थांय ती पावनी आशिल्ली! पणून थोडेच वर्सां फाटीं जेदना शणै गोंयबाबांनी तांची कोंकणीची ती वज्रलेखणी हातांत उबारली, घे! तेदना सुटली कोंकणीची ती शेंकडे लांब साडे साती, फाटीं सरले तिजे ते हिंवाळ्याचे दीस आनी तांच्या फाटो फाटीं तिज्यांत फुलेवंचाक लागलो आतांचो हो नवो वसंतु!

हेंच दुसरे भाशेन सांगूं जाल्यार, म्हाका आस्त आसा कि आमचे शणै गोंयबाब हे कोंकणी भाशेक वयर काडपी 'म्हा आचार्य' मात न्हय, ते आतांचे बरपी कोंकणीचे - कोंकणी साहित्याचे- बापूय व्हय. हें चूक आसों ना आसों, पणून हें तम म्हजें थीर मत. तांची कोंकणी म्हळ्यार आमचें कुळार- गोंयची निप्पट दूदभास, तिजें नितळ दूद. म्हज्या कोंकणींत जाल्यार परक्या दूदकारन्यांलें दूद जायतें मेळनु ती भौ उदकळ जाल्या. देखून म्हजे कोंकणीक आनी तांचे कोंकणीक रात-फालें. अशें जाण जावनूय हांव तांच्या गीतेक खंयच्या हातान प्रस्तावन बरोवं? नज, तांच्या ह्या भांगराच्या सोराक म्हजो पितळीचो आंकडो लागोवच्याक नज म्हणु म्हजें मन दचकून एक दोन फावटीं मागसार-मुखार जूंय घेवपाक लागलें खरेंच. परंत तेदना म्हज्या उगडासाक आयली श्रीरामान सेतु बांदयतना ल्हानशे एक चानियेन आंब्याचो एकु सुको कातो हाण्णु तांतूंत घालपाची सेवा केली म्हणून, म्हज्या भुरगेपणांत आयकिल्ली एकि काणि. सै म्हाका देवु पावलो म्हळें आनी देखून, हें कोंकणी गीतादेवीचें मंदिर उकतें करतना म्हजीं हीं चार आबोलीं हूंबरारि दवरतां...

(तारिक 5-11-1955 मंजेश्वर, म्हणु बरयलेले प्रस्तावनेचो हो एक वांटो)

द्रौपदी बाय (1885-1976)

कोची श्री. अनंत भट आनी बायक्का दंपतीली धूव जावनु 1885 वर्षा श्रीमती द्रौपदी बाय जन्मली. तिगेलो बापूस कोची देवस्थानाचो सेवक आशिल्लो आनी आवस 'फिडिल' संगीतज्ञा आशिल्ली. तिगेलो बामूण श्री. नारायण पै एक व्यापारी आशिल्लो आनी तांकां चौग जाण पूत तशीच दोग जाण धुवो आशिल्यो. सान प्राय धरूनूच द्रौपदी बायेक गीत-संगीताची तान, आनी तिका बामणालें प्रोत्साहनय मेळ्ळें. 1951 वर्षा तिगेल्यो गीतकृती एक्कडे करून श्री. नारायण पैन पुस्तक प्रकाशित केलें- 'गुरुभक्ति आनीक वेंकटकल्याण'. तांतूं गुरुभक्ति, गुरुप्रतिष्टा, कृष्णचरित, हनुमंत वैभव, वेंकटेश माहात्म्य, वेंकट कल्याण आनी साबार स्तुती आशिल्यो. 1952 वर्षा नारायण पै निधन जालो आनी 1976 वर्षा श्रीमती द्रौपदी बाय निधन जाली. 1994 वर्षा तिगेल्यो कृती 'कोंकण भाषा स्तुती गीतांजली' म्हूण पुनः प्रकाशित जाल्यो. ताजी संपादिका श्रीमती विमला कामत आनी प्रकाशक श्री एन रंग पै.

भागवत अथवा कृष्णचरित

- असावरी

वसुदेवा वंशांतु देवकीचे कुशींतु
अवतारु घेतलो बालकृष्ण, हरे कृष्णा
आकाश पाताळ आडोळनु राबीला विष्णु
वासुदेवान स्तुति कोरनु, कृष्णान उपदेश दीवनु
जावनु पळ्ळो बालकृष्ण, हरे कृष्णा
मनांतु संतोषु पावनु.

सोळा घडी रात्री आयली, पावसाची वेस्ती जाली
कवडाची खीळी गेली, हरे कृष्णा
असुरांक नीद पळ्ळी.
बालकृष्णाक खोट्यां काळ्ळो
मस्तकारी धारण केलो
वचाक भायर सरलो, हरे कृष्णा
शेषु सात्तें धोरतल्लो जालो.
तारण करूक आसा नदी
खवदळेता यमुना नदी
कृष्णा दर्शन घेवंची भक्ति, हरे कृष्णा
हांव पुनीत जाली.
नदी तारण केली, यशोदेक नीद पळ्ळी
लागी निदायलो मूर्ती, जगत्पती
खोट्यांतु काळ्ळी शक्ती.
शक्तीक खोट्यांतू काळ्ळी
नदी तारण केली
देवकेचे लागी निदायली, हरे कृष्णा
कवडाची खीळी पळ्ळी.
चेरडान घाली बोब
असुराली गेली नीद
कंसाक दिले विवर, हरे कृष्णा
चोयाय कंसालें येवप.
कंसु येवनु चेरडा चोयता
पायाक धोरनु ओडीता

माका इत्या मारू वता, हरे कृष्णा
गोकुळा बाळू वाडूनु येता.
कंसाले मात्या लागोलो विचारु
चेरडुवांक हाडू बळयलो अक्रूरु
मावळ्याले घराकडे धनुर्यागु, हरे कृष्णा
स्तुति कोरनु अक्रूरु.
अक्रूरु पावलो गोकुळांतु
मावळ्याले घराकडे धनुर्यागु
कृष्णान तयार केलो रथु, हरे कृष्णा
कृष्णाले मनांतु होडु संतोषु.
कृष्णु समेत रथारी चोळ्ळो
यमुना नदी तीरारी पावलो
विराट स्वरूप देकतलो जालो, हरे कृष्णा
मेगेलो जन्मु कृतार्थ जालो.
रथु धांवता मथुरापुरी
कृष्णु देंवता रथवीथीं
भक्त सगटय करताय आरती, हरे कृष्णा
कृष्णु चंवकता रथवीथीं.
कसलीं योग्य चेरडूवं
दुष्टा हातां पडतलीं आतां
अशी सगटय म्हणतायी भक्त, हरे कृष्णा
तूवें कोरका रक्षण
दुष्टसंहारु कोरचो, सज्जन पालन कोरचो
कुब्जेक मोक्षु दिलोलो, हरे कृष्णा

मेगेलो जन्मु सफल जालो
कंसाले गृहांतु पावलो
धनुष कुटिके केलें
मल्लां लागी युद्ध केलें, हरे कृष्णा
कंसमर्दन केलें.
आबोक दिकूक गेलो, राज्यभारू आबोक दिलो
आवसु बापूस लागी पावलीं, हरे कृष्णा
तांकांय संतोषु जालो.
जेलां थाकून सोळ्ळी
दावे हातान आरती दाकयली
ना पुता भुजा शक्ति, हरे कृष्णा
तूवें मावळ्या दिली मुक्ति.
स गर्भ हरण केलोलो
सातवो गर्भ बलरामु जालो
आटवो अवतारु हांवें घेतलो, हरे कृष्णा
दुष्टांक सगटांक संहारु केलो.
अवतारु घेतोल्लो दीसु
वर्षाक एकु दीसु, हांव तुका चोयता तेद्दूस
देवकी आवसू, माका आसा भांवडांचो शोकु.
कृष्णजन्म वर्णन करताय आमी पठन
क्षमा पांवनु कोरका रक्षण, हरे कृष्णा
तुगेले चरणारी दवरय मन.

सुंदरकांड अथवा हनुमंत वैभव

- हिंदुस्थानी बिहाग

हनुमंत गेलो सीते सोदूक
रामचंद्रान दिल्ली मुद्दी
समुद्र लंघन कोरनु
हनुमंत पावलो लंकेरी.
घेता सीते सुद्धी
दिकीली मंडोदरी
पावलो अशोक वृक्षारी
बेसून चोयता चारी दिकारी.
रामदूतु बेसला रुकारी
यो सामकी मेजे मुकारी
पांय पोणु राबला मुकारी
स्तुति करता भक्तीरी.
सीता उलयता दूतालागी
दिरबांकुरा मूळ मुकारी
तोडोवु इतें, व्होरका धारारी
मुद्दी दवरली सीते हातारी.
रामान इतें सांगलें तुजेलागी
चूडामणी दवरली हातारी
तोडोव नाका वच धारारी
विवोरु सांगूका रामा लागी.
लागली आवसू भूक माका

भूंय पळ्ळेलीं फळं खांवका
मर्कड स्वभाव काडूनाका
आयलोलो विवोरु कोळोवनाका.
वना बळयलो दूताक
नाशु हाळ्ळो वनांक
रावणान बळयले सैन्यांक
धोरनु हाडाय वानराक.
बल्लान केलें सिंहासन
बेसोलो रावणाचे सम
सीते हाळ्ळेलें तुगेलें आयपण
रामा पासून तुका मरण.
नाशु हाडाय वानराक
ना सम्मत विभीषणाक
न्यायु ना वानरा मारूक
ऊणत्व हाडाय बल्लाक.
उजो लायलो बल्लाक
नाशु हाळ्ळो लंकेक
रक्षण केलो विभीषणाक
रामचंद्र भक्ताक.
समुद्रांतु बुडयलें बाल
समुद्राचें राबीलें पाळ
हनुमंतान वाड्डयलें बाल
बलिष्ट यें वानर.
यात्रा सांगूनु भायर सरलो

समुद्र उल्लंघन जालो
दिक्कीलि स्वामी सीता माया
तोडोवु नाका वचून हाडाय.
वानर समेत घल्ला सेतु
रामान केलो रावण वधु
सीते हाळ्ळोलो संतोषु
रामाक केलो पट्टाभिषेकु.
आमगेलें कारण दुरलभान
हनुमंतान केलीं श्रद्धेन
वानराचेरी आशिल्ले भक्तीन
रामान दिलें पंतीभोजन
राम राम राम सीता राम राम राम हरे

(दुशेरी दुशेरी भजन कोरका)

गोश्रीपुर वेंकटेश माहात्म्य स्तुति

● शहाना
वेंकटेश ईश्वरा, दवरी आमचेरी दया
तूं नंतना कोण सहाया - वेंकटेश-
तूं म्होळ्ळोलो स्वयं भू मूर्ती
जावनु आयली असली स्थिति
तूं नंतना नामू गति
दाकय आमकां चांगि गति - वेंकटेश-
तूं म्होळ्ळोलो दयावंतु
दुद्दापायसांत पोळ्ळो सरपू

तूवें घालेयले चारी गोपुर
तूं होड रक्षणवंतु - वेंकटेश-
दर्शनाक आयलो रायु
प्रसादांतु दिकीलो आगोळू
तूवें रायाक दाकयलो केसू
राया दृष्टीक आयलो दोषू - वेंकटेश-
हरि शेणैक सांगली कोर्ट विधि
तुजे मुकारि केली स्तुती
लागी बळयली हनुमंता मूर्ती
कदेलारी थाकून पोळ्ळो जड्जी - वेंकटेश-
अशी सर्वय केलोलो तूं स्वामी
तुगेलें स्मरण करताय आमी
तूं नंतना ना मू गती
दवरी आमचेरी पूर्णदृष्टी - वेंकटेश-
मस्तकारि वज्रकिरीट
दोनि हातां शंख चक्र
सुंदरवंत तुगेलें मुख
दवरि आमचेरी पूर्ण कटाक्ष - वेंकटेश-
तूं म्होळ्ळोलो इच्छादातारू
क्षमा पांवका केलोलो अपराधू
तूं महालक्ष्मी भर्तारू
भक्तीन करताय नमस्कारू - वेंकटेश-
आमी करताय तुगेलें नमन
दुर्लभ तुगेलें वर्णन

करि आमकां चांगपण
आमकां सदां तुगेलें ध्यान - वेंकटेश-

पंडरीनाथ स्तुति

● रेवगुप्ती उदय रागु
कृष्णान धरलो कपठी वेषु
आतां जाला पंडरी नाथु
पुण्य स्थलारी केलो वासु
संतसंघाक दिता मोक्षु
पुंडलीकाली समाधी
चंद्रभागे नदी तीरारी
चंद्रभागेंत कराय स्नान
हरि स्मरणान घेयाय दर्शन
प्रातस्कालाक अखंड आरती
दया दृष्टीन भक्ता चोंवची
भक्ताक दिता आलिंगन
दर्शन घेवनु वता जन
दर्शन घेवनु वता जन
तुगेले चरणारी दवरोय मन

दैव स्मरण

नाम तुगेलें ध्यान, देवा- नाम-
तूं नंतना गति कोण
तूंचि कोरका रक्षण, देवा- नाम-

येता तुजी शरण
करता तुजी स्मरण
तूवें कोरचें तूंचि जाण, देवा- नाम-
घर दार बंधु बाळ
सर्वय मायेचे खेळ
तूवें कोरका जन्मु सफल, देवा- नाम-
नेणतना केलें बल्लावपण
भोगून गेलें यौवनपण
आतां जालें वार्धक्यपण, देवा
केलेंना तुगेलें स्मरण - नाम
हृदयांतु तुगेलो वासु
स्मरण करि मनांतु
चड ऊणे क्षमा पावनू, देवा
मन दवरय चरणकमलांतू- नाम-

ए. डी. हरि शर्मा (1893-1972)

अंजलप्परम्बु दामोदर शेणै, लक्ष्मीबाय दंपतीचो पूत जावनु 23-8-1893 दिसा पळ्ळिप्पुरम् गांवांत जन्म. 'शास्त्री' 'पंडित' 'विद्धान' आदीं सुमार बिरुदां घेतलीं. 19 वर्सां थाकून अध्यापनवृत्तींत आशिल्लो. सर्कार उद्योग सोडून समुदायाचे शाळेंत काम केलें. 1946 वर्ष थाकून 1957 पर्यंत एरणाकुळम आल्बर्ट कोळेजांत काम. रोयल एष्याटिक सोसायटी (लंडन) हाचो अंग. साबार पुस्तक रचिले. होड होड पुस्तकांक पंडितोचित आमुखां रचिलीं (उदाः गुंडर्ट मलयाळ व्याकरण SPCS प्रसिद्धीकरण) साबार कडेचान सन्मान प्राप्त केले - सुवर्ण कीर्तिमुद्रा मेळ्ळ्या जशी - साहित्य निपुणा, साहित्य कुशलन, साहित्य कलानिधि, साहित्य भूषणम्, विद्या विभूषण, साहित्य रत्न. बायलेलें नांव देवी. कोंकणी साहित्य रंगार चड जाणांनी वळखुचो आर. सी. शर्मा हो हांगेलो धाकलो भाव. 'समस्त केरळ साहित्य परिषत्' हे संस्थेचो संस्थापक जावनु आसा. जे मासिकेचे वाटेन केरळांतुले कोंकणी भाषा साहित्य रंगाचेर नवजागरण आयलें, ते 'सारस्वतबोधिनीचे' हे 1923 धरून प्रथम दोनि वर्षांक संपादक - संचालक आशिल्ले. 12-9-1972 दिसा निधन जाले. 'गानांजली' हे पुस्तकांत हांची कोंकणी रचना आयल्या.

गीत

। 1 । मीनाक्षी रमणा - यी रीति

पल्लवी

गोपालबाला माका सोणक्का कृष्णा -

अनुपल्लवी

हांव तुजो भक्तु मू - तुका विसरना मू
तुगेलीं चरणपत्म दोनि विना
अन्य शरण माका ना मू (गोपाल-)
चरण
अनाथ बंधू मू तूं- भक्तवत्सलु मू तूं
दीनदीनपरिपालन लोलुप
वासुदेव परिपालय पालय (गोपाल-)
रातीदीसु तुजी स्तुती- विना माका ना मू गति
हांव तुजें ध्यान करतां
तूं इत्या माका विसरता (गोपाल-)

। 2 । वंची भूमिपन जयिक्का - यी रीति

पल्लवी
राम राम राक माका भक्तदासा - हांव
पावलां तुजी सेवा करता रात्री दिवस - श्रीराम-
चरण
ध्यान तुजें पतितांक उद्धार करता - तुजीं
पादपत्म शिलातला जीव दिता- दिव्य
नाम जपान व्याधुतरी मुक्ति पांवता- नित्य
दासु जावनास्सील्या माका विर्सतित्या तूं - श्रीराम-
लक्ष्मी तुजी सेवा कोरची नित्यदासी - विद्या
देवी तुजे नाभीपत्मा दासदासी - सर्व
काळीं चोयल्यारी देव, तूं भक्तदासु - तुजी
भक्तिविना नरजन्मु कालपाशु रे - श्री राम -

जीब मिजी तुजें नांव उच्चार करो - मिजे
कान तुजे चरितामृतान भोरो - तुजे
रूपामृत पीवनु दोळ्यां पाप मोरो - अशी
दासु जावनास्सील्या मिजो जन्मु सोरो रे - श्री राम-

। 3 । बाल पालनलोला - यी रीति

नाका माका सोणक्का तूं विसोरनाका
तुगेले मामा तूवें संहार केलो
काळीयसर्पाक अनुग्रह दिलो
दुष्टशिक्षा धर्मु रक्षण केलो
भक्तदासु म्होण सर्व लोकां कीर्ती पावलोलो जालो- नाका-
पंचवर्षा चेरडाक तूं मोक्ष दिलो
चंडाल तरी नित्य पुनीतु जालो
अजामिळु तुका शरण पावलो
ज्ञानहीनु मिजो जन्मु तूवें सोडल्यार व्यर्थु जालो-नाका-
गर्विष्टांक तूवें केलो संहारू
कुचेलु तुजे पासून जालो कुबेरू
भक्तांक रक्षण कोरचो तुगेलो भारू
धायतो जन्मु घेवनु तूवें नाश केलो भूमी भारू- नाका-

। 4 । कमास । रूपक

● सुजनजीवन - यी रीति

शरण पांव तूं देवा दीनरक्षका - गोपाल
भक्तवत्सला कृष्णा मुक्तिदायका

लोकपालका गोपबालका संसारतारका- गोपाल
दुष्टशिक्षक कृष्णा शिष्टरक्षका
यदुनंदना श्रितचंदना गोपिकानंदना- गोपाल
माका विसोरनाका, तुजें दर्शन दी माका
दीनबांधवु तूं माका सोणक्का
हांवे सोण्णा तुका - गोपाल



के. पत्मनाभ भट (1890-1953)

चेराय कृष्ण भट हांचो पूत. कोडुंगल्लूर गांवांत वसति करतालो. 'वेदमूर्ती' 'साहित्यरत्न' 'पौराणिक तिलक' इत्यादी साबार बिरुदां, बहुमती तान्नी जोडलीं. संस्कृत, मलयाळम्, वैदिकविषय, ज्योतिष, आलयविधि आदी साबार विषयांत विद्वान आशिल्लो. कोंकणींत 'ध्रुवचरित' 'प्रह्लादचरित' आदी हरिकथा रचल्यो आनी होड सभेंचेर त्यो प्रस्तुत केल्यो. 'श्री सत्यनारायण व्रतकथा' पद्यान कोंकणींतूय, गद्यान मलयाळमांतूय रचल्या. कोंकणी दशावतार स्तोत्र, श्रीकृष्ण मातृकाक्षरमाला, आदीय रचलीं. थोडीं कीर्तनांय कोंकणींत हांचीं जावनु आसाय.

रायांल्या, आमच्या गुरुवर्यांल्या सभेंत हांकां भोवमानाचें स्थान आशिल्लें. संस्कृताचो द्विभाषी, निमिषकवि अशी विख्यात आशिल्लो.

श्री दशावतार स्तोत्र

देव देवोत्तमा राक माका हरे
देवकी पुत्रु जावनु दानवांक मारलेल्या
दीनपांथात् कृपाघरमुनित्यंतू
दुख बंधां थाकून नित्य मुक्त करी -
मत्स्यु जावनु तूं कृष्ण वेद उद्धारले मू
कूर्मु जावनु फाटीर मंदरु धोरलो मू
सूकर रूप धोरनु भूमि उद्धारली ती
नित्य पांवका माका केसरी जालेल्या-
गर्व भरलेले बलीलें राज्यसिंहासन
वामनरूप धोरनु केलें विध्वंसन

भार्गवु रामु जावनु क्षत्रियां मर्द्दन
केलेल्या तूं कृष्णा नित्य राक माका-
रामु जावनु रावणध्वंसन केलेल्या
रामनाम फल शंकराक दिलेल्या
वायु पुत्रादि भक्तानी वंदिल्या हे
रामचंद्रा नमस्कारू करतां तुका-
देवकी तुगेली आवसु मू श्रीपते
शूरपुत्रु तुगेलो जालो मू बापूसु
पूर्वपुण्य फलान पुत्रु जावनु तांगेलो
तांकां सोणु गोकुलांतु वचूनु वाड्डलो-
नंदपुत्रु म्हूण सर्व लोकां तुगेली
कीर्ती भरली कृष्णा, काळीया मारलेल्या
काळमेघा समान काळ देहा पासून
कृष्ण नांव तुगेलें सार्थक जालें मू
बुद्धरूप धोरनु बुद्धि नातीले जनांक
बोध चित्तांतु केलो तूंचि कृष्ण हरे
कल्कि जावनु कल्मष ध्वंसन करतोलो
तुजे पादांचेरि भक्ति दीवंका माका
संस्तव सज्जनाले चांगपणा केलेलें
सत्यरूपी हरिचरण पंकजांरी
सादरात् अर्पिलें स्तोत्ररत्न हांवें
तुष्टि पांवो हरि कंस वैरी सदा-

श्री सत्यनारायण व्रतकथा

(ॐ नमः गणपतीं - ही रीति)

सत्यनारायण व्रतकथा चरित्र

पुण्यकथा भरित आनंद विचित्र
पाठ ध्यान श्रवण मनांक पवित्र
ऐक्य भावे पूजन आत्ममुक्ति पात्र-
भारतखंडा मद्दें पुण्य तपोवन
नैमिषारण्य नाम प्रसिद्ध कानन
शौनक आदी मुनिजनांचें आस्थान
ते सर्वय थांगा बेसून करताय हरि ध्यान
त्या वनीं पावलो सूतु पुराणिकु श्रेष्टु
विष्णु पादचरण भक्तांतु वरिष्टु
सर्व मुनि जनानीं केलो ताका हृष्टु
प्रश्न करतोलो जालो तो शौनकश्रेष्टु-
सर्वव्रतांतु श्रेष्ट कोण व्रत स्वामी
दुखसागरां मद्दें मग्न जाले आमी
संकटहर कृत्य सांगून दीवंका तुमी
ताजान सर्व जन जावंका मोक्षगामी-
शौनकप्रश्न आयकून सांगून दिता सूतु
पुराणकथा आयकयता विष्णुभक्तु
सत्यनारायण देवु सर्व समर्थु
तागेलें व्रत केल्यारी जाता जन्मु मुक्तु-
नारदमुनी पूर्वी चोवदाय लोकांतु भोवनू
भूलोकीं पापयुत जनांक देकूनू
दारिद्र दुःख रोगग्रस्त जालेले चोवनू
तांका उद्धारु कोरचो विचारु दिसूनू-
सर्व देवाधिदेवु श्रेष्टु महाविष्णु
भक्तांचे अपराध सर्वय सहिष्णु

तागेले दर्शनाशीं नारदु गविष्णु
दर्शन घेवनु देवा पादपत्मारि पोणु-
आदि देवा तूं लोकसृष्टी पुष्टि कोरचो
मत्स्यादिरूप धोरनु भक्तजनां पांवचो
दुःख नाशन कोरनु सर्व सुखय दिंवचो
हांव तुगेले पादचरणारि लांबूचो-
स्तुति आयकून देवु सत्यनारायणु
नारदा उटकरावनु लागी बेसोवनु
भक्ताग्रगण्या तुका इतें जावंका म्होणु
प्रश्न करतोलो जालो देवु महाविष्णु-
सर्व सुभिक्ष माका तुगेले दयेन
भूमीरि जन सर्वय अस्सति दुखान
त्यांचे विमोचन सांग संगोचान
पावन जावंचे कृत्यविधि अनुष्टान-
नारदा प्रार्थना आयकूनु तो भगवंतु
सुभिक्ष जावंका म्होणु सर्व जगत्वांतु
सत्यनारायण हांव होडु सर्व वेदांतु
तागेलें व्रत कोरचें उत्तम सर्वांतु-
सूर्योदयकालीं संकल्प श्नान कोरनु
नंतर ताम्रकलशु शुद्धोदकान भोरनु
अष्टगंधादि द्रव्य कलशांतु घालनु
तांबीडें पट्या वस्त्र वेष्टणय कोरनु-
पूर्ण कलशु शुद्धस्थलारि दोवोरनु
क्षीण निवारणार्थ फलाहारु खावनु
कदळी अम्र पल्लवा अलंकारु कोरनु

मांटपु कोरनु पिटियेन बोरोवनु-
सूर्योस्तमय कालीं पूजारंभु कोरका
पंचामृत चंपेला अभिषेकूय कोरका
तुळसी पुष्प सहित मंत्रोच्चारु कोरका
षोढश उपचार पूजनय कोरका-
सपादि निवेदु सर्वांतूय प्रधानु
सवाय मात्रे सर्व द्रव्यय मेळोवनु
पाचन कोरनु तो देवाक समर्पूनु
भक्ति भावे सन्निधीर आरति दाकोवनु-
प्रदक्षिणा समेत नमस्कारु घालनु
मनो वांछित साध्य प्रार्थनाय कोरनु
सर्व अपराधय क्षमापन कोरनु
सत्यदेवाक मनांतु स्मरणय कोरनु-
केलेलें पूजन त्यासीं अर्पण कोरचें
नित्यय सत्यनारायण ध्यान घेवंचें
तें ध्यान अंत्यकालीं आत्ममुक्ति दिवंचें
पुनर्जन्मु नातील्लें म्होण जाण जावंचें-
बंधुवर्ग समेत तत् कथा श्रावण
कोरका ब्राह्मणमुखे मनांतु धारण
अंतीं मंगळारती देवा समर्पण
अंती पूजा समापन श्रेष्ट कारण-
अर्चकासीं दानदक्षिणाय दीवनु
ब्राह्मणाशीर्वचन स्वीकरण कोरनु
तीर्थ निवेद्य सर्व जनांकय वांटूनु
अंतीं आपण्यानय निवेद्यादि भक्षण कोरनु-

सत्यनारायण महिमा ध्यान कोरनु
नित्यय देवाचें नांव स्मरण घेवनु
धनाचो अहंकारु दूरय कोरनु
रक्षकु देवु एकमात्र तूं जावनु-
गोवा कोणो कदलीफल पंचदार
गायचें दूद तूपय द्रव्य सर्वसार
सपाद निवेद्याचें साधन प्रकार
सवाय मात्रेन मिश्रण कार्यसार-
गोवु नातील्ले कालीं उत्तम तांदूळ
पंचदारे अभावीं गोड सुविमल
या प्रकारीं सपाद अर्पण सुफल
सपाद विना पूजन सर्व निष्फल-
जाण जा नारदा तूं हाजें परमार्थ
सर्व मनोकामना साधन समर्थ
प्राशन मात्रान कलशांतुलें तीर्थ
प्राप्त जालोलो जाता श्रेष्ट पुरुषार्थ-
सत्यनारायण व्रत अति पावन
दारिद्र रोग दुःख संकट नाशन
अंत्यकालीं प्राणाचे मुक्तीक साधन
इहपर दोनीय लोकीं नित्य सुशोभन-
भक्ति श्रद्धायुत व्रत कोरका मनान
कलियुगीं सर्व व्रता मद्दें हेंचि सान
नारद प्रति उपदेशु श्रीविष्णून
आयकाय शौनकादि मुनी हें भक्तीन-

तुमीय आचरण कराय हें व्रत
शीघ्रप्रास्त जावूंयेता सर्व अभिमत
कल्पयलें विष्णूनचि विधि सहित
जन्मसाफल्य मेळचें संशयरहित-

● दुशेरो भागु

काशीपुरीं वासु कोरचो एकु ब्राह्मणु
नांवान जाण जाले शतानंदु म्होणु
दारिद्रहेतुस्तव नित्य भिक्षा काणु
दीसु काडतालो जालो संकष्टांतु पोणु-
एक दिसा दुखान मार्गारि राबीलो
त्या वेळीं एक वृद्धब्राह्मणा दिकीलो
शतानंदु वृद्धाचे पायांचेरि पडलो
व्रत कोरचो उपायु वृद्धान सांगीलो-
मागून मेळळेले धनान व्रत केलें
शतानंदाक देवान ऐश्वर्य दिलें
देवा अनुग्रहान सर्व दुखय गेलें
मासीं मासीं विप्रान व्रत आचारिलें-
काष्ट विकूचो वाणी विप्राथंय आयलो
काष्टाचो भारु बहिर भागांतू दोवोरलो
ब्राह्मणा लागी येवनु नमस्कारु केलो
ब्राह्मणान ताका व्रता उपदेशु दिलो-
दारिद्रहर व्रत प्रभावु आयकूनू
काष्टविक्रेता वाणी मन हर्ष जावनू

काष्टमूल्य धनान व्रत कोरचें जावनू
काष्टभारु शिरस्वारी धारण कोरनू-
काष्ट विकूनु वाणी व्रत करतोलो जालो
सत्यनारायण देवु प्रसन्न जालो
काष्टक्रेता शीघ्र ऐश्वर्यवंतु जालो
सर्वैश्वर्य भोगून अंतीं मोक्षु पावलो-
उल्कामुखाख्य रायु संतती नातीलो
गंगानदी तीरीं व्रत करतोलो जालो
त्या वेळीं साधु नाम वाणी थंय पावलो
व्रत प्रभावु आयकून हर्षवंतु जालो-
रायाचे मुखीं व्रत उपदेशु घेवनु
देवस्मरण कोरनू स्वग्रामांतु येवनू
बायल लीलावतीक संतोषान चोवनू
संतान प्राप्ती व्रत प्रभावु सांगूनू-
कोण कालीं देवु आमकां दिता संतती
त्या कालीं सत्यव्रत करतां देवप्रीती
मनांतू ह्रष्ट जाली साध्वी लीलावती
देवान स्वीकारली प्रार्थना विनंती-
शुद्धसंकल्प प्रभावान लीलावती
प्राप्त जातली जाली योग्य गर्भवती
दशममासीं ती जाली सुख प्रसूती
कन्यारत्न देवान दिली मू संतती-
कन्यारत्न चोंवचाक अति शोभवती
नामकरण केलें तिका कलावती

भर्ताराक सांगता बायल लीलावती
व्रतान कोरका आमकां सत्यदेव प्रीती-
धृति इत्याक करता भार्या लीलावती
कन्या विवाहकालीं कोरूं देवप्रीती
धिकारू जावनु सत्यदेवाशीं विरक्ति
विवाह योग्य जाली कन्या कलावती-
श्रीमंत सावकाराशीं कन्योद्वाहु केलो
बंधुबांधवु विवाही एकत्र जालो
जेवणखाण वाद्य नाट्याघोषु जालो
वैश्यु सत्यदेवाक मनांतूं विसरलो-
जामाता सहित साधु तारुवारी चोणू
देशांतरीं होडु व्यापारु कोरका म्होणू
चंद्रकेतूले राज्यांतु तारूं लागोवनू
मध्यरात्री समयीं त्या राज्यांतु पावनू-
जामाता साधू दोगांय निद्रावंत जाले
चंद्रकेतु रायाले दूत थांगा पावले
चोरान फारलेलें धन तारुवारी देकीलें
दोगांकय बंधन कोरनू राया मुकारि व्हेले-
द्वादश वर्षांक तुरुंग आज्ञा जाली
देवाक धिकारु केलेली शिक्षा मेळ्ळी
बायल धूव दोगांय भिकारीणि जालीं
घराघरीं भीक मागूनु दीसु काडचीं जालीं-
भिक्षाडन उद्देशीं कलावती गेली
सत्यव्रत कोरचे ब्राह्मणाथंय पावली

पोरतूनु घरकडे पावंचाक मध्यरात्री जाली
तोडोवाचें कारण सांगतली जाली-
लीलावतीक व्रत कोरूक दिसलें
भर्तृ जामातरानी पावंचें संकल्पीलें
चंद्रकेतु रायान स्वप्न दिकीलें
वैश्य निरपराधी म्होणु रायाक कळ्ळें-
कारागृहांतु थाकून वैश्यु मुक्तु जालो
रायान ताका होडु संतोषु पावयलो
वैश्यु गांवांतु येवंचाक भायर सरलो
परीक्षणार्थ देवु ते स्थलारि पावलो-
सत्यनारायणु भिक्षु स्वरूप धोरनु
निमगीलें तुमगेले तारुवारी इतें म्होणू
केवल वालि पाल्ले मात्र आसा म्होणू
धिकार सहित वाक्य श्रवण कोरनू-
तथास्तु म्होणु सांगूनु भिक्षु भायर सरलो
वालि पाल्ले देकूनु साधु मूर्छा पावलो
भिक्षु कोण म्होणु कोळ्ळूनातीलो जालो
इत्तें कोरूका म्होणु भ्रमांचेरी पडलो-
जामाता वैश्य दोगांय भिक्षूक सोदून गेले
नदी तटीं भिक्षु दर्शन प्राप्त जालें
ताजे पायारी क्षमा याचनय केलें
भिक्षून तांकां वरदान समर्पिलें-
अनुग्रहु घेवनु साधू तारुवा लागी आयलो
तारूं धनपूर्ण देकूनु हर्षवंतु जालो

सत्यदेवाचें पूजन करतोलो जालो
गांवां पावंचे संतोषान भायर सरलो-
स्वग्राम भागीं वैश्य तारूं घेवनु पावलो
विवरु कोळोंवचाक दूताक बळयलो
लीलावती मनांतु होडु हर्षु जालो
तीणे सत्यपूजन कोरचो निश्चयु केलो-
माता कन्या दोगांय पूजा करतलीं जालीं
कन्या कलावती पूजा मार्गु विसरली
भर्ताराक चोंवचाक नदी तीरारि गेली
भर्तारु तारूं सहित बुडोलो चोयली-
भर्तृनाशनान बोध मूर्छिता जाली
कन्या कलावती जीवन मरण पावली
साधून देवाची आराधनाय केली
आकाशांतु त्या वेळीं अशरीरि जाली-
साधो, कलावतीन मेगेलें पूजन कोरनु
उत्तम प्रसादु ते स्थलाचेरी सोणु
भर्ताराक चोंवचाक आयल्या तुगेली धूव म्होणु
हांवें अदृश्य केला तुमकां सर्वय सोणू-
तीणे घरकडे आतां दुशेरीय पावनु
प्रसादु भक्तीन स्वीकरणय कोरनु
येतली जाल्यारी तीणे भर्ताराक चोवनु
घरकडे पावूंयेता भर्तारनय मेळनु-
आकाशवाणी कन्या आयकतली जाली
घरकडे वचूनु प्रसाद खातली जाली

नदी तटीं तेवनु सांगतली जाली
घरकडे वचा बप्पा संध्यारात्री जाली-
कन्या कलावतीन भर्तारा दिकीलो
बंधुवर्ग समेत साधु भायर सरलो
मंदिर प्राप्त जावनु व्रत कोरतोलो जालो
इहलोकां सुख भोगून अंतीं मोक्षु पावलो-
अंगद्ध्वज रायु मृगयात्रेक गेलो
गोपानी दिलोलो प्रसादु थांगाय सोडलो
संतती राज्य नाश जावनु दुख पावलो
प्रसादु मागून खांवचाक सुखवंतु जालो-
कराय भक्तजन तुमी सत्यव्रत
तुमी प्राप्त जावूयेत मनोभिवांछित
व्रता कोरूका श्रद्धा भक्तीन सहित
विधि निर्माण जाली विष्णु अभिमत-
सत्यनारायण कथा आयकतल्ले जनांक
धनधान्यादि सर्वैश्वर्य समस्तांक
अंतीं मुक्ती दिता तो सर्वय प्राण्यांक
मुक्ति दितल्यानंचि कल्पशिलें लेक-

कोटिलिंगपुरांतु आशिल्लो पत्मनाभ भट्टू
साधु सज्जनांक तो नित्य होडलो इष्टू
कथा बोरोंवचाक ताणे काडलोलो कष्टू
पोळोवनु सत्यदेवु जावो तो संतुष्टू-
-श्रीकृष्णार्पणमस्तु-

वेदवती अम्माळ (1895-1980)

आलपुषा श्री गोपी भट हांची धूव आशिल्ले श्रीमती वेदवती अम्माळ हांचो विवाह पुत्तनमठम् माधवप्रभु हांचेकडे जालो. तांकां तेग पूत आनी दोग धुवो.

कोंकणी भाषेंतुल्या रचनां वाटेन हांची वळख दूरा दूरा पर्यंत जाली. हांचीं सुमार पुस्तकांय प्रकाशित जाल्यांय. कोंकण जनता मासिकेचेर पर्यंत हांच्यो रचना प्रकाशित जाल्यांय.

। **पुस्तकां** ।

1 सौभाग्यलक्ष्मी वेंकटेश आमंत्र उत्सव

2 भजनमालिका-श्री तिरुपती वेंकटाचलपती कीर्तन (वर्ष 1947)

3 श्रीमद् सुकृतींद्र स्वाम्याली शिष्यसमेत आलपळेची सवारी

श्री सुकृतींद्र स्वाम्यांगेले प्रथम पुण्यतिथी महोत्सवु

एकशें पंचेविसा वर्षा आषाढमासु
आषाढु बहुळ पाडवो रविवारा दिवसु
तेदूस नरसिंहाले आलयांतु आघोषु
गुरूले आश्रमांतु अलंकारां घोषु
आषाढ शुक्लपक्ष पंचमी दिवसु
तेदूस गुरूंनी दिले आलयांक रायसु
रायसु आयकून सर्वय ब्राह्मणांक आनंदु
चोवदावे दिसा जालो आश्रमांतु विनोदु
दूरचे देशांतुले वैदीक पावलोलो शुक्रारु
यागु यज्ञु कोरून करताय आदरु

ग्रामांतुले वैदीक सहित गुरूनी दिला धीरु
प्रारंभु केलोलो दिवसु पाडव्याचो रविवारु
आचारी सहित वैदिकां बांदीलीं कंकण
आचारी सहित वैदिक पळयताय पुराण
विधियुक्त प्रमाण करताय बोधन
वेदमंत्र घोषान सांगताय ब्राह्मण
आचरि वैदिक गुरूले स्नानाचे समय
प्रातस्काल जांवचे शुक्र उदय
स्नान धर्मांत सर्वय गुरु पावले जय
गुरु सहित वैदिक प्रारंभ कर्तव्य
चोवदावे दिसा शुक्र उदया चैतन्य
आचारी वैदिक गुरूनी केलें संकल्प स्नान
स्नान केलेले कालारि धर्म संपादन
कोरनु गुरूनी देवाक केलें पूजन
मंडप केळी तोर्ण दवरलेलें प्रधान
कोडी घुडी आनंदु आश्रमांतु विधान
मंडप पूजन सर्वय केलें विनोदान
वैदिक सहित राबीले शुद्ध मनान
पूजन कोरनु गुरूनी गुरूले ध्यानारी
आचारी सहित वैदिक आयले स्थानारी
येवनु राबीले त्या वरी गुरू सन्निधीरी
वैदिकांक आचारू दीवनु चालीले मुकारी

श्रीमद् सुकृतींद्र स्वाम्याली शिष्यसमेत आलपळेची सवारी - ह्या शीर्षकाच्या पुस्तकांत आशिल्लें वर्णनात्मक पद्य हें हांगा दिल्यां-

गुरूलें कर्तव्य प्रधान मंडपपूजन
नवग्रहांक दवरलें पूजा प्रधान
श्रेष्ट जावनु वैदिक राबीले श्रद्धेन
गुरूले आज्ञेन प्रारंभु वैदिकांक बोधन
चतुर्वेद प्रारंभ कर्तव्य धारारी
होड संतोषान गुरू नरसिंहा नड्यारी
प्रारंभ कर्तव्य करताय हरण उदयारी
नरसिंहाक आरती कोरनु गुरू गाडीरी
गुरूंनी कोरचें कर्तव्य गुरूले दैवाधीन
गुरूंनी कोची पावनु देकीलें वृंदावन
वृंदावनांतु गुरू गुरूंगेलें चैतन्य
वृंदावनांतु गुरूंले वंदन दरिशन
वृंदावनांतु पावनु गुरूंले ध्यानान
ध्यान निष्ट जावनु भक्ति संपादन
सर्वय जावनु वेंकटपतीलें दरशन
गुरूंले देवालें दैविक गुरूंक प्रधान
गुरुदर्शन कोरनु पावले गडीरी
होड वेगीं पावले नरसिंहाले नड्यारी
गाडी सोणु गेले देवा सन्निधीरी
होड वेगीं पावले आश्रमांतु धारारी
स्नान धर्म सर्वय गुरूले निश्चयारी
आचारी सहित वैदिक राबीले मुकारी
कर्तव्य प्रारंभु कोरूक गुरूले आज्ञेरी
गुरूंलें प्रारंभ कर्तव्य उच्च मध्याह्नारी

कृष्णपक्षु पाडव्याचो आयताराचो दीसु
गुरूंलें पूजन दोन्नीशें पन्नासु कलशु
तेदूसु गुरूले आश्रमांतु कोसोलो घोषु
कलशपूजन याग यज्ञाहूती विशेषु
गुरूले स्नान जावनु बैसले पीठारी
आचारी वैदिक सहित गुरूले आज्ञेरी
गुरूले आज्ञेन वैदिकांलो प्रारंभु धारारी
गुरूले आज्ञेन प्रारंभ ब्रह्मानंता वरी
वेद पठन पुराण कर्तव्य घोषान
यागकुंडांतु आहूती दिताय ब्राह्मण
आचारी वैदिक सहित गुरू बैसले धन्य
अत्री वसिष्टा समान कर्तव्यान प्रधान
गुरु सहित दैविक देकूक आयलेले भक्त
होड भक्तीन जनांनी केलेलें संपाद्य
काशी मठाचे गुरूले मताचे सान्निध्य
निश्चय तकीत गुरु पुराणांतु परिशुद्ध
गुरूंनी पूजन केलेलें सर्वय पवित्र
याग पठन सर्वय करताय समाप्त
वेदोक्त प्रमाण तकीत गुरूक जालेलें प्राप्त
संपूर्ण पूजन आरती गुरूले सात्विक
देवाक अभिषेकु कोरूक पीठारी झल्लरी
भक्त जनांनी सर्वांनी केली अंजली
गुरू वैदिक आचारी जाले आनंदारी
अभिषेकु प्रारंभु करताय कर्तव्या समयारी

गुरु आचारी वैदिक कर्तव्यांतु श्रेष्ट
अभिषेकु प्रारंभु कोरूक गुरूक सुभिक्ष
आचारी वैदिक सहित क्ळेश धरलेले श्रेष्ट
गुरूनी होड भक्तीन केला अभिषेकु
अभिषेकु संपूर्ण कोरनु जालेले कालारी
आभरण अलंकार श्रृंगारु धारारी
चंदन पच्चकर्पूर तिलक कस्तूरी
सर्वय मिश्र कोरनु लेपण धारारी
करवीर चंपकपाडल मोगरें पद्माक्ष
केदकी पारजातकु सुगंध केशव पुष्प
तुळसी माला सहित पूजनाक सुभिक्ष
गुरूनी कोरचें पूजन भक्तजनां मोक्ष
अभिषेकु संपूर्ण कोरनु पूजनाची आरती
काशी मठा गुरूली सत्य धर्मा प्रीती
मत उद्धारु जावो म्हूण गुरूली भक्ति
जगत्वां साधू संगांक भक्तांक अभिवृद्धि
अभिषेकु संपूर्ण कोरनु जालेले सुभिक्ष
त्या कालारि दान दक्षिणा दिली वैदिकांक
आचारी वैदिक सर्वांक संतोषलें अंतरंग
दान दक्षिण सर्वय चोंवचा आयलेले संग
ब्राह्मणांक दान दक्षिणा दिलेलें संपूर्ण
भक्त जनांनी केले तीर्थ परोक्षान
प्रयागे तीर्थां स्नान केलेल्या समान
भक्तांक गुरूनि दिलें प्रसादाचें धन

दैविकान आनंद आघोष जालेले उद्धार
आबाल वृद्धांक प्रदक्षिण नमस्कार
गुरूनी दिलेलें अमृत केलेले स्वीकार
भक्तांले नेत्रांक जाले आनंदबाष्पां भार
चतुर्वेदादि सर्वय केलेलें संपूर्ण
गुरूले आज्ञेन दिलें ब्राह्मणांक भोजन
भक्तींतु जालें वैदिकांलें ब्रह्मार्पण
गुरूनी केलेलें दैवीक जगत्वांतु चांगपण
जय जय मंगळ गुरूलें दैवीक
देकून संतोष पांवचाक आयलेले साधुसंग
भक्त जनांक जालें रामालें पट्टाभिषेक
पट्टाभिषेका समान जालेले सुभिक्ष
जनांक भोजन दीवनु जालेले कालारी
मंगळारती आरती दिकून भक्तां जाली प्रीती
भक्ति दृढ कोरची गुरूगेली भक्ति
सर्वय जावनु देवाक गरुडारी जाली प्रीती
नवरत्ना गरुड दवोरनु देवु गरुडारूढ
देकूनातिलीं मनुष्य पापानी जालीं मूढ
दरिशन देकूक जन सर्वय सान होड
कनकाचे वरी माका जालें एक पाड
गुरूनी दैविक कोरनु दाकयलेले विशेष
वर्णन कशी करतलीं अल्प मनुष्य
रामस्मरणा प्राप्ती नातीलें मनस
सामर्थ्य आशिल्ले ते सहस्रमुखी शेष

आश्रमांतु चित्र विचित्र केलेले श्रृंगार
भक्तजनांले आत्माक जाले मनोहर
माध्वमता प्रकाश दिवंचे ये निर्मल
गुरूंले उत्तम भक्तीचें कर्तव्य सुफल
रघुपतीलें वाहन प्रधान गरुड
परमभक्तीन जाला देवु गरुडारूढ
प्रारंभ कर्तव्य केलेले महोत्सव होड
परमात्मा परमभक्त पुरंदर विठल
नामावालि
देशां आयलेले गुरू शिष्य
गुरून शिष्यान आयलेले घोष
आलयांतु केलेले विशेष
वर्णन कोरूक नुपूरो आयुष्य.

सरस्वती रंग भट (1894-1955)

चेराय श्री. कृष्ण भट हांची धूव आनी विख्यात पत्मनाभ भट हांची भर्याणि. जनांले जिबेरि 'बैक्कक्का' म्हूण वळकि. पुस्तक रूपान कांय उजवाडाक आयलेंना तरीय हांगेले कोंकणी गीत घरां घरांनी पावल्याय.

के. श्रीनिवास कामत

आलपुषा गांवचो बहुमानादीक वकील (BABL) आशिल्लो. देवळाच्या समितीचो अंग आशिल्लो. कायंकुळम् सारस्वत बैंकाचे स्थापनेक अनुबंध जावनु हांचें नांव परामर्शित जाल्यां. परमपूज्य सुकृतीन्द्रतीर्थ स्वामिजी आलपुषा संदर्शन केलेल्या वेळार तांच्या स्वीकरणाच्या आनी संबंधित कार्यांतु हांचो क्रियात्मक वांटो आशिल्लो. गांव जनांलो प्रतिनिधि जावनु एकेक वेळार स्वामिजीची भेट घेवूक वर्कला आदी कडे गेलोलोय आसा. 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेंतु कोंकणी विभाग आरांभिल्ले वेळार प्रथम जावनु उजवाडाक आयलेली पद्यकृती हांगेली (1924) 'परमात्माचें स्तोत्र'

तुरावूर आर. माधव पै हान्नी 1931 वर्षा 'गानांजली' म्हूण कोंकणी कीर्तनांचो संग्रह प्रकाशन करतना तांतूं हांगेलो हो गींत सहित पांच गींत घेतल्याय.

गीत

। 1 । शंभो मां पाही - यी रीति

पल्लवी

कृष्णा तूं राक - श्रीकृष्णा तूं राक

चरण

सकलचराचर कर्तारु तूं
भुवन तिनींक आधारू
निर्विकारू कारुण्य भारू
ऊंकारू शंकरू तूं किंकरांक - श्रीकृष्णा-
शरणागतजन पालनशील
करि मिजें उद्धरण
तुजें चरण विना ना शरण
वारणोद्धारण सद्दां करता ध्यान- श्रीकृष्णा-
स्मरण मात्रान देवा तुजे
जाता व्होड आनंदु
हरे गोविंदा नित्यानंदा
पादपत्मदर्शन दी मुकुंदा - श्रीकृष्णा-

। 2 । कमास । चाप्प

● माताडबारादेनु - यी रीति

पल्लवी

मागूचें दिवंचे देवा, पाडंवबंधो

अनुपल्लवी

षड्वैर्यांक नाशु कोरनु
दी रे तूं नित्यानंदु - मागूचें-

चरण

अनित्य हें प्रपंच
नित्य म्होणचे ते वंच

ताजो संसर्गु दूरा
करि तूं वोगी देवा - मागूचें-
आशापाशांतु घालून
जन्मु कोटि चडोवनु
दिंवचे कष्ट ते नष्ट
करि तूं वोगी देवा - मागूचें-
मुक्ति मनुष्यस्तुति
माका नाका रे देवा
भक्ति तुजेरी होडी
दी रे तूं एक राया - मागूचें-

। 3 ।

पल्लवी
जगदीशाक आमकां सर्वांकय पायीं पोडुया
सुखदायकाक त्या पायीं पोडुया - जग-
चरण
आकार रहितु तरि तो आसा सर्वत्र
आसा तो सर्वांतू दिसना मात्र - जग-
हाजे वैभवान गोळ सर्वय चलत सत्यान
प्राणी सर्वांक भक्ष्यरचन हाजे शक्तीन - जग-
महाकाळु ताका विसोरच्या दुष्टबुद्धींक
दयाळु परममित्रु तो ताजे भजकांक - जग-
त्या श्रीनिवासागेली महिमा इत्तें सांगुया
ज्ञान तें मेळूक ताजेलागी बुद्धि भक्ति मागुया - जग-

। 4 । श्रीराग । आदि

पल्लवी

रामचरणस्मरण करि मना तूं - राम-

चरण

रामचरण नित्य प्रेमान भजूनु

क्रमान सुख पावनु श्रमु ना भक्तीन - राम-

रामु तूं जगत्पती श्यामळु सीतापती

सुंदरु दयानिधी केवल करुणानिधी - राम-

पांव दाकय पावल पावन तुजी म्होणु

देवांनी तरी नित्य सेवा कोरची दिव्य - राम-

घोर भवाब्दीचें तारण कोरूक बहु

सारसुलभ मार्गु चारु तो सेतु चोय - राम-

। 5 । कमास । चाय्प

● माताडबारादेनु -यी रीति

पल्लवी

सर्वय साध्य तुका, भीवनाका मना - सर्वय-

अनुपल्लवी

सर्वशक्तु तो सर्वय व्यापून आशिल्या वेळीं - सर्वय-

चरण

सर्वार्थसाधनाक संसार तारणाक

आधारू अरोगदृढगात्र ते एक राक - सर्वय-

कामादि षड्वर्ग ते सर्वय सोडूक

प्रेमान नित्यय रामस्मरण कोरका - सर्वय-

आर. सी. शर्मा (1897-1980)

अंजलप्परम्बु दामोदर शेणै, लक्ष्मीबाय दंपतीचो पूत जावनु, आनी सुप्रसिद्ध ए. डी. हरि शर्मालो धाकलो भाव जावनु, 8-1-1897 दिसा पळ्ळिप्पुरम् गांवांत जन्म. संस्कृत शास्त्री, पंडित आदीं बिरुदां जोडून नारक्कल हायस्कूळांत अध्यापक जालो. संस्कृत आनी मलयाळम शिकयतालो. जाल्यार बंगाळी भाषेंतूय होड प्रावीण्य जोडलें. बंगाळीत थाकून साबार ग्रंथ (टागोराली 'गीतांजली' सहित) परिभाषा केले. मलयाळमांत एक मूल लक्षणग्रंथ (हरिशर्माचे लागी मेळनु) 'नाटकप्रवेशिका' बरयलो. ज्ञानपीठ विजेता जी. शंकरकुरुप्पान 'गीतांजली' काव्यरूपान सजयतना हांगेल्याच परिभाषेचो उपेग केलोलो.

हान्नी कोंकणींत रचिल्ले भक्तिगीत होड लोकप्रिय जाले. 1930 वर्षा 'गानमंजरी' प्रकाशित जालो. 1931 वर्षा उजवाडाक आयलेल्या 'गानांजलींतूय' हांगेले मधुर गीत आसताय. 1944 वर्षा हान्नी रचिल्लें एक विलापगान 'अश्रुबिंदु' कोंकणींतुली प्रथम ELEGY जावनु आसा. 1974 वर्षा कोचींत भरलेले AISCO संमेळनांत हांकां 'सारस्वत रत्न' म्हूण सन्मान केलो. 1978 वर्षा कोचींत भरलेले अखिल भारतीय कोंकणी परिषद् अधिवेशनांतूय हांचो विशेष भोवमान जालो. 24-3-1980 दिसा निधन जालो. 1981 वर्षा हांगेले गींत हांगेले पुतान (जे.एन. शर्मा) पुनः प्रकाशित केले.

1923 वर्षा 'सारस्वतबोधिनी' मासिकेचे 1-5 सांचिकेंतु (1099 धनु) हांगेलें एक लेखन आयलेलें. 'नम्मुडे भाषा' (आमची भास) म्हळ्ळेल्या त्या मलयाळम लेखनांत हान्नी कोंकणी भाषे विशीं बरेंच उत्बोधन दिलें.

अतीव हृद्स्पर्शक रूपान केलेल्या त्या उत्बोधनान्च केरळांतुले कोंकणी भाषा-साहित्य रंगाचेर नवजागरण आयलें म्हूण दिकून येता. त्याच कालाक तांचोय परिश्रम शुरू जालो. आलपुषा परिषद जाता आनी थाराव जाता सर्व हाचे उपरांतेंच मात्र.

गीत आनी कविता

। 1 । हिंदुस्थानी तोडी । आदिताळु

पल्लवी
कृष्णा तुजीं चरणकमलां माका शरण
देवा अगणितगुणगण - कृष्णा-
चरण
भक्तांचे ह्रदयांतु सदा तुजो वासु
त्रैलोकनायकु तूं भक्तांगेलो दासु
सेवा कोरचे जनांक तूं कल्पकाचो घोसु
हांव तुजी पादसेवा करतां राती दीसु - कृष्णा-
तुजे दये पासून जालो कुचेलु कुबेरू
तुवें केलो गोवर्धन पर्वतु उद्धारू
काळ्ळो तूवें पांडवालो सारथ्याचो भारू
भक्तांचेरी तुजो स्नेह अधिक उदारू - कृष्णा-
कंसु तुगेलो मामु ताका तुवें मारलो
काळीयु घोर सर्पु ताका वरु दिलो
दुष्टसंहारधर्मु तुवें रक्षा केलो
तुजे पासून भूमीवेलो भारु सर्वय गेलो - कृष्णा-
संसारु म्होळ्ळोलो होडु एकु सिंधू

कामक्रोधादी तांतूं आसा घोरजंतू
पाप म्हळ्ळेलें जल भोरनु सर्वय तांतूं
देवा दुख दीवनु माका बुडोवनाका तांतूं - कृष्णा-
नामावली
ध्यान करि रे मना, ध्यान करि तूं
बालकृष्णाचें रूप ध्यान करि

। 2 । हिंदुस्थानी तोडी । आदिताळु

• मंगळम् मंगळम् कैरळिये - यी रीति
पल्लवी
बालगोपाला तूं पालन करी
ना माका तूं विना तारण
चरण
ब्रह्माचे मुखांतु वेदु आशिल्लो
दुष्ट दैत्यान तो चोरण केलो
मत्स्य रूपान तूं अवतारू जालो
ते वेदचोराक संहारू केलो - बाल-
क्षीशब्दि घांटूचे वेळारी भारू
वाड्डूनु बुडोलो मंथरदारू
कूर्म रूपान तूं जालो अवतारू
फाटीरी तो भारू केलो उद्धारू - बाल
भूमि समुद्रांतु बुड्डूनु गेली
ते पासून ती भारी संकष्ट पावली
तिजी रक्षा तुवें कोरूका जाली

घोरवराहाची मूर्ती तूं धरली - बाल-
प्रह्लादु भक्तांतू रत्नस्वरूप
ताका हिरण्यान दिले उत्ताप
तुजें मन भक्त वात्सल्य कूप
तूं धरलें घोरनृसिंहाचें रूप - बाल-
रायु महाबलि लोकांतु श्रेष्टु
तो जालो दानान भारी गर्विष्टु
वामनवेषु तूं धरलो खर्विष्टु
ताका तुवें केलो स्वस्थानभ्रष्टु - बाल-
क्षत्रियांक चळ्ळो होडु जुलूमु
साधुजन पावले ते पासून श्रमु
लोकरक्षा कोरचो तुगेलो धर्मु
तूं जालो भैरव भार्गवरामु - बाल-
रावणु म्हळ्ळोलो दृष्टु कारण
लोकांतु ना जालें साधु शरण
केलें श्रीरामालें रूप धारण
दिलें ताका तुवें घोरमरण - बाल-
त्रैलोक पूज्यु तूं देवदेवेशू
भूलोकांतु धरलो गोपालवेषु
दुर्जनांक हाळ्ळो तूं होडु नाशु
अर्जुनाक दिलो गीतोपदेशु - बाल-
भरले भूलोकांतू हिंसा दुष्कर्म
गेलें कर्म धर्म ना जालें शर्म
होळ्ळें दुख पावलें तुजें हृद्मर्म

केलें प्रचार तें श्रीबुद्ध धर्म - बाल-
आतां आतां तुजी भक्ति ना जाता
वर्णाश्रमा धर्मु लुप्त मू जाता
सत्कर्म तें वता संकर येता
कल्कि अवतारु तूं घेवंचाक वता - बाल-
तुगेली सृष्टि ये सर्वय लोकांतु
तूं सर्वय राकूचो धनी अनंतू
सर्वय लयु पांवता तुजे रूपांतू
हे देवदेवा तूं आसा सर्वांतू - बाल-
असंख्य अत्भुत तुगेले गुण
ते सर्वय सांगूचो लोकांतू कोण
तुजें सत्यरूप तूंचि मू जाण
तुजी सेवा विना हांव कांय नेण - बाल-

। 3 । कमास । चाय्प

● माताडबारदेनु - यी रीति
पल्लवी
दर्शन दी तूं माका, हे बालकृष्ण !
अनुपल्लवी
आजि श्रावण मासु, तुगेलो जन्मदीसु - दर्शन-
चरण
दीन मेगेलें मन पूर्ण तुजेरी लीन
ध्यान सुखान अनुदिन जाता तें धन्य - दर्शन-
नित्य भक्त जनान कोरचें तुजें कीर्तन
भक्तीन आयकून कान पांवताय आनंदधन - दर्शन-

जीब तुगेले गुण गानामृत निदान
पान कोरनु तृप्तीन सरता सुखाची तान - दर्शन-
कष्ट, भाग्य नातीले जाले मेगेले दोळे
तुका दिकूनातीलें दुख पांवताय ते होळ्ळें - दर्शन-
मात्यारी मोरा पाक धरचें तुजें तें मुख
दाकय तांकां तूं एक ताजान पावो ते सुख - दर्शन-
पुण्यपात्र विचित्र तुजें सुंदर गात्र
चोवनु मेजीं तीं नेत्रां जावोय सार्थ पवित्र - दर्शन-
माधुर्यान मोहन तुगेलें वेणुगान
कोरोय कान तें पान, सोरो तांगेली तान - दर्शन-
हांव धावनु पावनु आलिंगन करीन
आनंदबाष्पान धूयन तुजीं चरणां - दर्शन-
माका भक्ति तुजेरी तुका स्नेहु भक्तारी
करि दया मिजेरी, यो यो कृष्णा मुकारी! - दर्शन-
नामावली
यो यो यो कृष्णा मिजे मुकारी
दिकता तुका हांव दोळे भरी

। 4 । तोडी । आदि

● नंदनंदन नंदित मुनिजन - यी रीति
रामराघव रविकुलनायक
राक तूं सदां आमकां सुख दींवका
करि करुणा तूं देवा आमचेरी संकट दूर करी
धनी तूं सर्वांक, तिनीय लोकांक
मन तुजेरी चांग, जांवका आमकां - करि करुणा-

आसा तूं ह्रदयांतु, दिसना मनांतू
दिसाय काळूक तांतू, तूं अनंतू - करि करुणा-
आमकां ना देहशक्ति आमकां ना धनशक्ति
जावंका तुजेरी भक्ति, पांवका मुक्ति - करि करुणा-
सारि संसारा भीति, करि आमचेरी प्रीति
दी आमकां चांगि स्थिति, परगति - करि करुणा-
तुका नांव रामचंद्रु, तुजें मुख पूर्णचंद्रु
तूं सर्वलोकबंधु, दया सिंघू - करि करुणा-
नामवलि
रघुरामा जगदभिरामा
आनंदामृतधाम तुजें नाम

। 5 । उदयरागु

● पांव वेंकटेश सुखर - यी रीति
राक राक लोकनायक
श्रीकळत्र समस्त रक्षक
तूं विना एकि गति ना माका
देवा दुःख तूं दीवनाका, बालकृष्णा
मन कोणांक तुजेरी जाता
तांकां सर्वांक तूं सुख दिता
तुजें स्मरण नित्य हांव करतां
माका इत्या तूं विसरता, बालकृष्णा
दुष्टांक सर्वय नष्ट कोरूक
शिष्टांक होडि तुष्टि हाडूक
भक्तजनांक मुक्ति दिवंचाक

धरता तूं रूप अनेक, बालकृष्णा
मत्स्य कूर्म वराह नरहरि
वामन भृगुराम रावणारी
पार्थसारथी, बुद्ध खड्गधारी
सर्वय जालो तूं मू हरि, बालकृष्णा
तुजेरी थाकून जाली यी सृष्टी
तुजे पासून पांवता ती पुष्टी
मेळता तुजेरी सर्व समष्टी
करता सर्वय तुजी दृष्टी, बालकृष्णा
सर्वय तुगेले वत्स संतान
रायु गरीबु तुका समान
ध्यान कोरचांक दिता तूं स्थान
तुजें मन दयाघन, बालकृष्णा
आसा मू तूं सर्वांचे ह्रदयांतू
दिसना मू तें माका मनांतू
कशि दिकूचें तुका हांव तांतू
दाकय वाट हे देवा तूं बालकृष्णा
घोरघोर संसार सागरू
तांतू बुडूका माका ना धीरु
तूं विना माका कोण आधारू
देवा करि तूं उद्धारु, बालकृष्णा

। 6 । चेंचुरुटी । आदि ताळु

● नादबिंदु - यी रीति
वेंकटेश विश्वेश तुजीं पाद-

पंकजां सदां ध्यान करतां हांव
संकट होगी दूरा करि सर्व, देवदेवा
नित्य शेष शैलारि तुजो वासु
दिता तूं सर्व सत्वांक विकासु
शकु संहारमूर्ती कृत्तिवासु, तुजो दासु
तुजे दिव्यनामांचें उच्चारण
सर्व भाग्य सौभाग्याचें कारण
तेंचि जिबेक होड गोड खाण, कोण जाण
चांग मनान कोरचें तुजें ध्यान
भंग नातीलेलें सुखाचें साधन
जांवका मेगेलें मन तांतू लीन, अनुदिन
तुजे पावन पादांचें पूजन
दुर्जनांकय करता मू सज्जन
ताजेरी माका जावो होडि तान, दिन दिन
देवा दी माका तुगेलें दर्शन
दोळे मेगेले जावो ते पावन
दुःखांतु थाकून करि तूं मोचन, कारुण्यान
कर्म देहान जिबेन मनान
करता हांव, ताजे दोषगुण नेण
सर्वय तुजेरी करता समर्पण, दी निर्वाण
नामावलि
हांव तुगेलो दासु- देवा
राक तूं राती दीसु

। 7 । चेंचुरुटी । आदि ताळु

● देहि मुदम् देही- यी रीति

पालन करि तूं माका कृष्णा कृष्णा- श्री
लोल, गोपालबाला कृष्णा कृष्णा
चोवदाय लोक तुजे खाल कृष्णा कृष्णा- तुजीं
पादां मू सर्वांचें मूल कृष्णा कृष्णा
हांव तुजी सेवा करता कृष्णा कृष्णा- देवा
माका तूं विसरता इत्या कृष्णा कृष्णा
घोर मू संसार भारु कृष्णा कृष्णा- तो
धोरूक ना माका धीरु कृष्णा कृष्णा
कष्ट भोगून पूरो जालें कृष्णा कृष्णा- मिजें
पुष्ट धैर्य नष्ट जालें कृष्णा कृष्णा
केलें हांवें होळ्ळें पाप कृष्णा कृष्णा- ध्यान
केलेंना मू तुजें रूप कृष्णा कृष्णा
व्यर्थ केलो हांवें जन्मु कृष्णा कृष्णा- विष
यार्तीन विसरलो धर्मु कृष्णा कृष्णा
जाण मू तूं सर्वय बालकृष्णा कृष्णा- कोण
नेण मू तुगेली लीला कृष्णा कृष्णा
दोषु सर्वय क्षमा पांव कृष्णा कृष्णा- परि
तोषु दी माका तूं पांव कृष्णा कृष्णा

। 8 । चेंचुरुटी । आदिताळु

● पंचामृतम् तेन मकिषुम - यी रीति

दाकय तुजें रूप माका

आनी पुणीय दुःख दीवनाका
भांगरा किरीट आसा मात्यारी
मोरापाक ताजे उंचारी
तोंड पूर्ण चंद्रमा वरी
थळ थळ जाता भारी भारी- दाकय
दोनीय कानांक वज्रकुंडल
सूर्यचंद्रा पशी उज्वल
दोळे थेट कमलदळ
बालचंद्रा वरी चारुनिडळ- दाकय
मनोहर गंडमंडल
ताका लागून चूर्णकुंतळ
वोंट तुजे अतिकोमळ
नांकाचें सौन्दर्य देवा अतुल- दाकय
तुळसीची माळा गळ्यारी
लळता ती खाल पायारी
तुका हात आसा मू चारी
शंखचक्रगदा पंकजधारी - दाकय
कौस्तुभ धर मधुर
कृष्णा तुजे भुजांतर
कांतिपूर्ण कृश उदर
कुरटारी पांयजळ पीतांबर- दाकय
तिनीय लोकांक आदिकारण
भक्तजनांक एक शरण
दीन दुःख परिहरण

कोरची मू तुगेलीं चारुचरण- दाकय
तुजें रूप विश्वमोहन
आनंदान ताजें दर्शन
आशा पांवताय तांतू नयन
सारि हे देवा तूं तांगेली तान- दाकय
आसा मू तूं सर्वय दिकारी
दिकूयेना माका चोयल्यारी
करि दया हरि, मिजेरी
यो यो देवा, मिजे मुकारी - दाकय

। 9 । आनंदभैरवी । आदिताळु

● ध्याये मन श्रीहरी - यी रीति
देवा, देवकीसुता, राक माका - देवा
आशापाशांतु पोणु, धयते कष्ट भोगूनु
धीशांती नष्ट जावनु, रडता हांव पायीं पोणु
माका, आनीकय घालूनाका, तांतू हे वासु- देवा
हांवें सुख सोदीलें, दुःख मू माका मेळ्ळें
आयुष्य धावनु गेलें, जीवित व्यर्थ जालें
करि, मुकारी, मिजेरी, हरि तूं दया- देवा
लोकु मायेचो सिंधू, ताका ना एकु अंतु
बुडलों हांव तांतू, दिसता होडु आखांतू
धरि, उद्धारी, तूं सारी, मुरारी भीति- देवा
स्वामी तूं सर्वय जाण, तुजें तत्व कोण नेण
तूं नंता दीनजनरक्षण कोरचो कोण
माका, सोणक्का, दीवनाका दुःख हे वासु- देवा

। 10 । चेंचुरुटी । आदिताळु

● कृष्णान चेयता लीलाकळे - यी रीति

सोणक्का तूं आमकां देवा, दीनबंधो, कृष्णा
दीवनाका आनीकय दु:ख गुण सिंधो
रातिदीसु आमी तुका भजिताय मू, कृष्णा
आमगेले संकष्ट ऊणे जायनाय मू
भक्तांगेलो दासु म्हंटाय तुका न्हय वे, कृष्णा
साधु संरक्षण तुजो धर्मु न्हय वे?
सात दीसु गोवर्धनु धरला ना वे, कृष्णा
गोकुलांक तुवें रक्षा केली ना वे?
काळियालो दोषु क्षमा पावलो ना वे, कृष्णा
चांगु वरु ताका तुवें दिल्लोना वे?
कुब्जेलें तें पोंग पर घालेना वे, कृष्णा
तिका चांगि गति तुवें दिल्लीना वे?
कुचेलाले सुके फोव खेल्लेना वे, कृष्णा
तागेलें दारिद्र नाशु केलेंना वे?
द्रौपदीक दिव्यवस्त्र दिलेंना वे, कृष्णा
तिगेलो मानु तुवें राकलोना वे?
तीणे दिलोलो भाजे पालो खेलोना वे, कृष्णा
ब्राह्मणांक ताजान तृप्ति हाडलीना वे?
पंचपांडवांलो दूतु जालोना वे, कृष्णा
कौरवां लागी तूं मागूक गेलोना वे?
पार्थालें सारथ्य तुवें केलेंना वे, कृष्णा
पांडवांक सर्वय सौख्य दिलेंना वे?

अशी सर्वय साधुरक्षा केलीना वे, कृष्णा
चोवदाय लोकांतु कीर्ति भरलीना वे?
भक्तां पासून इतें इतें केलेंना हे कृष्णा
तुवें तांकां इतें इतें दिलेंना!
आमी देवा, तुजे पाददास न्हय वे, कृष्णा
स्वामी आमचेरी तुका दया ना वे?
अनाथबंधू म्होण तुका उळदिताय मू, कृष्णा
तूं नंता आमका कोण गति ना मू.

। 11 । मोहन । आदि ताळु

सेवा करतां देवा, वसुदेव नंदन-
हांव तुजी- सेवा करतां
सुगंध कशी फुलांतु, तेल कशी तीळांतू
तशीच तूं जगत्वांतू, आसा भोरनु सर्वय तांतूं-
- सेवा करतां
भक्तांक तूं सर्वय दिंवचो, सर्पु मू तुगेलो मांचो
तुजें तत्व जाण जांवचो, मनुष्यु लोकांतु खंचो
- सेवा करतां
आजि फल फायी मल, परां सर्वय जाता जल
अखिल प्रपंचा जाल, देवा तुजें इंद्रजाल-
- सेवा करतां
देव सर्वय तुजे भृत्य, सेवा करताय तुका नित्य
तुजें रूप स्नेह सत्य, दीनरक्षा तुजें कृत्य-
- सेवा करतां

तुगेलीं पादकमल, सर्व लोकांक मूल
शाश्वत सुख विमल, ताजें पूजनाचें फल-
- सेवा करतां

तुगेलें पादस्मरण, सर्वदुःख हरण
तूंचि मू माका शरण, स्वामी करि रक्षण-
- सेवा करतां

● **'गानांजली' नांवाच्या संग्रहांत थाकून ।**

। कापी । आदि । दशरथराजकुमारा - यी रीति
पल्लवी
राक तूं आमकां लोकपाला, पशुपाला,
कुलबाला, शुभलीला
चरण
भक्तांचें हृदयाब्ज तुजें इष्टधाम
नित्य तांचेरी तुका अनुपम प्रेम
तूं सर्व सतगुणांक परम आराम
नित्य कल्याण धनधाम, तुजें नाम,
तद्महिमा, निस्सीम
हाळ्ळे भक्तीन सुक्के फोव कुचेलान
दिलेना तुका ताणे अधिक लजेन
काळ्ळे उप्पून, खेले तुवें अमृतसमान
दिलें ताका धायतें धनधान्य, तुजें मन
कारुण्यान, परिपूर्ण
फारलें तुवें गोपींगेलें घृतनवनीत
दिलें तांकां कैवल्य नव नवनीत

जालें तुजे पादस्पर्शान गोकुल पुनीत
प्रणत प्रार्थित पारिजात, तुजी पादां
तांकां शत, प्रणिपात

। **अश्रुबिंदु** ।

(1944 वर्षा कोंकणी समाजाचे तेग मंहत निधन जाले- वामन बाळिगा, जनार्दन कामत आनी नागोजी राव. लागी लागी जावन आयलेले हे नष्टाव आठोवन श्री आर. सी. शर्मान बरयलेलें हें शोक कवन THE KONKANI म्हळ्ळेल्या हस्तलिखित मासिकेचे प्रथम दळांत आसा.)

घाल्लो मू घातोकु तूवें देवा, दया सोणु
गेलो मू हा, पूज्य डोक्टरमामु आमकां सोणु
व्हेलें फारनु चोरान तें आमगेलें रतन
जाले आमी सर्वय जन दीन भाग्यहीन
व्होड म्होणु ना मू तांका कांय पुणि गर्व
मूढ, कोळचे, व्होड, सान, तांका भावंड सर्व
स्वंत समुदाय क्षेमु तांका व्होड धन
अंतरंग तांचें शुद्ध स्वार्थलेशहीन
गोड गोड कारुण्यान तांगेलें वचन
व्होड व्होड साफल्यान औषधविधान
आसा सर्व आतुरांक तांचेरी विश्वासु
दर्शनमात्रान मेळता मनांतु आश्वासु
श्लाघ्य गुण अशी मेळनु आसा कोण अन्य
स्वर्गवासी डोक्टरमामु धन्य, महाधन्य.

●

घाल्लो मू घातोकू तूवें देवा, दया सोणु
गेलो मू हा वंद्य बाळोमामु आमकां सोणु
गेलीं फारनु आमगेलीं तीं चांग दोनि मत्तीं
वरली नित्य आमकां व्होडि तांचेवेली भक्ती
सत्य महा पथ्य तांका, ज्ञान प्रिय धन
कृत्य समुदाय सेवा, मन तांतूं लीन
ना मू तांका कोणाचेरीय लेशमात्र द्वेषु
प्रेमु तरी सर्वांचेरी भ्रातृनिर्विशेषु
निर्मल हृदय तांचें, विनयान नम्र
कर्म सर्वय समुदाय प्रणयान कम्र
मनांक उजवाडु दिवंचे तांगेले प्रसंग
कानांतु वाजीता आतांय मधुर मृदंग
धन्य धन्य बाळो मामु पुण्य गुणाकर
अन्य कोण तांचेवरी वीर कर्मधीर

●

घाल्लो मू घातोकु तूवें देवा, दया सोणु
गेलो मू कम्मतिमामु होगी आमकां सोणु
पोळ्ळो आमकां अकस्मात व्होळ्ळो एकु घायु
मोळ्ळो समुदाय भावुकाचो एकु पायु
सारस्वत वर्गांचेरी तांका व्होडु स्नेहु
भूरि सुख सर्वांकय मेळका म्होणु मोहू
दामु आसा, ना मू तांका नाममात्र 'हांव'
नेमु जावनु दानधर्म, गांव भोरनु नांव
मस्त घर अतिथींक नित्य अन्न सत्र

स्वस्थ मन सुप्रसन्न दीन दयासत्र
तांतूं मद्दें हंत! तांका जिरली पादशक्ति
किंतु अंत पर्यंतय वरली मनोभक्ति
आमी हा, अधन्य, आमकां आनी खंय मेळतली
काम्य सौम्य गुण मेळनु असली पुत्तळी

●

दीवो महंतानू तुमकां देवु आत्मशांती
दीवो आमकां जीवितांतू तुमची आत्मकांती
जावो आमकां नित्य तुमचें पावन स्मरण
पांवो आमचें मन ताजान सत्य उत्तेजन
उप्पून काळ्ळे देवान आमचे दोळ्यां थाकून मात्र
थापून पळ्ळे हृदयांतू आतांय तुमचें गात्र
भक्तिपूर्ण आमचें मन तुमकां सुखासन
नित्य आमी करताय तुमकां प्रेम पुष्पार्चन
आमचें अंतरंग भोरनु दीर्घनिश्वसन
तुमचे वंद्य विग्रहांक तेंची नीरांजन
हंत! महंतानू तुमचे दिव्य चरणांतु
अंत्य उपहारु एकु मूक अश्रुबिंदु.

एस. जी. नायक

वैकम गांवांचो एस. जी. नायक हान्नी कोंकणींत कांय तरी बरयलेंना जाल्यारीय कोंकणी भाषेचो होड सेवक म्हूण कीर्ती जोडल्या. थांगाचो GSB युवजन समाजाचो अध्यक्ष आशिल्लो आनी स्कूळांत SPINNING MASTER आशिल्लो.

राव साहिब वी. पी. च्यवन हान्नी इंग्लीषांत रचिल्लो THE KONKAN AND THE KONKANI LANGUAGE म्हळ्ळोलो ग्रंथ श्री नायकान मलयाळम् भाषेंत भाषांतर करून उजवाडायलो (1926) आनी तो गांवां गांवांनी घरां घरांनी प्रचार केलो. कोंकणी विशीं सारकें ज्ञान मेळूक हो ग्रंथ जायत्यांक उपकाराक पडलो. मात्र न्हय भाषेचे नव जागरणाकय सहायकर जालो.

आर. रंगनाथ प्रभु (1898-1952)

पुराक्काड किषक्केडत्त राम प्रभूलो एकलोच पूत जावनु 1898 वर्षा श्री आर. रंगनाथ प्रभूलो जन्मु. आवसु श्रीमती कावेरी अम्माळ. बी.ए.एल.टी. आनी राष्ट्रभाषा विशारद बिरुद घेतलें. तुरावूर टी.डी. स्कूळांत अध्यापक आशिल्लो. 1949 वर्षा सारस्वत कोंग्रसचो कार्यदर्शी जालो. तांची प्रथम पत्नी कनका बाय चेलेले जन्माक लागून निधन जाली. दुशेरी पत्नी श्रीमती कमला बाय. हांका तेग पूत आनी दोग धुवो. एक धूव आतां कोंकणींत बरोवपी जावनु आसा (आनंदी मुंबै)

हान्नी मलयाळमांत एक पुस्तक बरयल्यां. कोंकणी भाषेचे उद्धारा खातीर एक हस्तलिखित नेमाळें चलयल्यां. 'कोंकणी' नांवांचें हें म्हैनाळें 1944 थाकून दोनि वर्षांक चालू दवरलें. हातबरपाच्यो बारा प्रति बरोवनु गांवांगांवांनी पांवयतालो. हे नेमाळ्याचेर इतर जायत्यानीय बरयल्यां.

हान्नी तयार केलेलें इतर हातबरप - शब्दकोश, व्याकरण, इत्यादी - नष्ट जालें.

'कोंकणी' हे हस्तलिखित मासिकेचे प्रथम दळांतु (1944) श्री. आर. रंगनाथ प्रभून बरयलेली प्रस्तावना-

प्रक्काट ग्रामोद्धारण सारस्वत समितीचे आभिमुख्यारी भायर सरोंवचे ये हातबरपा मासिकेचें प्रथमदळ कोंकणी भास उलोंवचे सहृदय जनांचे मुकारि दवरूक आमकां अति होड्डु संतोष आसा. आमगेले भासेची आतंची स्थिती अति दारुण जावनु आशिल्ली तं म्होणु समस्तांक कळता. आमगेली भास

उलोंवचें म्हळ्ळेलें आमकांच ऊणाव जावनु आसा. इत्याक, तिजें नांव 'कोंकणी' म्होण घेंवचेंच आमकां लज्जावह जावनु आसा.

गोयांतु आनीक अनेक अन्य प्रदेशांतु कोंकणी भास आतांय अति प्रचारारि आसा. थांगाचीं जन भाषा पोषण विषयांतु अतीव प्रयत्नु पावनु आसाय. जाल्यारि ती भास आमकां लागून्ना. तांतू अनेक पोर्तुगीस पदां एकडे जावनु आसाय. व्याकरण रीतीच वेगळी.

आमगेली भासय कोंकणी तं जाल्यारीय ती गोंयातुले कोंकण भासें थाकून अति भिन्न तं. आमी उलोंवचे भासेंतु मलबारी भासेंतुलीं अनेक पदां मेळताय. तेचि कारण पासूनूय यी एकि भिन्न भास म्होणु लेकल्यारीय जाता.

आमी उलोंवचे भासेक तेक्काची कोंकणी म्होण म्होणचांतु कांय आक्षेपु ना. यी आमगेली भास उंचारि हाडका म्होण यी भास उलोंवचे सर्व जनांचेय मनांतु अतीव तात्पर्य आसा. जाल्यारी ते खातीरी इत्तें कोरका, कशी कोरका, कोणे कोरका म्होणु कोणाक एक रूपय ना - कोण जाल्यारीय ये विषयांतु मुकारि सरल्यारि वे जायत ?

अति पुरातनय अति सुंदरय जावनु आशिल्ली एकि भास तं आमगेली कोंकणी. आमकां तिजें मोल कळना. अन्य भास उलोंवचे जनांनी आमगेले भासेक लिपि ना, साहित्य ना, व्याकरण ना म्होणु आक्षेपु केल्ले कडेरी आमगेले अज्ञानान करतना तें सग व्हय म्होण आयकून आमगेले भासेचे खातीरी आमी लजेताय. परजातींतु जनन घेत्तल्लें जाल्यारी इतूलें चांग आसतलें आशिल्लें म्होण लेकून आमी पश्चातापु पांवताय. जाल्यारि भासेचे खातीरि स्वल्प पुणेय प्रयत्नु पांवचाक आमी तयार नांय.

व्हय, आमगेले भासेक प्रत्येक लिपि आसावे? ना. अशी म्होण ती भास वायटी जायना. ती सुंदर भास एकेक दिकारीय तेते दिकारी प्रचारारी आसूचे अन्य लिपीन यी बोरोवनु येताय. देवनागरी लिपीन यी बरयताय, कर्णाटक लिपीन बरयताय. गोंयांतु आनी अंग्रेजीचे (रोमी) लिपीनय ती बरयताय. आमगेले मलबारांतु यी देवनागरीनय मलबारी लिपीनय बोरोवनु येताय. अशी अनेक लिपीन यी भास बोरोवनु येताय. देकूनूचि ये भासेचें माहात्म्य प्रत्यक्ष तं. केवल प्रत्येक लिपी ना म्हळ्ळेले आक्षेपान तिजें मूल्य कांय पुणेंय ऊणें जायना. मलबारांतुले जनांक मलबारी लिपि चांग प्रकारीं कळता दिकूनूय सौकर्यार्थय तेचि लिपीन - अल्पस्वल्प व्यत्यासु हाणु - आमगेली भास बोरोंवचें उचित म्होण दिसूनु आमी ते लिपीन तिका प्रचारु दिताय तं.

दुशेरें व्याकरण तं. एक व्याकरण नातिल्लें एकि भास उलोंवचाक जावन्ना. एकि भास उलोंवचीय बरोंवचीय रीति तं व्याकरण जाल्यारी सर्व भासेंकय एकि व्याकरण रीती तांतू अंतरभूत जावनु आसतली. ती रीति कसली, इतें, म्होणु चोवनु मनां कोरनु भास कोळनातिल्यांक ती सुगम जावनु शिकूचे आवश्यार्थय, उलोवनु उलोवनु भासेक साबार विलोपु येवनातीलें राबूचे आवश्यार्थय तांतूले नियम बोरोवनु घालचें तं व्याकरण. आमगेले भासेचे नेम बोरोवनु घालूक कोण मुकारी सरलेनाय म्होण दवोरनु ये पुरातन भासेक व्याकरण ना म्होणु सांगूचें केवल मूढत्व न्हय जाल्यार इतें?

मागीरि साहित्य. आमगेले हांगाचे भासेक विशाल जावनु आशिल्लें एक साहित्य ना म्हळ्ळेलें सत्य तं. एदेच सुंदर गीत, म्हणी, आळीं, काण्यो, हाजे भायर सांगूचे लेकान एक साहित्य आमगेले भासेक ना. उपराटें, आमगेले आळसायेनय, इतेंकी दीस वता वता कोंकण भासेरी चोणु येंवचे

विरक्तीनय, तें आशिल्लें साहित्यय नाशगर्तांतु वचूनूची आसा तं. श्रीयुत् पी. एन. नरसिंह पै, श्रीमती जी. कमलम्माळ आदी भाषाप्रेमी तांगतांगेली शक्ति तकीत साहित्य देवीले पायांकडे विशेष फुल्लं अर्पण कोरनु येताय. पंडित आर. सी. शर्माली 'भाषागानमंजरी' एक अतिविशिष्ट साहित्य भांडार तं. जाल्यार हाजान कांय जायना. भासेंतु साहित्य आनीकय जांवका जावनु आसा. भासेक साहित्य ना म्होणु रडले निमित्तीं कांय प्रयोजन ना. आतां अतिविशाल साहित्य आशिल्ले भासेंचे साहित्याचीय स्थिति एक कालाक येंचि प्रकारीं तं आशिल्ली म्होण आमकां उडगास जांवका. खंच्चे भासेक जाल्यारीय साहित्य छट जावनु मळबार थाकून येवनु पळ्ळेंना. बाकी सर्व कार्यांतूय जावंका जालेलेवरीच ये कार्यांतूंय मनुष्यालो प्रयत्नु जावंका. विशाल साहित्य आशिल्ले अन्य भासेंचें साहित्य होड कोरनु हाडूक आनीकय तांतूले जन अतीव प्रयत्नु पावनु येताय. आमी साहित्य ना ना म्होण सांगून आळसायेन बेसल्याय. साहित्य निर्माणाक जांवका जालेली बुद्धीय शक्तीय वैभवय आशिल्ले युवजन आमगेल्यांतु अपूर्व न्हय. तांचे लागी आमी विनीत प्रार्थना करताय धैर्यान मुकारि येवनु साहित्य देवीली पूजा कराय म्होणु, सत्साहित्य उत्पादन कोरूक श्रमु पांवाय म्होणु. मलबारी, अंग्रेजी, हिंदी आदी भासो शिकूक आमी काडचे प्रयत्नाचो शतवांट्यांतु एकु वांटो श्रमु पुणेय आमगेले मातृभाषा पोषणार्थ आमी पांवनाय जाल्यारी ताजे इतूलें लज्जावह वेगळें कांय आसा वे? अन्य भासेंतु अति विशिष्ट साहित्योपहारु कोरनु आमी ते भासेचे पायांकडे होड भक्तीन अर्पण केल्यारीय दुशेर्यांनी तें व्हय म्होणु दिवन्ना. उपराटें कसलोचि जाल्यारीय सानूच एक उपहारु आमगेले कोंकणी भाषादेवीचे चरणांकडे विनीत अर्पण केल्यारी तिका अति होडु संतोषूय आमकां होडु अनुग्रहूय आत्मसंतृप्तीय जातली.

ये प्रकारीं आमगेले भासेक न्यायु जावनु आशिल्लें पोषण दीवनु तिका उंचारि हाडल्यारि ये भासेचे जनपदांकय औन्नत्य मेळतलें म्हळ्ळेल्यांतु दोनि पक्ष जांवचाक न्यायु ना.

भासेचे खातीरि आशिल्लो आमगेलो यो श्रमु केवल तुस्सू कांडून हाता फोडु काडचे समान व्यर्थु म्होण म्होणचे जन अनेक आसतले. आमगेले ये श्रमान स्वल्प पुणेय तुस्सू कांडता जाल्यारि हाताचे फोड आमकां दुकी न्हय, आनंद तं दितले. आतंचे कालस्थितीक अच्चू मारनु सर्वालेय घरकडे हिका पेटोंवचाक आमी शक्त न्हय. तें दिकून आतां हीणे आशिल्लो थायु सोदून धोरनु, काण घेवनु वाचुन हिका अनुग्रहु दींवका म्होण आबालवृद्ध जनपदांचे लागी आमगेली विनीत प्रार्थना.

रायूल मल्यालें पडवळें

(कोंकणी हातबरपा मासिकेचे प्रथम दळांतु 'रामु' म्हळ्ळेले लिखणी नांवांन बरयलेली काणि)

रायूल माल्लो तिरुमण्णूर गांवांतुलो भारी एकु गृहस्थु तं. होडु दैवभक्तु. न्हावनु नाम संध्या नमस्कार जावनातीलें शेळ उदाक सरीय देवोवना. घरकडे बायल आनी दोग जाण चेरडूवां तं आसाय. जाल्यारीय वासरेंतु दिसाक दोन चारी फारे ओरोव रांदता. अतिथि सत्कारांतु मल्याक होडी तान तं. कोण आयल्यारीय तांका न्हांवचा न्हेसूक, जेंवचा खांवचाक सर्व सुलभ. होडु सानु म्हळ्ळोलो भेदु कांय मल्याक ना.

श्रावण मासांतुलो शेनवारु. सुत्तां पुनवेचो प्रथमलो दीसु. सकाळीं धा वरां जालीं. पावसु वारें कांय ना. रायूल मल्याथंय परगांवचे अतिथि अनेक. सगटांलींय न्हाणां जालीं. नाम संध्येक तयार जाले. तावळी पावलो एकु

परकिष्टु वाटे वाडसूरु दांवदर कम्मती. तो येवनु भायर बेसोलो दिकून लागीच भृत्यांनी ताकाय न्हांवचाक सांगीलें. न्हावनु येंवचानीक न्हेसू दिंवचाक वस्त्र ना दिकून मल्यान होगी पेटां थाकून एक पडवळें काणु अति संतोषान ताका न्हेसूक दिलें. दांवदर कम्मतीन दिकिल्लें आसा वे पडवळें पीतांबर? ताणे तें कशी कीं कुरटाक वेडायलें आनी संध्या कोरचे निब्बान ते खातडीचे मुल्याक सोरनु बेसूक प्रारंभु घालता दिकूनीक रायूल मल्याले पोटांतु धा पांच जांवचाक आरांबिलें. तागेलो संतोष सग निमिष भितरि गेलो. अतिथि न वें? कांय सांगूचें जायना. म्हळ्यारि अमूल्य पडवळें, तो थांगा खातडींतु बेसोलो जाल्यारि तें तयमाड जातलें. लागीच भृत्यु रामाक उळदून माणाय व्होरनु दवरूक कानांतु सांगीलें. रामान माणाय व्होरनु बेसूक दिली. माल्लो जपाकय बेसोलो. जाल्यारि मन ध्यानारि लागना. खंयीय तो पडवळें घेवनु भुंयचेर बेसोलो जाल्यारी? संध्या कोरचे वेळार ताजेरि उदाक घालें जाल्यारी? दीवनु जालें न वें ताका पडवळें? माल्याचे मनांतु योचि विचारू. पडवळें दिलेलेंचि कष्टारि पळ्ळें. ध्यानाक विघ्न येता. मनाक समाधान ना. लागीच मल्यान रामाक उळदून नुतोच सांगीलें, 'राम्मा, ते दांवदर कम्मतीक चोंवका. ताणे खंय सग बेसून पडवळें ना कोरनयें. तूं एकि चांगि माणाय घेवनु नुतोच चोवनूच राबूका. तो खंय बेस्सता जाल्यारी लागीच माणाय व्होरनु दींवका'.

यें तं म्हण्टाय 'पडवळें दीवनु माणाय घेवनु भोंवप' म्होणु. इतलेंच चांग एक म्हण्णें येचि अर्थारि वेगळे भासेंतु आसा वे?

हे भावंडानूं !

लोकून लोकून संत आजी खंतय
वत्ताय भावंडानूं! राब्बाय, चोय्याय

आदर्श कस्सलीं तुमगेलीं सांगाय
एकेक पावलय समजून दवराय
उड्डूनु मुकारि वता आजी लोकु
शेंडता वाटेरी लोकांत अशक्तु
काडाय मुकारि धांवचाक यत्नु
जोडाय बळ आजि आळसाय सोणु
एकमेळि म्हळ्ळेली ती होडी दोरी
मेळूक संकष्ट जनांक भारी
मेळ्ळ्यारि ती पूरो घुंवडांवचाक आजी
खाल ऊंच त्रैलोक, जोडाय ती होगी
भावींतु कुद्दूनु उड्डूनु वचाय
घूवनु एक भूतांतु दृष्टीय सोडाय
भोगल्ले कालाचे भासुर कांतीतु
उज्वल जावनु जोळो भावीची वाती
आळसाय सोडाय, वैराग्य विसराय
हाताक धोरनु हातु मुकारी चमकाय
प्रेमान परसाय, स्नेहान चोय्याय
प्रेमस्वरूपाक पोटोवनु धराय

('विजय' म्हळ्ळेले लिखणे नावान बरयलेली ही कविता 1120 मिथुन-कर्कड जोड दळांत आयली)



जी. कमलम्माळ (1902-1983)

तिरुवल्ला गांवच्या नेडुंपळ्ळी गोविन्द शेणै- सत्यभामा दंपतीली धूव कमलम्माळ 25-2-1902 दिसा जन्मली. शाळेंत शिकता आसतना इकरा वर्सा प्रायेचेर अम्बलपुषा सुबराय पै हांचेकडे तिचो विवाह जालो. शिकवण थांबली तरीय तीणे वाचन चालू दवरलें. तांतूच थाकून तिका बरोवपाचीय तान लागली. वाचूकय बरोंवूकय जाय ते पुस्तक तिका तिगेले बापाकडचान मेळ्ळे, आनी प्रोत्साहूय मेळ्ळो. पयलीं तीणे मलयाळमांत एक काणी बरयली- सुशीलन. ताचे प्रकाशनानंतर मागीर कोंकणीन रचना आरांभिली. तीणे ते भितर पारायण केलेले साबार पुराण ग्रंथांचो आनी कोंकणी खण्डकाव्य 'वेंकटेश कल्याण' हाचो बरोच प्रभाव तिचेर पडलोलो. तशी 1930 वर्सा रघुरामायण महाकाव्याचो प्रथम खंड 'बाल कांड' उजवाडाक आयलो. तेच वेळार तीणे रचलेल्यो कांय इतर कृतीय पुस्तक रूपान प्रकाशित जाल्यो. मलयाळम् 'वंचीप्पाटू' धाटीर रचिल्ले 'पात्रचरितम्' हे कृतींत कृष्णलीलेचे इतर चार गींत लागेन अशिल्ले. मागीर एक दशकान तीणे संपूर्ण 'रघुरामायण' बरोवन काडलें तरीय तें प्रकाशन जालेलें 1981 वर्सा मात्र. 'दोनि मित्रां' म्हूण एक बालकविताय तीणे रचिल्या. 1962 वर्सा हांगेलो बामूण निधन जालो. तिका दोग पूत आनी एक धूव.

1978 वर्सा कोचींत घडयलेल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशद अधिवेशनांत हांचो भोवमान जालो. केरळांतुले आद्यकाल कोंकणी बरोवप्या मदें स्वकीय कृति नागरी लिपीन पूर्ण स्वरूपान प्रकाशित जाता दिकूक भाग्य मेळ्ळेली एकमात्र भाग्यवती म्हळ्यार श्रीमती कमलम्माळ! हाचें यश

श्री. पय्यनूर रमेष पै ह्या तरनाट्याक आनी केरळ कोंकणी अकादमी हे संस्थेक फाव. तशी संतृप्त मनान 2-7-1983 दिसा तिचो स्वर्गवास जालो.

रघुरामायण - बालकांड

। अध्यायः 1 - पुत्रकामेष्टि ।

श्रीवेणुगोपबाल श्रीहरिगोविन्दा
श्रीवत्सभूषा विष्णो लक्ष्मी भूमिकांता
श्रीपत्मनाभदेव इन्द्रादिवन्दिता
श्रीपादाम्बुज तुगेलें संततम् नमामी
प्रक्काट महाक्षेत्रांतु वासु केल्ला तुमी
ताजे समीपदेशे वासु करताय आमी
तुगेलें चरण नित्य सेवा करताय आमी
आमचेरी दया पावनु रक्षण कोरका स्वामी
वाल्मीकी वेदव्यास महर्षीश्वरांकयी
ब्रह्म महेश्वर इन्द्रादि देवांकयी
रुद्राणी सरस्वती लक्ष्मी भगवती
विघ्नविनायकांकयी संततम् नमामी
सत्गुरु वेदव्यास शिष्यांतु उत्तमु
काशीमठाधिपती स्वामियांतु प्रधानु
सुकृतींद्रतीर्थ स्वामी गुरूले चरण
भक्तीन करताय आमी मनसा पूजन
श्री पत्मनाभ तुगेले चरित्र वर्णन
भक्ति तुजेरी जांवचा लोकांतु प्रधान
इहलोकाक दुःख संताप नाशन

पुत्र मित्र कळत्र संपत्त वर्धन
वेदोद्धारण कोरूक जालो मत्स्यरूपी
क्षीरांबुधी मथन कोरचे ते वेळारी
मंदरोद्धारण कोरू जालो कूर्मरूपी
भूमी उद्धारण कोरूक वराहस्वरूपी
हिरण्यकशिपाक संहार कोरूनू
प्रह्लादभक्ता रक्षेक नरसिंहरूपी
इन्द्रादिदेवां जालेले संकष्ट कारण
बलिध्वंसन कोरूक जालो वामनरूपी
क्षत्रियवीरां नाशु कोरूक भार्गवरामु
रावणनाशु कोरू जालो रघुरामु
कंसादि दुष्टां नाशु कोरूक गोविन्दु
यादव वंशां येवनु जालो वासुदेवु
बुद्ध कल्की अवतारु ये कलियुगांतु
जावनु प्रळयकाला नाशु सर्वय कोरूनु
जलाशयांतु वटपत्राचेरी पोणु
निद्रा करतल्लें बालस्वरूपम् नमामी
रामनामोच्चारण सायाह्न कालारी
देवऋषि ब्राह्मण स्मरण करतायी
श्रीरामदेवा पादपंकजम् नमामी
श्रीरामदेवदूतम् मनसा स्मरामी
पूर्वकालाक जालो कोसल देशांतु
सूर्यवंशाचो रायु अयोध्यानगरांतु
सूर्यप्रभा कांतीन दशरथु राजेन्द्रु

इन्द्रसमान वासु कोरून राबतल्लो जालो
विष्णुभक्तांतु मुख्य दशरथु राजेन्द्रु
दानधर्म कृत्यान भुवन प्रसिद्धु
अस्त्रशस्त्रविद्येन जगत्रयवीरु
रूपकांतीन कामदेवाक समानु
कौसल्या कैकेयी सुमित्रा इत्यादी
नारी रत्नांक ताणे पाणिग्रहण केलें
पत्मसंभवपुत्र गुरु कारुण्यान
नीतिधर्मान राज्यपालन कोरतल्लो जालो
कौसल्यादेवी मुख्य वल्लभासमेत
सूर्यवंशांतु वीरु दशरथु राजेन्द्रु
इन्द्रादिदेवा युद्धां सहायु कोरुनु
अयोध्यानगरां वासु कोरून राबतल्लो जालो
दशरथ राजेन्द्राले भरण कालाक
दुःखदारिद्र कष्ट राज्या नातील्ले गेले
राज्यवासी जनांचें मन संतोषलें
राजभक्ति विश्वासु सर्वय जनांक जालो
पुत्रसंतती नातीले कारण पासूनु
धरणीपालका अति संतापलें मन
वसिष्ट गुरू लागी अति परितापान
दशरथ राजेन्द्रान सांगीलें कारण
राजवचन आयकूनु गुरु ते वेळारी
पुत्रकामेष्टी यागु कोरका म्हणतलो जालो
ब्राह्मण ऋषेश्वर सर्वय ते वेळा पावले

ऋश्यसृंगाक हाणु यागु करतल्ले जाले
वसिष्ट भरद्वाज महर्षीश्वरानी
मंत्रोच्चारण केलें सांगिल्ले प्रमाणी
मंत्रशक्तीन ते वेळा यागु जालो होड्डु
अग्निकुंडांतु थाकूनु आयलो अग्निदेवु
अग्नितुल्य प्रकाशान हातांतु धरशिलें
अग्निदेवान क्षीरपायस भाजन
राजेन्द्रा हातां अग्निदेवु दितोलो जालो
यागकुंडांतु अग्नि अंतरधान जालो
ऋश्यसृंगाले कल्पनेन राजेन्द्रान
कौसल्या देवी भागु कोरून दितोलो जालो
कैकेयी देवी भागु दिल्ले त्या उपरी
पायसपात्र अग्नीं अंतरधान जालें
दशरथराजाक ते वेळा अंतस्तापु जालो
कौसल्या कैकेयी दोग्गयी ते वेळारी
कार्यनिवृत्ती आमी कोरूं म्हणतल्लीं जालीं
सुमित्रादेवी लागी अति संतोषु पावली
कौसल्या कैकेयी दोग्गयी मेळवुनी
सुमित्रादेवी लागी संतोष भरितान
अर्धांशुभागु दोगे जाणानी तिका दिलो
देकूनु दशरथाचे मनां संतोषु जालो.
तेगय जाणानी केलें पायस भोजन
वज्रखचितां केलेले स्वर्णविभूषण
गोवत्स स्वर्णपात्र वस्त्र नवधान्य

विप्रश्रेष्टांक दान केलें राजेन्द्रान
यागु संपूर्ण जालो शोभेन त्या वरी
गर्भु उत्पन्न जालो राणियां ते वेळारी
विप्र भोजन केलें राजान त्या उपरी
ब्राह्मण ऋशेश्वर सर्वय ते कालारी
दशरथ राजालागी संतोष वचनान
यात्रा सांगूनु ते वेळा गेले निज स्थानी
दशरथ राजेन्द्रान अति संतोषान
गर्भकालाक कोरचे कृत्य सर्वय केले
सीमंत पुंसवन सर्वय ते कालारी
धरणी पालान ते वेळा केले त्या उपरी
गर्भरक्षेक देवापूजन कोरतोलो जालो
असंख्य रत्न विप्रां दान दितोलो जालो
श्रीहरी जगन्नाथ श्रीदेवी रमणा
श्रीवत्स पीतांबर कुंडल भूषणा
श्रीवासांबुज दल सन्निभ लोचना
वैकुंठपुरवासा स्वामी श्री वैकुंठा

अध्याय 2 - श्रीरामवतार

मित्रवंशकुलोत्भव दशरथराजान
पुत्रकामेष्टी यागु केले त्या उपरी
राजगुरूकय अतिसंतोषलें मन
राजप्रियांक गर्भु जालो संपूर्ण
राजराजेन्द्रु ते वेळा अतिसंतोषान
विघ्नविनायकाक पूजन कोरतलो जालो

विघ्ननिवारण कोरका म्होणु सांगतलो जालो
दुर्गा भगवतीकय सेवा कोरतलो जालो
नक्षत्र पुनर्वसु चित्तिर मासांतु
तिथि नवमी जालेले मध्याह्न दिवसांतु
इंद्रपुरी समान अयोध्या नगरांतु
कौसल्या देवी देहा वेदना पांवतली जाली
अर्क चंद्रादिग्रह सर्वय ते वेळारी
चूकिनातीले त्याशी शुभस्थानाचेरी
पंकजासन कल्पनेन ते वेळारी
स्थिति करतले जाले सर्वय ते कालारी
भक्तजनवत्सल विष्णु ते वेळारी
भक्तां रक्षण कोरू गोविन्दु दुष्टारी
शंखचक्राब्जगदा पीतांबरधारी
कौसल्या देवी पुत्रु जालो ते कालारी
हारकौस्तुभमणि कुंडलकिरीट
श्रीवत्स पीतांबर कंकण भूषण
शंखचक्राब्जगदा धरशिले पाणी
शंका विहीन देवीन देकीलें त्यावरी
अयिशे वैष्णवरूप देकूनु ते वेळारी
कौसल्यादेवी ते वेळा मनां आनंदु पावली
विष्णु पादारी राणी वेगान पडतली जाली
विष्णुस्तुती कौसल्यादेवी करतली जाली

- **शरणं शरणं रीती**

विश्वनाथ जगत्पते विभो

विश्वपालक कामदायक
विश्वरक्षण कोरू तावक
पादपत्मद्वयम् नमाम्यहम्
-लक्ष्मिनाथा पाहिमां, भूमिनाथा
मित्रवंशकुलोत्भव विभो
मित्रतुल्य कलेबर तव
रूपदर्शन कारणा मम
जन्मसाफल्य धन्यहम् स्वामी
– लक्ष्मिनाथा पाहिमां, भूमिनाथा
शक्ररुद्र विरिंच सेवित
चक्रपाणी नमोस्तुते स्वामी
शक्रम् सादर पाहिमां तव
पादपत्मद्वयम् नमाम्यहम्
-लक्ष्मिनाथा पाहिमां, भूमिनाथा

अयिशे स्तुति कौसल्या कोरू ते वेळारी
विश्वरूप उपेक्षा कोरका म्हणतली जाली
बालस्वरूप तूवें धोरका म्हणतली जाली
कौसल्यादेवी लागी विष्णु बोलाविला
पूर्वजन्मांतु तुमी काश्यपु अदिती
दोगय जाणानी ते वेळा केलें विष्णुध्यान
क्षुत्पिपासादी सर्वय उपेक्षा कोरनु
विष्णूक भक्तीन केलें तपस कठीन
अयिशे तपस दिकूनु विष्णु ते वेळारी
अति संतोषु पावनु तुमचे सन्निधीरी

विश्वरूपान ते वेळा सुप्रसन्न जालो
वैष्णवरूप तुमी देकूनु त्या वरी
विष्णुस्तुति भक्तीन तुमी करतलीं जालीं
विष्णु आमगेलो पुत्रु जावंका म्हणतलीं जालीं
अयिशे वचन आयकूनु विष्णु ते वेळारी
इच्छा तुमगेली साध्य कोरूं म्हणतलो जालो
तेंची कारण तुमी दोगंय ये कालारी
दशरथु कौसल्या जाल्या भूमिचेरी
पुत्रकामेष्टी यागु केला ते वेळारी
पुत्रु तुगेलो जालो अहम् ये कालारी
दशमुख राक्षसु उत्भवु कारण
भूमी देवी ते वेळां भारी कष्ट पावली
गोरूप घेवनु सत्यलोका वतली जाली
ब्रह्मालागी वृतांत सर्वय सांगतली जाली
भूमी देवीलें वचन आयकूनु चतुर्मुखु
देवऋषी ब्राह्मण सर्वय मेळवूनु
क्षीरसागरां विष्णुसन्निधीरी येवनु
विष्णुस्तुति भक्तीन कोरूं सांगतले जाले
ब्रह्मादिदेवांलागी विष्णु बोलाविला
भूमिप्रसिद्धि पांवचे अयोध्या नगरांतु
दशरथ राजेन्द्रालो पुत्रु अहम् जाता
दशमुख राक्षसांक सर्वय नाशु करता
ब्रह्मादिदेव तुमी सर्वय ते वेळारी
भूमीरी कपिवेषान जावंका म्हणतलो जालो

देव समस्तय विष्णुवचन आयकूनु
संतोषु पावनु ते वेळा गेले निजस्थानी
तेंची कारण तुगेलो पुत्रु अहम् जाला
विश्वासु पांवचा विश्वरूप तें दाकयलें
अयिशे वचन सांगूनु विष्णु ते वेळारी
बालस्वरूप घेवनु रोदन करतलो जालो
श्रीरामभक्तु जावनु पुष्यनक्षत्रारी
कैकेयिपुत्रु जालो भरतकुमारु
सुमित्रे जाले ते वेळां लक्ष्मणशत्रुघ्न
गुरु सहित पावलो दशरथु राजेन्द्र
भेरी दुंदुभी मुख्यवाद्य वाजयलें
जातकाला कोरचें कृत्य सर्वय केलें
गोवस्त्र भूषण मुख्यदान ते वेळां केलें
भूमिदेवां समस्तां मन संतोषलें
दशरथ राजधानीं बालार्क प्रकाशु
भेरी दुंदुभी वाद्य वाजिलो आघोषु
रावण कुंभकर्ण दुष्टां पावला नाशु
म्हणवूनु देवेन्द्रालो मनांतु संतोषु
उर्वशी मुख्य स्वर्गस्त्रीयो ते वेळारी
वाद्य नाट्य गायन केलें ते कालारी
शंखदुंदुभी मुख्य वाजयली भेरी
दशरथराजधानीं केली पुष्पमारी
भार्या पुत्र समेत राजेन्द्रु ते कालारी
पुत्रा नक्षत्र होमु केलो ते वेळारी

दानधर्मादिकृत्य केलें त्या उपरी
द्वयसंवत्सर रामा जाले ते कालारी
राजपत्नी कौसल्यादेवी ते वेळारी
एकु दिवसु नवरत्नासनावेरी
दासी सहित येवनु रात्री समयारी
रामदेवाक घेवनु भायर बेसतली जाली
पूर्णचन्द्रा उदयु जालो ते वेळारी
चन्द्रिका येवनु व्यापली भूमीचेरी
वायुसंचारु पावलो समस्तय दिकारी
पुष्पसौरभ्य व्यापलें ते कालारी
भूपतिपुत्रु रामदेवु ते वेळारी
पुष्पलतादि सर्वय दर्शन कोरतलो जालो
पूर्णचंद्राक रामान देकून त्यावरी
देवदेवेशु ते वेळां रोदन कोरतलो जालो
पूर्णचंद्राक हाणु दींवका म्हणतलो जालो
रोदन आयकून राणी मनां व्याकुल पावली
गुरु सहित राजेन्द्रु ते वेळारी पावलो
श्रीरामरोदन कारण आयकूनु राजेन्द्रु
वसिष्टगुरू लागी कारण सांगतलो जालो
पत्मसंभवुपुत्रु गुरु ते वेळारी
वज्र हाडोवनु रामा हातां दितलो जालो
वज्रदर्पण रामान पळयिले निमिषांतु
चंद्रबिंबसमान पळयिलें मुखाब्ज
चंद्रबिंबाननान कौसल्या जननीकय

नक्षत्रमंडली मद्दें नक्षत्रनाथाकय
देकूनु रामदेवा मन संतोषलें
अयिशे लीला गुणानी दशरथ कुमारु
लक्ष्मणु रामदेवु दोगंय मेळविले
पायस माहात्म्यान भरत शत्रुघ्नयीं
अस्त्रशस्त्रादि धनुविद्याभ्यासु केलो
कौसल्यादेवी पुत्रु सोदर समेत
गुरुदक्षिणा कोरतोलो जालो ते वेळारी
कौसल्या पुत्रु श्रीरामान ते कालारी
विल्लाळिवीरु म्हळ्ळेलें नांव धारण केलें
भूपति पादस्पर्श जालेले मात्रान
भूमि ते वेळां फलपुष्टी पांवतली जाली
श्रीपति गोविन्दाले अवतारु कारण
श्रीदेवी कोसल देशांवासु करतली जाली
श्रीरघुनाथा जयश्रीपते गोविन्दा
श्रीवासांबुजनेत्र भूमिपालपुत्रा
हारकुंडल रत्नविभूषण गात्रा
श्रीरामचंद्र रघुनायक नमस्ते.

अध्याय 3 - यागरक्षा

भूमिपालान पुत्रसहित वासु केला
भूमिदेवी मनां अतिसंतोषु जाला
विश्वामित्रु मामुनीन्द्रु ते वेळा आयला
भूमिपाला देकूनु बोलू लागला

-श्रीरामचंद्रा

विश्वामित्रा पूजन केलें राजेन्द्रान
रत्नपीठाचेरी बेसयलो शोभेन
भार्यासहित अर्घ्यपाद्यादि पूजन
अतिसंतोषान सांगीलें वचन - श्री-
त्वत्पादतीर्थ आमी धरशिले कारण
भार्यापुत्र सहित आमी जाल्यां धन्य
मामुनीन्द्रा सांग आयिल्लो कारण
विश्वामित्रान ते वेळां सांगीलें वचन - श्री-
मारीचु सुबाहु राक्षस कारण
भूदेवा समस्तां जालें यागविघ्न
यागुरक्षा कोरचे कारण सांगतलो जालो
रामलक्ष्मणांक वरण कोरतलो जालो - श्री-
विश्वामित्रवाक्य आयकूनु राजेन्द्राक
मनां व्याकुल पावलें कौसल्या जननीकय
राक्षसांक नाशु कोरू ये कालाक
कयिशो प्राप्ति जायत रामलक्ष्मणांक - श्री-
राजवचन आयकूनु गुरु ते वेळारी
रामावतारकारण सर्वय सांगतलो जालो
राक्षसांक नाशु कोरूक गोविन्दु
ब्रह्माले प्रार्थनेन जालो रामदेवु - श्री-
लक्ष्मणकुमारु जालो पन्नगेन्द्रु
भरतशत्रुघ्न जाले शंखचक्र
गुरुवचन आयकूनु दशरथु राजेन्द्रु
यागुरक्षण कोरू पावांय म्हणतलो जालो- श्री-

तातवचन आयकूनु वेगान रामदेवु
लक्ष्मण समेत ते वेळां भायर सरलो
चापबाणादि अस्त्र सर्वय काडतलो जालो
गुरुपादावेरी नमस्कारु केलो- श्री-
दशरथकुमारा वसिष्ट गुरून
आलिंगन कोरून आशीर्वाद केलो
दशरथ कौसल्या मातृजनांकय
वन्दन कोरून रामदेवु भायर सरलो- श्री-
रामलक्ष्मण सहित कौशिकु भायर सरलो
वेगान चालून घोरारण्यां प्रवेशलो
उपवासकारण दशरथकुमार
देहा क्षीण पावलें रामलक्ष्मणांक - श्री-
अयिशे कारण देकूनु कौशिकमुनीन्द्रु
मंत्रोपदेश राजपुत्रां कोरतलो जालो
बल अतिबल मंत्र शिकतले जाले
क्षुद्पिपासादि शत्रू जय पांवतले जाले - श्री-
ताटकारण्यांतु पावले त्या उपरी
ताटका राक्षसी देकील्या त्यावेरी
विश्वामित्रु ते वेळां ताटका वृत्तांत
सर्वय सांगतलो जालो रामलक्ष्मणांक - श्री-
रामदेवु ते वेळां चापशब्दु कोर्तोलो जालो
आयकूनु भीति पावली ताटका राक्षसी
वृक्षशिखर ते वेळां हातां काडतली जाली
गर्जन कोरून रामसन्निधीरि पावली - श्री-

रामदेवु विश्वामित्राले वचनारी
बाणु सोडतलो जालो वक्षप्रदेशारी
रामबाणु लागून ताटका राक्षसी
मृत्यु पावनु पडतली जाली भूमीवेरी - श्री-
रामदेवान ते वेळां देकीलें विचित्र
कामपत्नी जयु पांवचें यक्षिरूप
रामदेवा स्तुति केले त्या उपरी
देवलोकां वतली जाली ते वेळारी - श्री-
रामलक्ष्मणु सहित कौशिक मुनीन्द्रु
वेगान चालूनु पावलो तापसाश्रमांतु
भूदेवां समस्तां श्रीरामचन्द्रान
नमस्कारु केलो लक्ष्मणसमेत - श्री-
विप्रश्रेष्टां लागी दशरथकुमारु
यागारंभु कोरू ते वेळां सांगतलो जालो
भूमिदेव सर्वय यागु करतले जाले
मारीचु सुबाहु सैन्य सहित पावले - श्री-
यागकुंडां रक्तवृष्टि करतले जाले
रामचन्द्रु ते वेळां बाणु सोडतलो जालो
रामबाणु लागूनु सुबाहु राक्षसु
सैन्य सहित अर्कपुत्राले नगरां पावले - श्री-
अयिशे कारण देकूनु मारीचराक्षसु
मनां भीती पावनु धावलो त्या उपरी
रामबाणूय लागी पावला ते वेळारी
रामालागी वेगान पावलो सुरवैरी - श्री-

श्रीरामपादाब्ज धरिले मारीचान
रामदेवा स्तुति केली राक्षसान
ताजे जीवरक्षण केलें श्रीरामान
यात्रा सांगून गेलो मारीचु भक्तीन - श्री-
राक्षसांक नाशु पावले त्या उपरी
यागु पूर्ती केलो समस्तय विप्रानी
भूमिदेव सर्वय रामलक्ष्मणांक
आशिर्वादु दितल्ले जाले ते कालारी - श्री-
रामलक्ष्मण सहित कौशिकु भायर सरलो
वेगान गंगा तीरालागी प्रवेशलो
गौतमाश्रम ते वेळां देकीलें शोभेन
शिलारूपदर्शन केलें श्रीरामान - श्री-
शिलाविग्रह रामान देकूनु त्या वेरी
विश्वामित्रा लागी निमगीलें ते वेळारी
गौतमपत्नी शापकारण ते कालारी
सर्वय सांगतलो जालो कौशिकु मामुनी - श्री-
रामपाद स्पर्शन पापमोचन
विश्वामित्र वचन आयकूनु श्रीरामान
शिलारूपाचेरी दवरलें पदाब्ज
गौतमपत्नी दर्शन केलें गोविन्दान - श्री-
रामोहम् म्होणु रामदेवु सांगतलो जालो
वेगान गौतमपत्नी वन्दन करतलो जालो
लक्ष्मणसोदर सहित श्रीरामाक
देकूनु संतोषलें मन अहल्येक - श्री-

पत्मसंभव पुत्रि अहल्या देवीन
गौतमवाक्य ते वेळां करिलें स्मरण
रामदेवा स्तुति भक्तीन कोरनु
नमस्कारु केलो गौतमपत्नीन - श्री-
रामचंद्र स्तुति केले त्या उपरी
गौतमतापसपत्नी ते कालारी
रामचंद्र कल्पनेन ते वेळारी
यात्रा सांगूनु गेली भर्तृसन्निधीरी - श्री-
विश्वामित्रु रामलक्ष्मण समेत
वेगान पावलो मिथिला राज्यां ते वेळारी
गुरुसहित जनकराजान त्या वेरी
विश्वामित्र दर्शन केलें ते वेळारी - श्री-
विश्वामित्र पूजन केलें त्या उपरी
कौशिका बेसयलो रत्नपीठावेरी
रामलक्ष्मण सहित कौशिक मामुनी
स्नान भोजन कोरतोलो जालो ते वेळारी - श्री-
श्रीरघुनाथ जय श्रीपते गोविन्दा
श्रीवासांबुजनेत्रा भूमिपालपुत्रा
हारकुंडल रत्नविभूषित गात्रा
श्रीरामचन्द्र रघुनायका नमस्ते - श्री-

अध्याय 4 - सीतास्वयंवर

चंद्रवंशकुलोत्भव जनकराजेन्द्रान
विश्वामित्रा भक्तीन करिलें पूजन
श्रीरामलक्ष्णांक देकून संतोषान

विश्वामित्राचे लागी बोलीलें वचन
कोटी बालार्क कांती पांवचे ये कुमार
हारकुंडल रत्नकंकण शोभित
चापबाण तुणीर पीतांबर धरशिले
दोगय कुमार खंचे कौशिक मुनीन्द्रा
जनकराजेन्द्रा लागी कौशिकु बोलावीला
सत्यवचन आयक विदेहराजेन्द्रा
मित्रवंशकुलोत्भव दशरथ राजेन्द्रु
पुत्र तागेले राम लक्ष्मण कुमार
यागरक्षण कारण सर्वय सांगतलो जालो
अहल्या शापमोक्ष वृत्तांत समस्तय
आयकून जनकराजा संतोषलें मन
अहल्या देवीपुत्र्य मनां आनन्द पावलो
रामलक्ष्मण सहित कौशिक मुनीन्द्रु
सभा मंडपां प्रवेशले ते वेळारी
विवाह मंडपा मद्दें रत्नासना वेरी
भूमिपालांक दर्शन केले ते वेळारी
मेट मणिमाळिका विचित्र पागार
अग्नितुल्य कांतीन कांचन गोपुर
भोजनशाला सर्वय कीर्तन मंडप
असंख्य रत्नदीप विचित्र शोभेन
जनकराजेन्द्रु दूतां कल्पना कोर्तोलो जालो
कालांतका धोणू हाडाय म्हणतोलो जालो
पांच सहस्त्र दूत सर्वय मेळाविले

हुंकार शब्दान धनुरत्न हाडतले जाले
भूमिपालकां लागी विदेह राजेन्द्रु
सीतादेवी वृत्तांत सर्वय सांगतलो जालो
चापभंजन कोरचो कोण तो पुरुषु
सीता पाणिग्रहण कराय म्हणतलो जालो
जनक वचन आयकून सर्वय भूपालांक
सीता देवीर आशा पावली ते वेळारी
चापभंजन कोरू भारी यत्न पावले
इच्छा भंगान निजस्थलां वतले जाले
श्रीरामदेव विश्वामित्राले वचनारी
चापभंजन कोरू ते वेळां भायर सरलो
दशरथ कौसल्यादी मातृजनांकय
गुरुचरणांबुजय वंदन करतलो जालो
अर्कतुल्य प्रकाशान दशरथकुमारु
कौसल्यपुत्रु रामदेवु ते वेळारी
वंदन कोरून धनुरत्न काडतलो जालो
निष्प्रयास चापभंजन करतलो जालो
मिथिला राज्याक ते वेळां जालोलो आघोषु
आदिशेषाकय वर्णन करूक प्रयासु
भेरी दुंदुभी मुख्य वाजीले आघोषु
सीतादेवीकय जालो मनांतु संतोषु
इन्द्रादिदेवां सर्वां मन संतोषलें
श्रीरामदेवा पुष्पवृष्टी करतले जाले
भूमिपालकां मनां अतिसंतोषु जालो

भूमिदेवां समस्तां मन संतोषलें
कैलासपर्वतारी श्री पार्वती देवी
रामकथा श्रवण कोरचे ते वेळारी
चापध्वनी आयकून मनां भीति पावली
भर्ता लागी निमगून जाण जातली जाली
श्रीरामविवाहाचें वृत्तांत आयकून
रामदर्शन आमकां घेवंका म्हणतली जाली
भार्यासहित रुद्रु वृषभारूढ जालो
भूतवृंद सहित वेगान भायर सरलो
श्रीमहादेव पुत्रु विघ्नविनायकु
मूषिक वाहनारूढ जालो ते वेळारी
भूतवृंद सर्वय चालीले मुकारी
वेगान येवनु पावले आकाशमंडलारी
ब्रह्मादि देव सर्वय वेगान ते वेळारी
भार्यासहित निज वाहनारूढ जाले
आकाशमंडला वेरी भरितप जाले
रामदेवा भक्तीन स्तुति करतले जाले
विष्णु परमभक्तु जिष्णु ते वेळारी
श्रीरामदेवा दिवंचा रत्नविभूषण
सुगंधकुसुम माला दिव्य पीतांबर
स्वर्ण ताटांत काडतलो जालो ते वेळारी
वायुदेवाक आपोवनु कारण सांगतलो जालो
रत्नविभूषण वायु लागी दितलो जालो
रामदेवाक दिवंचा कल्पना करतलो जालो

इन्द्रकल्पना घेवनु वायु भायर सरलो
वेगान पावलो रामदेवा सन्निधीरी
पुष्प सौरभ्य पावलें समस्तय दिकारी
रामलक्ष्मण दर्शन केलें ते वेळारी
रामदेवाक स्तुती केली त्या उपरी
वस्त्रविभूषण वायुदेवु ते कालारी
रामदेवाक दितलो जालो ते वेळारी
रामचरणांबुज वंदन करतलो जालो
यात्रा सांगून वायुदेवु वतलो जालो
अर्कबिंब समान श्रीरामकुमारु
वस्त्रभूषण अलंकारु करतलो जालो
सूर्यचंद्र कांतीन लक्ष्मण समेत
रामदेवु शोभला विवाह मंडपांतू
चंद्रबिंब कांतीन श्री जानकी देवी
वस्त्रभूषित जाली भूमिदेवी पुत्री
हारकुंडल रत्नविभूषित गात्री
रामदेवाक येवनु माळा घालतली जाली
दशरथपुत्रु रामदेवु ते वेळारी
वायुदेवान दिलेली माळा ते कालारी
सीतादेवीक घालतलो जालो ते वेळारी
भेरी दुंदुभी वाद्य वाजीले त्या वेरी
जनकराजेन्द्रु विश्वामित्रूय मेळविले
दशरथ राजेन्द्राक पत्रिका बरयली
असंख्य दूतां कल्पना दिली ते वेळारी

वेगान दूत कोसल देशां प्रवेशले
दशरथ राजेन्द्राक देकूनु ते वेळारी
पत्रिका दीवनु कारण सर्वय सांगतले जाले
श्रीरामविवाहाचें वृत्तांत आयकून
दशरथकौसल्येक संतोषलें मन
भार्यापुत्र सहित दशरथ राजेन्द्रु
रथावेरी बैसलो होडु परमानन्दु
पंकजोत्भवपुत्रु गुरु ते वेळारी
अरुंधतीदेवी सहित रथारूड जाले
राज्यवासी जन समस्तय ते वेळारी
राजपुत्र विवाहा वेगान भायर सरले.
वाद्यमेळाघोषान दशरथु राजेन्द्रु
मिथिला राज्यां पांवतलो जालो ते वेळारी
गौतमपुत्रु सहित विदेह राजेन्द्रु
दशरथराजाकादरु कोरून हाडतलो जालो
वसिष्टगुरु पाद्यपूजन करतलो जालो
श्रीरामदेवु ते वेळां लक्ष्मण समेत
दशरथ कौसल्यादी मातृ जनांकय
दशरथराजगुरु अरुंधती देवीकय
वेगान येवनु नमस्कारु कोरतलो जालो
भरतकुमारु ते वेळां शत्रुघ्न समेत
श्रीरामदेवा पादावेरी पडतलो जालो
लक्ष्मण भरतपुत्रा वंदन करतलो जालो
लक्ष्मणाक शत्रुघ्नान नमस्कारु केलो

वसिष्ट शतानन्दु कौशिक मेळवूनु
मुहूर्तु निश्चयु केलो दशरथ पुत्रांक
रत्नखचित स्तंभ तोरण शोभित
चित्रविचित्र जावनु करिले मांटव
वसिष्टगुरु शतानन्दूय मेळवून
मंत्रोच्चारण करले सांगीले प्रमाणान
चंद्रवंश कुलोत्भव जनक राजेन्द्रान
श्रीरामदेवा सीते कन्यादान केलें
ऊर्मिळे लक्ष्मणान पाणिग्रहण केलें
मांडवी श्रुतकीर्ती भरत शत्रुघ्नानय
पाणिग्रहण सर्वय केलें त्या उपरी
विप्रभोजन राजान केलें ते वेळारी
विप्र समस्तां दान दिलें त्या उपरी
भूमिदेव समस्तय रामलक्ष्मणांक
आशीर्वचन बोलूनु संतोषवचनान
यात्रा सांगूनु वतले जाले ते वेळारी
श्रीरघुनाथ जय श्रीपते गोविन्दा
श्रीवासांबुज नेत्रा भूमिपालपुत्रा
हारकुंडल रत्नविभूषित गात्रा
कौसल्या देवी पुत्रा स्मामी श्रीरामचन्द्रा

अध्याय 5 - अयोध्या प्रवेशन

पुत्रमित्र सहित दशरथ राजेन्द्रु
निजस्थलाक वचे ते वेळा भायर सरलो
कौसल्या देवी मुख्यवल्लभा समेत

जनकराजेन्द्रा लागी यात्रा सांगतलो जालो
अग्नि समान केलेले रत्नविभूषण
वायु वेगाक जयु पावंचे तुरगरथु
मरण भीति नातीले असंख्य कालाळ
सीतादेवी ते वेळां सोदरी समेत
जनकराजेन्द्रा पादावेरी पडतली जाली
तात वियोग दुःखान रोदन करतली जाली
होड परितापान यात्रा सांगतली जाली
जानकी देवी व्याकुल पावली ते कारण
जनकराजेन्द्रा अति संतापलें मन
जनकराजेन्द्रान ते वेळां करिलें रोदन
दशरथराजेन्द्रान सांगीलें वचन
कन्याक दान कोरचें जन्म कोटी पुण्य
अष्ठादशपुराणां सांगीले प्रमाण
नारीचापल्य आतां कयिशे कारण
धुवो तुमगेली आमचे पुत्रांक समान
अयिशे वचन आयकून जनकराजेन्द्रान
सीता धुवांलागी सांगीलें वचन
धर्मतत्वोपदेशु अति संतोषान
मामकपुत्री सीते आयक यें वचन
कौसल्यादेवी मुख्य मातृसमेत
अमरावतीपुरांतु इंद्राणी समान
भर्तृशुश्रूषा करून सोदरी समेत
भर्ता लागी क्षेमान वासु कराय तुमी

अयिशे वचन सांगून विदेह राजेन्द्रु
मनां संतोषु पावनु गेले त्या उपरीं
शिंगारु कोरून हाडलो सहस्र घोडेरथु
वेगान भायर सरलो दशरथकुमारु
कौसल्यादेविपुत्रु बैसिला रथारी
सीतादेवी बैसिली रामसन्निधीरी
लक्ष्मणसोदरान धरिले श्वेताश्चत्र
आलवट्ट चामर भरतशत्रुघ्नान
कैलास पर्वतारी श्री पार्वती देवी
सर्पभूषणालागी बैसले समान
चन्द्रतुल्या कांतीन सोदरी समेत
सीतादेवी बैसल्या रामसन्निधीरी
बालभास्कर बिंब अरुण समेत
पूर्वदिकारी ते वेळां उदेले समान
भरतलक्ष्मण मुख्य सोदर समेत
श्रीरामा रथावेरी देकून संतोषु
देवगुरु सहित इंद्रादि देवानी
श्रीरामदेवा आशीर्वचन सांगून
श्रीरामदेवा पुष्पवृष्टि करतले जाले
भक्तप्रियाकय ते वेळां अति संतोषु जालो
भेरी दुंदुभी वाद्य वाजीलो आघोषू
वीणाधर मामुनी कीर्तन आनन्दु
मामक पुत्रु सर्वय जगत्रय वीर
दशरथ कौसल्याकय मनांतु संतोषु

वीणापाणी नारद मामुनी त्या वेरी
वीणा गायन करतलो जालो ते वेळारी
श्रीरामदेवा स्तुति केले त्या उपरी
यात्रा सांगून गेलो भार्गव सन्निधीरी
नारदमूनी देकून भार्गव रामान
संतोषु पावनु ते वेळां सांगीलें वचन
खंचे प्रदेशां थाकूनु नारद मुनीन्द्रा
आगत जाला, सांग विशेष वृत्तांत
अयिशे वचन आयकून नारद मुनीन्द्रु
रामचंद्र वृत्तांत सर्वय सांगतलो जालो
सूर्यवंशाक जाला क्षत्रियकुमारु
दशरथराजपुत्रु धनुर्धरवीरु
घोर ताटका राक्षसीक नाशु केलो
राक्षसां नाशु कोरून यागु रक्षा केलो
रामदेवान शिवचाप भंजन केलें
जनकपुत्री सीतेक पाणिग्रहण केलें
दशरथराजपुत्रु श्रीरामकुमारु
रूपसौन्दर्यकांतीन बालार्क समान
अस्त्रशस्त्र विद्येन जगत्रयवीरु
श्रीरामदेवु सर्वय कार्यान बलवंतु
मिथिला राज्याक रामविवाह आघोषु
राज्यवासी जनांचे मनांतु संतोषु
भेरीदुंदुभी मुख्य वाजिल्लो आघोषु
देकूनु अहम् आयला भार्गवमुनीन्द्रा

अयिशे वचन सांगूनु नारदमुनीन्द्रु
भार्गवरामा लागी यात्रा सांगतलो जालो
वेगान रामदेवा सन्निधीरी पावलो
रामरथारी वीणागायन करतलो जालो
रामनामोच्चारण आयकिले मात्रान
कोपान युक्त जालो भार्गव मुनीन्द्रु
श्रीरामदेवु अल्पमनीषु म्हणवूनु
श्रीरामदेवा लागी युद्धा भायर सरलो
परशुरामान वेगान वलकल धारण केलें
परशु वैष्णवधनुरत्न ते वेळा काळ्ळें
युद्धसन्नद्ध जावनु वेगान भायर सरलो
श्रीरामयात्रा मार्गमध्ये प्रवेशलो
मिथिला राज्याक ते वेळां दशरथ राजेन्द्रु
भार्यासहित वेगान रथावेरी बैसलो
पत्नीसहित गुरूय रथारूढ जालो
वाद्यमेळाघोषान राजेन्द्रु भायर सरलो
राजाक जालें वामनेत्र चलन
मार्गमध्ये देकीलें सर्वय अपशकुन
दशरथ राजेन्द्रान अति परितापान
वसिष्ट गुरू लागी निमगीलें कारण
राजगुरून ते वेळा भार्गव वृत्तांत
राजराजेन्द्रा लागी सांगीलें वचन
परशुरामा आगम वृत्तांत आयकून
दशरथ राजा ते वेळां संतापलें मन

कौसल्यादेवी ते वेळां मनां भीती पावली
दशरथ राजेन्द्रु मनां व्याकुल पावलो
विष्णु परम भक्तु दशरथ राजेन्द्रु
स्वल्प दूरा पांवचाक दशरथ राजान
मार्गमध्ये देकीलें भार्गव दर्शन
वंश शत्रू देकून संतापलें मन
वेगान येवनु धरिलें भार्गव चरण
अति परितापान दशरथ राजान
भार्गवरामा लागी सांगीलें वचन
क्षत्रियांतका आमकां तूंचि शरण
पुत्रमित्र सहित करि तूं रक्षण
दशरथवाक्य ते वेळां भार्गव रामान
आदर कोरनातीलें वेगान भायर सरलो
श्रीरामरथा लागी ते वेळारी पावलो
श्रीरामा लागी कोपान बोलूक लागलो
ताटका राक्षसीक तूवें नाशु केलो
धिकार कारण शिवचाप भंजन केलें
रामनाम धारण करिले कारण
नाशु पावला तुका कुटुम्ब समेत
अयिशे वचन आयकून श्रीरामदेवान
भार्गवरामा लागी सांगीलें वचन
ताटका नाशु केलो मामुनी वचनारी
भार्गवरामा आमकां तूंचि रक्षण करी
मामक जननीक अहम् एकु पुत्रु

तावक जननीक तूंचि एकु शत्रु
नारी संहारु सर्वय केलेले कारण
क्षमा पावनु स्वामी करी तूं रक्षण
अयिशें वचन आयकून नारद मुनीन्द्रु
हस्तताढन कोरून वेगान हासतलो जालो
निंदावचन आयकून भार्गव मुनीन्द्रु
कोपान रामदेवा लागी सांगतलो जालो

- पुष्पशरतुल्याकृते - रीती

चित्रविचित्र रामा तावकवाक्य नरेन्द्राधमा
मामक वीर्यपराक्रम वृत्तांत
अल्पमानुषकुलेन्द्रु तूं वेय नेण - चित्र
ताटका मारीच दैत्यादिवृन्द न्हय
रुद्रधनुस न्हय मूढाजळप्रभो - चित्र
चारिपांच पावटी क्षत्रियांक
नाशु केलोलो श्री भार्गवरामोहम् - चित्र

अयिशे वचन सांगून भार्गव रामान
वैष्णवधनुरत्न ते वेळारी काळ्ळें
कौसल्यादेवी पुत्रा लागी दितोलो जालो
श्रीरामु चाप वंदन कोरून घेतलो जालो
रामदेवान वैष्णवधनुरत्न काळ्ळें
अस्त्रय काडून ते वेळां हातांतु धरशिलें
कर्ण समीप पर्यान बाणु ताणतलो जालो
युद्धसन्नद्धु जालो दशरथ कुमारु

दशरथकौसल्याक मनां व्याकुल पावलें
राजवासी जनांचें मन संतापलें
इन्द्रादिदेव सर्वय मनां भीती पावले
कष्ट होड संकष्ट म्हणतले जाले
वसिष्ट गुरु ते वेळां मनां व्याकुल पावलो
विश्वामित्राले नेत्र अग्नितुल्य जाले
कौसल्यादेवी पुत्रु दशरथकुमारु
भक्तप्रियान ते वेळां करिलें चिंतन
रेणुकादेवी पुत्रु विष्णुपरमभक्तु
क्षत्रियां नाशु कारण जालो तो गर्विष्टु
भक्तांचे लागी युद्ध कोरचें होड कष्ट
अयिशे चिंतेन विष्णुमाया ती दाकयली
चापबाणादी अस्त्र हातांतु धरशिले
श्रीरामदेवा ते वेळां असंख्य देकीले
दिक्कु दिक्कु समस्तय श्रीरामकुमार
चापबाणादी अस्त्र घेवनु राबतले जाले
अयिशे कारण देकून भार्गव रामान
रामावतारकारण करिलें चिंतन
विष्णुवाक्य ते वेळां करिलें स्मरण
वेगान येवनु धरिले श्रीरामचरण
मायानिवृत्ति तूवें कोरका म्हणतलो जालो
श्रीरामदेवा ते वेळां एकाकी देकीलो
भार्गवरामा लागी रघुरामु बोले
खंचे प्रदेशा अस्त्र सोडचें यें मुनीन्द्रा

निष्फल जावना त्या वेरी मामक सायक
लक्ष्य दाकय आतां भार्गव मुनीन्द्रा
श्रीरामदेवा लागी भार्गवरामु बोले
दुष्टराक्षस मृग आशिल्ले वनांतु
श्रीरामदेवा अस्त्र सोडुका म्हणतलो जालो
अस्त्र काडून ते वेळां आरण्यांतु सोळ्ळें
अग्नि पावनु भस्म जालें ते वेळारी
अति संतोषु पावून भार्गवरामान
श्रीरामदेवा लागी सांगीलें वचन
पत्नि जानकी निज सोदर समेत
अयोध्या नगरां वासु कराय म्हणतलो जालो
अयिशे आशीर्वचन सांगीले उपरी
भार्गव देहावेलें वैष्णव तेजस्व
श्रीरामसन्निधीरी सुप्रसन्न जालें
वेगान रामदेवा देहां प्रवेशलें
रेणुका पुत्रु ते वेळां संतोष वचनान
श्रीरामदेवा जय जय म्हणवूनु
श्रीरामदेवा स्तुती केली त्या उपरी
यात्रा सांगून गेलो महेन्द्राचलारी
दशरथ कौसल्या दोगंय ते वेळारी
राजकुमारा येवनु केलें आलिंगन
राजगुरूकय ते वेळां संतोषलें मन
राजवासी जनांकय मन संतोषलें
इन्द्रादिदेव ते वेळां अतिसंतोषान

रामलक्ष्मण जयु पावांय म्हणतले जाले
रामदेवा भक्तीन स्तुति करतले जाले
श्री रामदेवा पुष्पवृष्टि करतले जाले
श्रीरामदेवु ते वेळां रथारूढ जालो
दशरथ राजेन्द्रु रथावेरी बैसलो
बन्धुमित्र सहित दशरथ राजेन्द्रु
वाद्यघोषान पावलो अयोध्या नगरांतु
सीता देवीन ते वेळां सोदरी समेत
भर्तृगृहप्रवेशु केलो ते वेळारी
भर्तृशुश्रूषा कोरून श्री जानकी देवी
भर्ता लागी क्षेमान वासु करतली जाली
अमरावती पुरांतु इंद्राणी समेत
देवराजान वासु केलेले समान
चन्द्रसमान मुखी जानकी समेत
रामदेवान वासु केलो संतोषान
विश्वामित्रु ते वेळां अति संतोषान
रामलक्ष्मणां राजाक केलें सन्निधान
दशरथराजा आशीर्वचन बोलूनु
यात्रा सांगून गेलो तापसाश्रमांतु
अयिशे दुष्टांक नाशु कोरूक गोविन्दु
भक्त पालन कोरचे कारण दुष्टारी
ब्रह्माले प्रार्थनेन विष्णु ते वेळारी
कौसल्यादेवी पुत्रु जाला ते कालारी
रघुरामकथा केल्यारी पठन

रामदेवारी भक्ति जावंचाक प्रधान
इहलोकाक दुःख संताप नाशन
पुत्रमित्रकळत्र संपत्ती वर्धन
श्रीरघुनाथ जय श्रीपते गोविन्दा
श्रीवासांबुजनेत्रा भूमिपालपुत्रा
हारकुंडल रत्न विभूषितगात्रा
कौसल्यादेवी पुत्रा स्वामी रामचन्द्रा
लक्ष्मणाग्रजा सीतापते जय जय
विल्लाळिवीरा रामचंद्रा जय जय
कोदंडपाणी नमोस्तु ते जय जय
श्रीरामचन्द्र रघुनायक मंगळम्



गंगा बाय (1904-1983)

पूमरत्तिंगल वेंकटेश्वर पै-पत्मावती बाय दम्पतीली धूव जावन 1904 वर्षा कोची जन्मली. बामूण आशिल्लो नारायण शेणै. स्वंत जावनु कांय रचना ना. जाल्यार कोंकणींतुले लोकगीत हदिस्त करून सगळ्यान गायन करताली आनी एकेकाची विवरण व्याख्या करून चेरडुवांक पर्यंत ते आस्वाद्य करताली.

1979 वर्षाच्या कोची अखिल केरळ कोंकणी संमेळनांतु 'भोवुळ गाय' अवतरण केली. कोंकण जनता मासिकेचेरीय थोडे लोकगीत संपादन करून व्याख्या सहित उजवाडायल्याय- 'निंबादि-वनांतुलो चंदना रूकु', 'रुक्मिणी सत्यभामा संवादु', 'मतियांची वाली' आदी.

सुमित्रा बाय (1923 - 1984)

परावूर कण्णेर परम्बिल श्री. एम. रंगशेणैली धर्मपत्नि. 1947 वर्षा हांगेल्यो कोंकणी रचना एक्कडे करून 'गानमालिका' म्हूण पुस्तक उजवाडाक आयलें. हांकां दोग पूत.

आर. माधव पै (1905-1971)

तुरावूर गावांत 1905 वर्षा जन्मल्लो श्री आर. माधव पै पुस्तक प्रसाधक म्हूण होडि कीर्ती पविल्लो, आनी तागेलें प्रकाशनालय 'श्री नरसिंहविलासम् बुक डिपो' एक कालाक सगळेच केरळांतु विख्यात आशिल्लें. मलयाळम भाषेंत अशी प्रकाशक जावनु आनी लेखक तशीच चळवळीकार म्हूण तांकां वळखताले. तांचे प्रकाशनालया वाटेन चारशां लागी पुस्तक उजवाडाक आयले. तांतूं कोंकणी पुस्तकांय आशिल्लीं. 1931 वर्षा हान्नी संपादित कोरनु उजवाडायलेल्या 'गानांजली' नांवांच्या कोंकणी कीर्तन संग्रहांतु वीस कीर्तनां आशिल्लीं, पुण तांचें म्हूण केवल एकच! अशी इतर बरोवप्यांक प्रोत्साहन दिवपी म्हूण हांची कीर्ती !

तिरुवितांकूर सहकरण प्रबन्ध स्पर्धेतु सुवर्ण कीर्ती मुद्रा प्राप्त केलेल्या हान्नी मलयाळमांत काण्यो, नोवल, जीवचरित्रां, लेखनां आदींत पुस्तकां रचून उजवाडायल्यांय. परमपूज्य सुधीन्द्र तीर्थ स्वामिजींलीं उद्‌बोधनां मलयाळमांत परिभाषा कोरनु उजवाडायल्यांय (स्वधर्मसुधा). कोंकणी विशीं आनुकालिकांचेर लेखनां बरयलीं.

अध्यापक, ग्रंथशाला कार्यदर्शी, सहकरण संघाचो प्रवर्तक, पत्र प्रतिनिधी, पत्र एजंट, लेखक, संघाटक, चळवळिकार, प्रकाशक, नाटककार आदी साबार तराचीं, साबार तलावेलीं कामां तान्नी केलीं. अखिल केरळ स्थराचेर साहित्य संम्मेळनां लागेन घडयलीं. हांगेले प्रकाशनालया वाटेन सुमार नवे लेखकांचो उदयूय जालो.

11-4-1965 दिसा जेन्ना तांची षष्टिपूर्ती मनयली तेन्ना साहित्यिकांनी मेळनु एक होड 'उपहारग्रंथ' प्रकाशन केलो. अशी अप्रूप सन्मान जोडपी आनी निरंतर साहित्य क्षेत्रांत वावर करपी दूसरो कोण ना.

हांचो एक पूत आनी चार धुवो ज्यांकां सर्वांक उचित शिक्षण, विद्याभ्यास सर्व ताणे दिलो.

गीत

- कमास [illegible] चाय्प
- माताडबारादेनु - यी रीति

पल्लवी
राक तूं देवदेवा - दीनरक्षका
अनुपल्लवी
तूं विना एकि गती ना आमकां राक स्वामी - राक-
चरण
प्रह्लाद बालान केलें तुजें भजन अतुल्य
बापसून कष्ट दिले, ते तूवें नष्ट केले - राक -
बामणान शापु घाल्लो अहल्या शिला जाली
तूवें पायु दवरलो तिका मोक्षु मू दिलो - राक -
भर्तृसन्निधीं मद्दें दुष्टान वस्त्र निसरायलें
द्रौपदीक दुःख जालें तूवें वस्त्र पावयलें - राक -
अनन्य चिंतनेन शरण पांवचांलें क्षेम
समस्त निर्वहण कोरचें तुगेलें धर्म - राक -
तुजीं दिव्यचरण नंतां ना मू शरण
तूं करि रक्षण देवा लक्ष्मी रमण - राक -

भासेंतु साहित्य परिश्रमु

कोंकणी भासेक साहित्य ना; वेगळे जातींच्या मुकारि ही भास उलोंवचें परिहासाक कारण तं; हिका साहित्य कोरूक यत्नु कोरचें गंगानदीक हिमालयारि पोरतून पेटोंवचाक कोरचे यत्ना तुल्य तं; अशी म्होणचे आमगेले वर्गांतूच साबार आसाय. आमगेले आवसूक इतिकी ऊणाव आसा जाल्यारी तो ऊणे कोरूक आमी नंतां कोण आसूचिना. तिका जांवका जालोलो आहारु शिंगारु सग आमीच दींवका. ताका स्वल्प संकष्ट आसाय म्हूण लेकूनु तिका सोणु वचून, चांग सुरूपी जावनाशिल्ले खंचेय एक स्त्रियेक आवसु म्होण भजून प्रयोजन इतें?

कोंकणींतु चांग साहित्य ना जाल्यारी ताका परिहारु कोरका कोणे? आमीच. यूरोपाक थाकून गोर्यांनी येवनु मलबारी भास शिकून त्या भासेक व्याकरण कोरनु दिल्या वरीच, खंयीय थाकून कोणेय येवनु ही भास शिकून हांतूं साहित्य कोरका म्हूण आमी आठयताय जाल्यारी तें अत्यंत लज्जाकर म्होण सांगूनातीलें राबूक जायना. आमगेली भास, ती आमगेली आवसु तं. आवसूक जांवका जालेलें सगट आमी सोदून दिंवचे वरीच आमगेले भासेक जांवका जालेंलेंय आमी सोदूनूय कोरनूय दींवका. साहित्य ना जाल्यारी साहित्यय, व्याकरण ना जाल्यारी व्याकरणय, अलंकारु ना जाल्यारि अलंकारूय कोरनु दीवंका जालेलें आमींच तं.

कोंकण समुदायांत आशिल्या सर्वांकय यें सांगिल्लें कर्तव्य ये लेक्कान आसा. जाल्यारि सगटांकय तें ये लेक्कान निर्वहण कोरूक प्राप्ति जाली म्हूण जांवची ना. माका तांतूं वासना कांय ना. प्राप्तीय ना. इतेंय केल्यारि चिन्ना म्होण आसा. जाल्यारि कांय कोरूक जायना- अशी म्होणचे जायते आसाय. साहित्य तयार कोरूक तांकां प्राप्ति ना जाल्यारीय प्राप्ति

आशिल्यांनी कोरचें साहित्य प्रचार करूक तांच्यान जांवची ना वे? तें ते करताय वे? कोंकणी भासेंतु जालेले ग्रंथरत्नांतु अमूल्य जावनु आशिल्या 'भाषागानमंजरीक', भाषा अभिमानींतु अग्रगण्य जावनु आशिल्या श्री. आर. सी. शर्मान कोंकणी जना मुकारि दवरलेल्या त्या उत्तमोपहाराक जाव्यात जालोलो प्रचारु आजि पर्यंत जालोना म्हळ्ळेलें एक परमार्थ मात्र न्हय वे?

कोंकणी भासेंतु कोरच्या साहित्य परिश्रमांक जावंका जाले वरी प्रोत्साहन दिवंचाक आमी स्वल्प लागी मुकारि सोरका जावनु आसा. प्राप्ति आशिल्यांनी साहित्य तयार कोरूकय, मागीरच्यांनी तांका प्रोत्साहन दिवंचाकय मन दवरल्यारि कोंकणी भासेंतूय साहित्य अभिवृद्धी पांवचाक साबार तोडोव जांवका जांवचिना.

कोंकणी नाटक

आमगेल्या भासेचे साहित्या पासून गेले फंतां दोनि तीनि उतरां बरयलीं. ताका लागूनूचि एक दोनि उतरां लागेन सांगूका जालेलीं आसाय. मनाक संस्कारु हाडूकय आनंदु दिंवचाकय शक्ति अशिल्याक तं साहित्य म्हणताय जाल्यारि आमगेले भासेंतु आजि साहित्य ना म्होण लेकूक जायना. 'चंद्रहासचरित्र' आदी जावनु आशिल्लीं नाटकां भासेचे साहित्यांतु प्रधानत्व आशिल्लीं तं. तेक्काचे लोकाक तितूले परिचित न्हय जालेले स्वल्प शब्द तांतूं आसाय म्हळ्ळेलें सोडल्यारि खंचेय भासेंतुले खंचेय नाटका लागी तारतम्य कोरूक पर्याप्त जालेली योग्यता चंद्रहास चरित्राक आसा. अर्थपुष्टी आशिल्लीं उतरां, आयकूक बहुसुंदर जावनु आशिल्ले शब्द तांतूं साबार आसाय. नवरसय प्रकट जावंचे संदर्भ आसाय. भासेंतु साहित्य जाता जाल्यारि तें अति सुंदर जावनु तं आसतलें म्हळ्ळेल्याक उत्तम दृष्टांत तं चंद्रहासचरित्र.

गेले वर्षा चंद्रहास चरित्र हांगा थोकडे जाणांनी शिकूचे वेळारि, अभिनयाक जावंका जांवचे समयांतु स्वल्प लाभु केल्यारि चिन्ना म्होण लेकूनु तांतूले थोकडेचि भाग ऊणे कोरूक प्रयत्नु केलो. श्रीयुत् हरि शर्मा, श्रीयुत् पत्मनाभ कम्मती (कडकरप्पळ्ळी) ये सग त्या यत्नांत मेळसल्ले तं. जाल्यारि हान्नी धायते प्रयत्न केल्यानय तांतूं थाकून एक उतर सरी ऊणे कोरूक साध्य जालेंना. खंयीय इतेंय ऊणे केल्यारी तें नाटकाचे पूर्णत्वाकय, सौंदर्याकय ऊणाव हाडता. तशी त्या प्रयत्नाक विरामु घालका जालो. त्या नाटकाचे महत्व हाजानच व्यक्त जाता म्होण लेकूयात.

चंद्रहास चरित्रा समान 'सत्यवान सावित्री' म्होणचें आनीक एक नाटक भासेंतु आसा. तेंवय अशीच उत्तम जावनु आशिल्लें तं. बडका भास सोणु तेक्का भासेनच सत्यवान सावित्री श्रीयुत् एस. जी. नायकान बोरोवनु केलेलें आसा. तृशूर आशिल्या श्री हरि शेणैन 'नल्लतंगाळ चरित्र' भासेंतु बांदिल्लें आसा. अशी चारि नाटकां भासेंतु आसाय. आमगेले मुकारि तीं प्रदर्शन कोरचेंच भासे प्रचाराक एक कारण जावनु आसतलें. उत्साहु आशिल्या कोणाकय ह्या कार्यांत प्रयत्नु कोर्यात जालोलो तं.

के. वामन वाध्यार (1905-1991)

चेराय श्री. कृष्ण भट हांचो पूत, आनी विश्रुत के. पत्मनाभ भट हांचो धाकलो भाव. हान्नी कोंकणींत नाटकां बरोवनु चेरडुवांक घेवनु अवतरण केलीं. ते भायर कोंकणींत थोडीं कीर्तनांय रचलीं. संगीतज्ञ आनी ज्योतिषी आशिल्लो.

। 1 ।

कृष्णा हे कृष्णा तुगेली भक्ति दी आमकां
तूवें आमकां रक्षण कोरका - हे कृष्णा -
वसुदेव पुत्रु तूं मू बालकृष्ण नीलदेही
गागर्यां पाटू घालोलो तुगेलो मनोहर कुरटू-
नग्नरूपी तुका सर्वय नित्य सेवा करताय आमी
व्याग्रदीव्यान नच अलंकारू केलेले कृष्णा-
नंदकुमारू तूंची नवनीत चोर तूंची
चोयि दयेन आमकां सर्वय दुरित नाशु कोरका -
नित्य सर्वय बालक आयुरारोग्य विद्यादीक
येवनु रक्षण कोरका नमस्कारु बालकृष्णा- हे कृष्णा -

। 2 । रागु नीलाम्बरी - आदिताळु

वंदन विष्णूक नित्य आमी करताय तुका-
संसार भीति हराक
शेषतलपारि शयन केलेल्याक
पत्मनाभ देवेशाक शांताकाराक मेघवर्णाक

मत्स्यकूर्म वराहादि रूपानी
नित्य भक्तकार्यांक मुकारी येंवचाक
दुःख नाशु कोरचे तुका ब्रह्मादीक
सृष्टि स्थिति संहारु कोरचेय देवाक
शंखचक्र गदा पत्म धरशिल्याक
महालक्ष्मी भर्ताराक, सर्वय
असुराक मारलेल्याक - सदा
गरुडारी बेसल्याक, पीताम्बर न्हेसिल्याक
यागादि कर्म फल दिवंचे तुका
आमगेलो नमस्कारु आसो - वंदन -

। 3 । आजा आजा ही रीति

भजन, भजन, भजन सदा करतां हांव
भक्तीन तुका श्रीनिवासा, वेंकटाचलपतेक
पत्मा हृदयारि बेसल्याक - भजन-
पत्मावती रमणाक चांगपणाचे
मागूचांगेलें भांडार जावनु आशिल्याक -भजन-
महालक्ष्मीगेले नाथाक, शेषाद्रिवासाक
ब्रह्मादि वंद्याक
हे, तूं श्रीनिवास आमगेले सर्वय
वोगी अनिष्ट निवारण करी
हे भक्तवत्सला देवा इष्टय साध्य करी
सदा पावनु संरक्षण कोरनु
आमकां तुगेलें दिव्य दर्शन दी -भजन-

। 4 ।

बालमुकुंदाक स्मरण करता
मनान स्मरण केल्यारी आनंदु -बाल-
हस्तकमलान पाया उंगोटो
मुखांतु धरशिलो, चोयल्यारि कौतुक
बालमुकुंदु तूं दी माका आनंदु-
घालनाका हे देवा दुरितांतू बालकांक
तुगेले मायेन मोहु पांवताय
सर्वय ब्रह्मादीक देव तुगेले
गुणय रूपय जाण जायना
मागीरी हांव कोण -बाल-
वडा पानारी शयन केलेल्याक
आमकां शरण तूं विना कोण ना
आश्रितांक तूं कल्पवृक्षु मू
अभीष्ट साध्य करी हे मुकुंदा -बाल-

एन. एन. पत्मनाभ शेणै (1910-1989)

कुषुप्पिळ्ळी (कुरपळे) निंदस्तलत्तु नारायण शेणै आनी श्रीमती कावेरी हांचो पूत जावनु 1910 वर्षा जन्मलो. बायलेलें नांव श्रीमती यशोदा. हांकां तेग पूत आनी पांच धुवो.

TTC शिकून हान्नी प्रैमरी स्कूळांत मास्तर जालो (पळ्ळिप्पुरम्) स्वंत गांवांत चेरडुवांक भजन सांगून दितालो आनी तांकां घेवनु नाटकां खेळयतालो.

1952 वर्षा तान्नी 28 कीर्तनां एकडे करून कोंकणींतुलें स्वंत पुस्तक उजवाडायलें - 'श्रीकृष्ण भक्ति'. ह्या पुस्तकाची पुनः उजवाडावणी तांचे मर्णा उपरांत 2010 वर्षा जाली, पुण तीवय मलयाळ लिपिनच आशिल्ली.

गीत

। 1 । धनाशी । आदि

संगीतज्ञान ना मू माका कृष्णा
क्षमा तूवें पांवका - हरे कृष्णा
मुक्ति मेळका जाल्यारी भक्ति तुजेरी जावंका
मिगेले ये भक्तीन तृप्ति तूवें पांवका -संगीत-
इंद्रिय सुखाक मनिष्याक आशा जायती
आशा ती नाशु कोरूक दी माका एकि बुद्धी -संगीत-
भूमीरी जनन मरणांक कारण
मुक्तीक कारण तुगेलें नाम उच्चारण -संगीत-

। 2 । फलहरी । चाप्प

भक्तीन मुक्ति मेळता श्री कृष्णांगेल्या
भक्तीन आमचेरी तृप्ती जाता -भक्तीन-
आदि अंत्य नातीलो, सर्वांतरयामी तो
अखिलांड कोटी ब्रह्मांडनायक कृष्णांचेर -भक्तीन-
भारतयुद्धकालाक पार्थसारथी जालो
पार्थाक सांगिल्ले मात्रान गीतोपदेशु मेळ्ळो -भक्तीन-

। 3 । चेंचुरुटी । आदि

आनंदु आनंदु आनंदु होळ्ळो परमानंदु (आनंदु-
सर्वांतरयामी एक तो परमात्मा
तागेलें दरशन होडु आनंदु -आनंदु-
मरणारी भीति नज, जननारी आशा नज
सर्व कालारी मनांत करि तागेलें ध्यान -आनंदु-
जीवात्मा परमात्मा एक विना दोनी न्हय
सर्वांतु लय जावनु आसा तो परमात्मा -आनंदु-

। 4 । हिंदुस्थानी । रूपक

गोपालकृष्णा तूं रक्षण करि
तूं विना ना माका शरण - गोपाल-
हांवें भोगूचें यें होळ्ळें दुरित
कशी चोवनु थांगा तूं बेस्सला कृष्णा -गोपाल-
सांगूका जालोलो मिगेलो धर्मु
रक्षण कोरका जालोलो तुगेलो धर्मु -गोपाल-

। 5 । अभोगी । आदि

नरजन्मु यो नरजन्मु, उत्तमु यो नरजन्मु
चंचल तागेलें मन
स्वल्प मात्र जाता तुजेरी मन -नरजन्मु-
माया मनुष्यु विसरता तुका
परीक्षा मिजेरी आनीक कांय तरी नाका
सदा कालार तुजेरी मन मिगेलें जांवका - नरजन्मु-

। 6 । सत्वगुणबोधन - रीति । आदि

बालकृष्णमूर्ती, चोवदाय लोकां तुगेली कीर्ती
तुका केल्यारी स्तुती, तूं दितोलो चांगी गती -बाल-
कलियुगांतु केल्यारी तुगेलें ध्यान
जाता ते वेळारी कष्ट निवारण -बाल-
कर्म कोरका जालेले मनुष्यालो धर्मु
फलेच्छा नातीलें जांवका तें कर्म -बाल-
माया प्रपंचांतु तूवें दिवंचे कष्ट
माया मनुष्यांक जाता संकष्ट -बाल-
भूमीरी अहंकारी तांगेली शक्ती
होडी म्होण म्हण्टाय, कळना तुगेली शक्ती -बाल-

। 7 । बेगडा । रूपक

कृष्णा, बालकृष्णा-
जावंका मिजेरी दया तुगेली -कृष्णा-
तूं विना माका ना मू बंधू

होडू मू यो माया सिंधू
तांतू हांव सानु बिंदू
जावो माका तुगेलो गंधू -कृष्णा-
सुख मेळचें तुगेलें चरित्र
आयकिल्यारी होळ्ळें विचित्र
भक्तांक तू इत्याक पात्र
दाकय माका तुगेलें गात्र -कृष्णा-
भूमीवेलो एकु भारू
बंधुमित्रालो विचारू
तांतू थाकून करि उद्धारू
तूं आशिलो माका धीरू -कृष्णा-

। 8 । कबोधी । आदि

बालकृष्णा भजन अनुदिन कोरचे
तें जाता सुखाक एक कारण - बाल-
पापसंहारी, आपद्सहायी
कंसारी मुरारी श्रीहरी नरहरी -बाल-
(रूपक)
कुंजरपोषण मंजुळभाषण
कौस्तुभ भूषण काळीयमर्दन
(आदि)
वेणुविलोला, विजय गोपाला
गोकुलपाला, गोपालबाला -बाल-

। 9 । आडुवोमे - रीति । आदि

बालकृष्णा गोपालकृष्णा
पालन करता तूं माका बालकृष्णा-
आरु भारु मिगेलो सर्वय अर्पण तुजेरी
मानु तुका कोरका जालोलो धर्मु मिजेरी
तुका दिकूनातीलें हांवें कांय कोरचें
मिजे मुखारी सदा तूवें दिकू येवंचें -बाल-
भक्तीची रोंपी वाडून रूकु जाला
ताजे पोंदाक राबूक माका थायु दिला
फळ ताजें पिकून पोडचो दीसु कोण
रूचि ताजी कोळूक माका होडी तान -बाल-

। 10 । हिंदुस्थान तोडी । आदि

लोकांतु साबार रूपान दिकू येवंचे कृष्णा
दी माका तुगेलें दर्शन - लोकांतु-
श्रावण मासु अष्टमी दीसु
मध्यरातींतु राबीलो जनालो वासु
दुष्टसंहाराक तुगेलो अवतारू
दिलो सज्जनांक आश्वासू - लोकांतु-
तुजेरी कोपान आपयल्या ते वेळा
चोवंका जालेले ते तुगेले खेळ
'आं' केलें तूवें रेंव खेलेलें तोंड
दाकयलें यशोदेक ब्रह्मांड - लोकांतु-
सर्व चराचरांतु आशिल्या श्रीकृष्णा

सर्व नांवानी युक्त श्रीकृष्णा
सर्व कालारी हासूचें तुजें वदन
दी माका तुगेलें दर्शन - लोकांतु -

। 11 । **बेगडा** । **आदि**

रूप तुगेलें दिकूक साबार काल
होडु प्रयत्नु पांवता-श्री बालकृष्ण रूप
भक्तजनांचेरी प्रीति आशिल्या
दीवंका तूवें दीवंका अनुग्रह
जावंचाक तुगेली स्मरण -रूप-
हांव करता देवा, सदां तुजी पादसेवा
नाश येवंचे ये लोकांतु
घालनाका आशापाशांतु
तुजेरी जावंचाक भक्ति
दी देवा एकि शक्ति
सोण्णा हांवें सोण्णा तुजीं पादुकं
तूवें सोळ्यारीय माका - साक्षात् -रूप

। 12 । **बिहाक** । **आदि**

बालगोपालकृष्ण कालु धावनु वता देवा
भक्तसंघांतु सानु एकु
भक्ता समान लेकूका माका
स्वप्नांतु जाल्यारीय देवा
दी तुगेलें दरशन -बाल-

मेळतलें आजि मेळतलें फाल्या
अशी मेजून दीस वताय
क्षमा माका तूंचि दिता
दी तुगेलें दर्शन -बाल-

। 13 ।

सृष्टींतु होडी सृष्टी, देवान केलेल्या- सृष्टींतु-
चोवराशी लक्षु जीवराशींतु मनुष्यु - सृ-
मृग पक्षी आनीक सर्वय प्राणी भूमीरी
हस्ती थाकून मूंय सर्वय तागेली सृष्टी
हांका सर्वांकय ना गुणांतु चांग गुण
ज्ञान म्हळ्ळेले गुणान सृष्टी केलोलो मनुष्यु -सृ-

। 14 । अमीर कल्याणी - आदि

सान होड चेरडू बाळांक
आश्रयू तूंची - परमात्मा -सान
लोकांतु सृष्टी कोरचे मुरथमय आतांय
आशिलो तूं सर्वेशु- प्रळयु
आयल्यारीय ना नाशु- परमात्मा- सान
क्षीराब्दींतु लक्ष्मीसमेत तुगेलो वासु
दिता भक्तांक आश्वासु- सदा तूं
खेळ मिजे हृदयांतू- हे देवा- सान

जंबा बाय (1910-1995)

कोचींत 'संतीण जंबक्का' म्हूण वळख पावलेली श्रीमती जंबा बाय अकाल वैधव्यान अनाथपण भोगिल्ली बायल. मूल जावन एक प्रशस्त घरवंताची आशिल्ले तिका अंडिक्कडव गांवांत शेणै कुटुम्बारि विवाह करून दिल्लेली. जाल्यार अदृष्टान ती विधवा जाली आनी अनाथाय. कोची गांवच्या चांग थोडे घरकारांनी तिका आश्रय दिलो आनी शिष्ट जीवित तीणे ईश्वर उपासनेक अर्पण केलें.

कोची तिरुमला देवळा कडे आनी विठोबा दिवळाकडे ती भजन करताली. 1979 वर्षा कोचींत घडयलेल्या अखिल केरळ कोंकणी संमेळनाचे वेदीरीय तीणे स्वंतरचना गायल्यांय.

1964 वर्षा कोची श्री विठोबा भजन मंडलीन तिगेले 25 गींत एकडे करून 'श्रीकृष्णलीलामृत गानमाला' म्हूण पुस्तक उजवाडायलें.

प्रार्थना

'श्रीकृष्ण लीलामृत गानमाला' ह्या पुस्तकाक जंबा बाय हांणी बरयलेलीं हीं प्रार्थनेचीं उतरां-)

सर्व जगत्वाचो ईश्वर जावनु आशिल्लो
सर्व जगत्वा धनी जावनु आशिल्लो
सर्व जगत्वांतु व्यापूनु आशिल्लो
सर्वांतरयामी जावनु आशिल्लो
सर्वांगेले मनोरथ साध्य कोरचो तसलो
सगटांकय समभावनेन एकच दृष्टीन

चोवनु संरक्षण कोरचो तसलो
पतीत जावनु आशिल्यांक पावन कोरचो तसलो
करुणाकरु जावनु आशिल्लो
दीनांचेरि दया आशिल्लो
इहांतूंय परांतूय मूलाधारु जावनु आशिल्लो
आधारभूत जावनु आशिल्लो, उजवाडु दिंवचो
तूंचि दीवो जावनु आशिल्लो
बंधुरूपान दर्शन दिवंचो तसलो
जगत्व सर्वय ईश्वराधीन जावनु आशिल्लो
लालन पालन कोरनु संरक्षण कोरचो तसलो
ते सत्गुरूगेलीं चरण आपण्याले भूमध्य
हृदयकमलांत दवोरनु पूजन कोरूक भगवद्
भक्ति दी स्वामी कृष्णा, म्होणु प्रार्थना.

विठोबा देवळांतु भजन कोरचे संतिणी जंबक्काक सान होड चेरडुबाळ सग कृष्णु म्होणु, कृष्णाक दूद दीवनु, कृष्णाक पायारि बेसोवनु लावनु, कृष्णान मनांतु आनन्द दीवनु, भक्ति प्रेमान कृष्णाकच लग्न जावनु, बोधपुत्रु उत्पादन जावनु, सद्गुरूले कृपेन आयलेलीं कीर्तनां कृष्णाले चरणांचेरि समर्पण करता.

। 1 । मोहन । तिस्र एक ताळु

देवकीनंदन कृष्णा, नंद नंदना
काळीय मर्दन कृष्णा, नंद नंदना
तूं - पांडवांलो दूतु जालोना वे
दुष्ट कौरवांक मारलोलो न्हय वे

लोक संरक्षणेक तूं जन्मु घेता - देवकी -
तूं - गीतोपदेशु दिलोलो न्हय वे
दुष्टकंसाक मारलोलो न्हय वे
लोकसंरक्षणेक तूं जन्मु घेता - देवकी -
तूं - भक्तांक रक्षण केलोलो न्हय वे
दुष्टांक शिक्षण केलोलो न्हय वे
लोकसंरक्षणेक तूं जन्मु घेता - देवकी
तूं - आमकां दींवका आनी चांगि गती
देवा यो तूं आमचे मुकारी
लोकसंरक्षणेक तूं जन्मु घेता - देवकी

। 2 । शुद्धधन्यासी । तिस्र एक ताळु

जय जय हरि भजन कोरू गायन तुगेलें स्मरण
तुगेलें कीर्तन तुगेलें गायन तुगेले चरणारि समर्पण
दाकय कृष्णा होगी आमकां तुगेलीं चरणां -जय जय-
तुगेलें स्मरण तुगेले भक्तांक अमृता समान
वीणा गायन, कीर्तन मृदंग कर्ण रसन -जय जय-
तुगेलें नाम तुगेलें ध्यान तुगेले गुण तूंचि जाण
तूंचि माता तूंचि पिता तूंचि मू भ्राता -जय जय-
कृष्णा, सान होड चेरडुबाळ तूंचि मू माका
कृष्णा, तूवें कोरचें तुगेलें कारण तुका मू कळता -जय जय-

। 3 । देश । तिस्र एक ताळु

कृष्णांक पिंवचाक दिलें दूद
कृष्णा, दूद पीवनु दी माका अमृत

कृष्णालें अमृत इतूलें गोड
कृष्णाले अमृता पशी ना कांय होड
कृष्णालें अमृत तुमी पींवका
कृष्णाले अमृता रुची तुमी चोंवका
कृष्णाचेरी येता माका मोगु
कृष्णा धावनु येवनु पी दूदाचो घोटु
कृष्णा येताय आमी शरण
कृष्णा दाकय होगी आमकां तुगेलीं चरण
कृष्णा तुगेली खेळी होडी
कृष्णा आतां तूं दयेन माका चोयी
नित्य कोरका कृष्णालें ध्यान
कृष्णा तूं विना ना मू माका कोण
कृष्णालें ध्यान करि नित्य
कृष्णा तेंचि म्हळ्ळेलें एक सत्य
दृष्टि पोडचें सर्वय मिथ्य
कृष्णा, संवसारां थाकून करि मुक्त.
सद्गुरु चरणां येताय शरण
सद्गुरुवाक्य करि सम जावनु पालन
तांतूं आसाय कृष्णा चरण
कृष्णा ध्यानान मनान तुका चोयीन.

। 4 । ताळु देशादी

कृष्णा धावनु यो मिजे लागी
दूद दितां तुका होगी
बेस मेजे पायारि, लावनु सोडता पोट भरी.

राम राम राम राम राम नाम एक नेम
रामनाम तूंचि वर्म आसा नाही नारायण -कृष्णा-
कृष्णु जाण रे बालक हृदयांतु खेळता नित्य
मनां दिता सर्वय सौख्य कृष्णांलें ध्यान करि नित्य
कृष्णु सान बालक माका, चौदाय लोकांतु खेळनु भोंवता
सर्व आत्माक गति दिता, कृष्णा तूंचि आधारु माका -कृष्णा-
कृष्णा कस्सले तुगेले गुण,
कृष्णाले चरणारि मिजें मन
कृष्णा सर्वय समर्पण, भक्ति म्हळ्ळेलें कृष्णालें ध्यान -कृष्णा-
कृष्णु इतूलो गुणवंतु, कृष्णु दया कृपावंतु
कृष्णु इतूलो बुधवंतु, कृष्णु दये समुद्रु -कृष्णा-
कृष्णाचेरि सोळ्ळो भारु, कृष्णु सर्वांक आधारु
कल्पवृक्ष फलाकारु कृष्णु कीर्ति दयाळु -कृष्णा-
तुका नांव कृष्णमूर्ति, चौदाय लोकांतु तुगेली कीर्ती
कृष्णाचेरी जाली प्रीति कृष्णा करि हाजी निवृत्ती -कृ-
कृष्णा सर्वय तुगेली सृष्टी, कृष्णा कोणे लायली दृष्टी
पंचप्राणा केली वाती कृष्णाक दाकयली आरती -कृ
राधाकृष्णु शांत रामु इंद्रनील मेघ श्यामु
कृष्णु जालो मुख्य प्राणु, कृष्णु भोवंता इत्या हासूनु -कृ
पंचात्मा पांडुरंग कृष्णु निर्गुण निराकारु
कृष्णु पुनवेचो चंद्रु ऊर्ध दंड नमस्कारू -कृष्णा-

। 5 । हुसेनी । रूपक

रामकृष्ण म्हळ्ळेलें अमृत
तेंचि कोण पिता तानेक

जन्ममरणांचो तांगेलो मार्गु चुकत -राम-
राम अवतारांतु दुख, कृष्ण अवतारांतु सुख
दोन्नीय यें भोगूनु कृष्णान, दाकयली चांगी वाट - रा
कृष्णांचेरी माका विश्वासु
कृष्णाक मेजेरी जालो स्नेहु
तावळी कृष्णान केलो वासु जालो समूहु -राम-
अनाथांक कृष्णु सारथी कृष्णु मेगेलो जालो पती
तावळी कृष्णाली पावली कीर्ती, दाकयली आरती -रा-
कृष्णु म्हळ्ळोलो मेगेलो प्राणु
कृष्णाक मेजेरी जालो प्रेमू
सुख भोगूक पांवताय आमी दोगंय मेळूनू -राम-
कृष्णरूप विश्वमोहन, मूरळीध्वनी कर्णरसन
गोपस्त्रीयान कृष्णा भक्तीन केलो आकर्षण -राम-
रामकृष्ण मुक्तिसाधन, संतांलें मन कृष्णा चरण
कृष्णाले भक्तिप्रेमान संतांक केलें आलिंगन -राम-
गुरुवाक स्यमंतक मणी, त्रिगुण त्रिसंगवेणी
गंगादेवी धारण शिवान केली शिरस्वारी -राम-
गुरुवाक करि पालन, चिंतामणी जालें मन
मन में गंगा, मन में काशी जाली प्रसन्न -राम-
शिवलीलामृत विचित्र वीर्य सत् गुरु महिमा अपार
तुमी मेगेले माया भाव, आदि ना अंत्य -राम-
महाविष्णु म्होळ्ळोलो देवु तागेलो प्रीती सदाशिवु
दोगांनी मेळनु पांवचो भोगु सुखा आनंदु -राम-
कृष्णु देवु म्हळ्ळेलें अमृत साधुसंतां मन पवित्र
कृष्ण अमृत पीवनु कृष्णान दिलें सायूज्य -राम-

। 6 । सिंधुभैरवी । तिस्त्र एक ताळु

तो - देवु, नंदालो कंदु आयलो गे
कंदु आयलो गे, मुकुंदु आयलो गे
शांती दया क्षमा भरित बंधु आयलो गे -तो-
गळ्या दिसता वैजयंती माला
रुप्या व्हिंदळ्यार बैसला मुरळीवाला
तुमी भक्तीन येयाय, तुमी अर्तीन चोयाय
मनांतु तृप्ती घेयाय -तो-
देवा दाव्यान बेसल्या सखि राधा
लोणी दिता तोंडांतु यशोदा
हळू चोंवकून येयाय, दोळे निल्कून चोयाय
मनांतु शांती घेयाय -तो-
मात्यार दिसता मोत्यां किरीट
विश्वरूपाची महिमा विराट
मातें बागसून येयाय, सत्यरूप चोयाय
गोड क्षीर पियाय -तो-
नीलमेघश्याम कृष्णु गोपालु बालु तो
कंसालो कालु तो, गोपींलो प्राणु तो
सर्वशक्तु देव तो, लोकांक आधारु तो
तो - देवु, नंदालो कंदु आयलो गे-

के. पुरुषोत्तम पै

विलासः श्रीधर, कोचीन कोळेज रोड, कोची-2

केरळचे कोंकणी साहित्य रंगार 1944 वर्ष धरून आज पर्यंत व्यापृत आशिल्लो एकमेव व्यक्ति म्हूण हांचो उल्लेख आसा. गेल्या सात दशकांत जालेल्या केरळच्या कोंकणी साहित्य रंगावेल्या संभवांक हे निकट दृक्साक्षि म्हळ्ळेल्या भायर, एकेक दिकार हांचो व्हडलोच हातभारूय आसा. 1944 वर्षा भायर सरलेल्या केरळच्या प्रथम कोंकणी मासिकेचे (हस्तलिखित) वावरांत, आनी तशीच कोचीचे 'कोंकण जनता' मासिकेचेय वावरांत हांचो हातभार खूब आशिल्लो. आपण्याले 90 वर्षांचे प्रायेर पर्यंत हांणी श्रीमद् भागवतांतुल्यो काण्यो कोंकणींत हाडून 250 पानांचें पुस्तक तयार केल्यां !

पुराक्काड वी. कृष्ण पै - यमुना बाय दंपतींलो पूत. हांच्या चोवत्या वर्षार बापूस निधन जालो म्हळ्ळेल्यान हांचें बाल्य आवसूल्या गांवांत (कोल्लांव) जालें. कायम्कुळम्, कोडुंगल्लूर, तिरुवनंतपुरम् हांगा सर्व शिकवण जावनु मद्रास सर्वकलाशालेलें 'शिरोमणी' बिरुद आनी केरळ सर्वकलाशालेलें 'साहित्य विशारद' बिरुद प्राप्त केलीं. पन्मना, तुरावूर, कोची आदी गांवांनी अध्यापक जावनु 1974 वर्षांत विरमित जालो, तरीय मागीरीय दोन दशकांक संस्कृत अध्यापनांत व्यापृत जालो. मागीरीय जायत्या काळांक सुमार उत्तरदायित्वां हातांत घेतलीं, जशी ग्रंथशाला कार्यदर्शी, कोंकण जनता आनी वेंकटवाणी मुख्य संपादक, अशी. वेंकटेश सेवा समिती, कोंकणी भाषा प्रचार सभा, केरळ कोंकणी अकादमी, आदी जायत्या संस्थेंत हे सक्रिय अंग आशिल्ले. साबार साबार संस्थेनी आनी काशी मठाधीश श्रीमद् सुधीन्द्रतीर्थ स्वामिजींचे हातांनी हांचो परत परत भोवमान जाला.

आतां कोची आपणाल्या घराक्रडे विश्रम जीवित काडून आसा. हांणी श्रीमद् मध्वाचार्यकृत 'द्वादश स्तोत्राक' कोंकणी व्याख्यान रचल्यां आनी तशीच 'श्रीमद् भागवत कथामाला' म्हूण 63 काण्यो एक्कडे केलोलो ग्रंथ मलयाळम आनी कोंकणी भाषेंत वेगवेगळोच रचला. द्वादश स्तोत्र कोची 'कोंकणी भाषा प्रचार सभेन' प्रकाशन केला आनी इतर दोनीय पुस्तक एरणाकुळम 'सुकृतींद्र प्राच्यविद्या शोध संस्थान' हे संस्थेन उजवाडायल्याय.

कोची 'कोंकण जनता' मासिकेचे स्थापक संपादक 'सुभाषचंद्र प्रभु' हांचे अकालमृत्यूचे उपरांतें थांबूनूच वचत आशिल्लें तें केरळचें एकमेव कोंकणी म्हयनाळें एक दशकाक हांचे संपादपणा खाल मागीरीय जिवंत वरलें हें कार्य उल्लेखनीय आसा, स्मरणीय आसा, आनी प्रशंसनीय आसा. अशी उदयकाल आनी नवकालीय कोंकणी भाषा-साहित्य रंगावेलें केरळचें हें थळथळेवंचें व्यक्तित्व विश्वकोंकणी तलाचेर आदर-भोवमान मेळूक योग्य जावन आसा.

स्वागताशंसा

• 1944 वर्षा (1120 चिंगम्-तारण संवत्सर, श्रावण मासु) भायर सरलेले 'कोंकणी' नांवांचे हातबरपा मासिकेचे प्रथम अंकांतु (प्रथम पुष्प-प्रथम दळ) ही स्वागताशंसा आयल्या-

वाणी देवी प्रिय विप्रवर्य श्रम-
वल्ली फल शुभ कोंकणी!
चित्रपत्रयुत सद्रसात्मिक सु-
स्वागत आमी तुका सांगताय.
जाता वता म्होण दुःख नाका तुका
मासिके, तुगेलीं सोदर

पूर्व पुण्य विना कांय धरित्रींतु यें
सर्व शक्त म्होण जाण जा.
जन्मु निर्धनु तूं पावली, बंधु तुका
ना मू म्होण तूंवय दुःखिता
नाका चिंता तुका सर्वथा सुकथे!
पंकजादि कथा जाण जा.
थांगा युद्ध बहुघोर जाता तेरव-
हांगा द्रव्य बहु दुर्लभ
भंग शंका तूंवय सोडि 'कोंकणी' तूं
लोकसेव व्रत शाश्वत.
कोंकण द्विज गृहांगणांतु सुख-
नृत्य नित्य करि बालिके!
तुष्टि प्रौढ हृदयांक ना जाल्यारी
बाळां 'भाविजन' नंदता
स्वर्ण भूषण विना सुवर्णमणी
भूषिते, प्रिय सुभाषिते!
गौड विप्र वर वाणी भूषणी तूं
यो हांगा, यो हांगा, तुका स्वागत.
रंगनाथ पुरुषोत्तमादिकर-
सज्जिते, मद विवर्जिते!
नित्य मंगळ, त्रिलोक विश्रुति तूं
पावनु यो हांगा, तुका स्वागत.

(श्री. के. पुरुषोत्तम पै हांची आद्यकाल रचना मात्र हांगा दिल्या. हांचे नवे रचनेंचे पुस्तक मेळूक सुलभ आसाय)

कोंकणी भाषिकांले चरित्रांतुलें एक भांगरा पान!

Hortus Indicus Malabaricus- हो एक विश्व ख्यातीचो वनस्पती संबंधीत बृहत् ग्रंथ समुच्चय जावन आसा. 1678 धरून 1703 पर्यंत जावन अंस्टर्डाम हांगाच्यान प्रकाशित जालेल्या ह्या ग्रंथाच्या बारा पुस्तकांचीय माध्यम भास लत्तीन. मलबार देशाच्या (केरळ) समस्त वनस्पतींची माहिती चित्रां सहित समग्र रूपान दिवपी हो ग्रंथ समुच्चय तेन्नाच्या कोची गवर्णराच्या नांवांन आसा. कोचीचो डच कमांडर आनी मागीर गवर्णर जालेल्या 'हेनरीक वान रीड' हागेल्या फुडारपणान आनी उत्तरदायित्वांत साबार वर्षांनी तयार जालेल्या ह्या ग्रंथ समुच्चया फाटल्यान कोचीच्या तेग कोंकणी वैद्यांचो समग्र रूपाचो हातभार आशिल्लो. ह्या ग्रंथा संबंधी चडांत चड काम दोन वर्षांच्या काळान तांणीच केलेलें आनी हांतूली मुळावी माहिती सर्वय तांणीच तयार केलेली. रंगभट, विनायक पंडित, आपू भट, ह्या तेग कोंकणी ब्राह्मणांनी आपल्या हातांनी बरोवन हस्ताक्षर करून दिलेल्या कोंकणी साक्ष्यपत्रांत हें कार्य स्पष्ट रूपान सांगल्यां. हें साक्ष्यपत्र ग्रंथाच्या प्रथमल्याच पुस्तकांत जश्या तशेंच दिल्यां आनी समस्त वनस्पतींचीं कोंकणी नांवां बाराय पुस्तकांत नागरीन आनी रोमींत दिल्यांय. हो ग्रंथ समुच्चय आतांय विश्व ख्यातीचो जावन आसा आनी हाचे इंग्लीष आनी मलयाळम भाषांतरय प्रकाशित जाल्याय. प्रत्येक भाषांतरांतूय कोंकणी साक्ष्यपत्र आनी कोंकणी नांवां तशेंच दवरल्यांय.

कोंकणी भाषिकांले चरित्रांत सुवर्णांकित अशें पान रचलेल्या ह्या तेग कोंकणी भिषग्वरांचीं नांवां अनश्वर उरतलीं. हांचे भोवमानार्थ 1978 वर्षा कोचींत भरलेल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिषद् संमेळनाचे नगरीक हांचीं नांवां दवरलेलीं. तांगेल्या त्या मूल साक्ष्यपत्राचें निवळायलेलें रूप हांगा दिल्यां-

स्वस्ति श्री शालिवाहन शक १५९७ राक्षस संवत्सर चैत्र बहुळ १० कोची
राजपाटणी वैसिके रंगभट्ट तथा विनायक पंडित आपुभट्ट तेग वैद्य तानिं
कोचिचा कुमदोर आंद्रिकि फांद्रे त्याचा निरोपान ह्या मलबार देशांतु आसिले
औषधमात्र रूख वालि झाड खंड ओळखतेल्या मनुष्याक मुसारो देऊनु
ते ते गांवांतु पेठवून तिंतिं वोरवद आणवून त्या त्या झाडांचें फळ फूल पान बीज
समस्त त्याच्या उतुकाळावरि सपाडून तितीं चित्तारिली त्या उपरांत आमिं
आमगेल्या वैद्यग्रंथाचा निर्धेटा प्रमाणीं त्यांत्या ओखधाचे गुण वा अनुभवान
जोजो गुण आमका कळेलो तो वा त्यां ओखदांची नाव पळेउनु आगळि दानि वर्षं
सकाळि साजे आमिं लागि रावूनु हा लिंबु सपाडून दिला तें लटिक अशि
म्हणुंचाक नज अशि म्हणु आमि आमची निसाणि कर्णु दिली ते सत्य
म्हणु मानुचें जाइद म्हणु नागर बनयान हे बरवूनु दिलीं श्रीः

ह्या चरित्र खंडा विशीं शणै गोंयबाबान अशें सांगल्यां- ‘सतराव्या शेंकड्याचें दुसरें अर्द लागल्यार गोंयकार कोचीक पावन सुमार शंबर वर्सां जाल्लीं. तरी आसतना तांचो कोंकणी भाशेचो अभिमान इल्लोय उणावंक नासलो. ते आपले भाशेक आपुण खासा मान दिताले इतलेंच न्हय तर परक्या एवरोपी लोकांकडसून तिका मान दिवंक लायताले. 1675 त कोचीचो ओलान्देज गोवेर्नादोर ‘हेनरिक फान रीड’ हो आसलो. हाणे आपले भोगवटींत सुमार दोन वर्सां वावरून रंगभट, विनायक पंडित, आनी आपू भट ह्या तिंगा गोंयकार वैजांच्या पालवान मलबारच्या वनस्पतींचीं चित्रां, नांवां, गुण आनी उपयोग घालून एक मोटो ग्रंथ बरयला. ताचें नांव Hortus Indicus Malabaricus. ह्या ग्रंथांतुलो मजकूर कशेच तरेन लटको ना म्हणपाचें सगल्या एवरोपाक आनी संवसाराक सांगूक, कोंकणी भाशेंत

देवनागरी अक्षरांनी बरयल्लें एक सेर्तिदांव त्या तिगांय वैजांचे सये सयत त्या पुस्तकाक जोडलां. कोंकणी भाशेक त्या ग्रंथांत Lingua Bramana (बामणाची भास) अशें म्हळां'. (गोंयकारांची गोंया भायली वसणूक -पयलें खंड, मुंबय, 1928)

केरळांत कोंकणीचें नव जागरण - 1924 वर्षा

1924 मेय 24 दिसा आलपुषा गांवांत भरलेल्या तिरुवितांकूर गौडसारस्वत ब्राह्मण परिषद् संमेळनांत अवतरण केलोलो कोंकणी भाषे विशींचो एक सुप्रधान थाराव सर्वसम्मतीन अंगीकार जालो. ताका लागून केरळांत कोंकणीचें नव जागरण जालें अशी अनुमान आसा. थाराव अवतरण करपी आनी तेंको दिवपी अशे दोगच जाणालीं नांवां दृष्टींत येतात तरीय ह्या विशया फाटल्यान साबार साबार जाणांलीं चिंतनां आनी भावना आसता. देखून हे नव जागरणाचें श्रेय त्या परिषद् संमेळनांत वांटो घेतल्या सर्वांक फाव !

തിരുവിതാംകൂർ ഗൌ: സാ: ബ്രാ: പരിഷത്ത്

൯. "സ്വജനങ്ങളുടെ ഇടയിൽ വിദ്യാപ്രചാരത്തിനു സ്വഭാഷയുടെ അഭിവൃദ്ധി ഉത്തമമായ ഒരു ഉപായമാകയാൽ, 'സാരസ്വതബോധിനി' മാസികയിൽ കുറെ സ്ഥലം നാഗരലിപിയിൽ കൊങ്കണഭാഷയിലുള്ള ലേഖനങ്ങൾക്കായി വിനിയോഗിച്ചും മററു വിധത്തിലും ഭാഷയെ അഭിവൃദ്ധിപ്പെടുത്തുന്ന വിഷയത്തിൽ പരിശ്രമം ചെയ്യേണ്ടതാണെന്നു ഈ പരിഷത്തു നിശ്ചയിക്കുന്നു."

അവ: ശ്രീയുത് വി. ശ്രീനിവാസനായ്ക്കു് അവർകൾ.
സഹാ: ശ്രീയുത് എൻ. കൃഷ്ണക്കമ്മത്തി അവർകൾ
സർവ്വസമ്മതമായി പാസ്സാക്കപ്പെട്ടു

थाराव 6 : स्वजनां मद्दें विद्या प्रचाराक स्वभाषेची अभिवृद्धी एक उत्तम मार्ग देखून 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेंत उणेच स्थायार नागरि लिपींत कोंकणी भाषेचीं लेखनां दिवनूय इतर वाटेनय भाषेची अभिवृद्धी आठोवन परिश्रम करका अशी हें परिषद् थारायता

अवताराक - वी. श्रीनिवास नायक
तेंको - एन. कृष्ण कामती
सर्वसम्मतीन अंगीकार

ह्या परिषद् संमेळना विशीं आनी ह्या थाराव्या विशीं शणै गोंयबाबान आपल्या 'गोंय कारांची गोंया भायली वसणूक' ह्या पुस्तकांत अशी सांगल्यां- 'कोचीकारां भाशेन त्रावणकोरच्या गोंयकारांकूय कोंकणीचो जायतो अभिमान आसा. 1924 च्या मायांत आलेप्पींत बामणांची जी एक परिषद भरिल्ली, तांतूत कोंकणी भाशे संबंधान जाल्ले एके थारावणुकेंत म्हळां, कि 'दूदभास सुधरचे खातीर परिषदेच्या 'सारस्वत बोधिनी' म्हयनाळ्याचीं कांय पानां देवनागरी अक्षरांनी बरयल्ल्या कोंकणी मजकूरान लांवचीं' (गोंयकारांची गोंया भायली वसणूक-पयलें खंड, मुंबय, 1928)

हे परिषदेच्या उपरांतच्या काळांत 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेचेर उणेंच कोंकणी साहित्य उजवाडाक आयलें आनी ताज्याकय चड साहित्य थंय थयच्या बरोवप्यांनी स्वयं उजवाडायलें. ह्या प्रतिभासाक सर्गेस्त मंजेश्वर गोविंद पै हांगेल्या उतरांनी एक उपमा सांगूयात- 'दीसु सांजेतांच उजवाडु कशें घरघरच्या दिव्यांत मात रावता, तशें'!

भाषेंचे आधारार एक मानचित्र

1932 वर्षा प्रकाशन केलेल्या LONGMAN'S MALAYALAM ATLAS FOR TRAVANCORE म्हळ्ळेल्या मानचित्रपुस्तकार भारत आनी शेजारच्या भूप्रदेशांतुल्यो वेगवेगळ्यो भासो आनी तांचे प्रदेश आलेखन केलेलें एक प्रत्येक मानचित्र आसा. हांतूं मराठीचे आनी मलयाळ भाषेचे समान दर्जाचेर कोंकणी भाषेचो उल्लेख जाला. केरळाचे इतलेच विस्ताराचे प्रदेशांत कोंकणी वापरून आसा म्हूण हें मानचित्र दाख्यता.

• AD 1932- Languages of India & Neighbouring Countries (Malayalam Atlas)

परिषदांचो प्रभाव

1939 वर्षा कर्णाटकाचे कारवार गांवांतु अखिल भारतीय कोंकणी परिषद संमेळन चमकलें आनी ताजो प्रभाव सगळेय दिकांवेले समस्त कोंकणी मनिषांचेर पडलो म्हूण आमी जाण. तें परिषद आतांय गांवांगांवांनी नेमान संमेळनां चलयता आनी संवसारभरचे समस्त कोंकणी जनांक एकमेळीचो संदेश दिता.

जाल्यार अशी एकमेळीचो, संमेळनाचो आनी परिषदाचो विचार आरांभिल्लो जायते जायते वर्षां मुरथम म्हूण चरित्र सांगता. आनी एकेक तसले संमेळनाकय ताचें ताचें प्राधान्य, वैशिष्ट्य आशिल्लें.

तसलें आद्य संमेळन म्हूण आमचे मुकारि आसा मंगळूर गांवांत अम्मेंबाळ सुब्बराव पै हाणे फुडार करून घडयलेलें प्रथम गौड सारस्वत ब्राह्मण परिषद. 1908 वर्षा अखिल भारतीय तलाचेर घडयलेल्या तीन दिसांच्या त्या संमेळनांतु 500 लागी जन आशिल्ले आनी तांतू उत्तरकन्नडा, बेलगांव, मलबार, कोची, मद्रास आदीचान प्रतिनिधि पावलेले.

ह्या संमेळनाचो प्रभाव पन्नेरा वर्षां उपरांतेंय जायत्यांले मनांत जिवोच आशिल्लो म्हणूनूच 1923 वर्षा चेर्तला गांवांत केवल उणेच दिसांचे तयारेन आनी एक परिषद जन्मलें- तिरुवितांकूर गौड सारस्वत ब्राह्मण परिषद. चेर्तला तिरुमला देवळाचे पश्चिम भागांतु बांदिल्ले होड मांटवांतु दोनि दिसांक जावनु संमेळन भरलें. ह्या संमेळनांतु श्री. के. पत्मनाभ भटान कोंकणींत 'प्रह्लादचरित' नांवांची हरिकथा सांगली.

परिषदेचें दुशेरें संमेळन 1924 वर्षा आलपुषा गांवांत भरलें. स्वामी सुविचारानंद जी अध्यक्ष जावनु आशिल्ले संमेळनाचें वैशिष्ट्य वेगळेंच दिल्यां. कोंकणी विशीं थाराव घेतल्लें संमेळन तें.

अशीच 1925 वर्षा कोल्लांव गांवांत आनी 1926 वर्षा कांयकुळम गांवांत परिषद संमेळनां भरलीं. ह्या संमेळनांचे अध्यक्ष दूर गांवांचे आसताले आनी अध्यक्ष भाषण सहित पूर्ण काम कोंकणींत चलतालें. वेगवेगळे गांवांतुले जनांक एकमेकाचो निकट परिचय जातालो आनी कोंकणी भाषे रंगावेली पुरोगति गांवां गांवांनी पांवताली.

गीत, कीर्तनां, हरिकथा मात्र न्हय, सगळें नाटक पर्यंत अशि एक गांवांत थाकुन दूर दूर पावलीं. कला साहित्य संगीतांत तान आनी तांक आशिल्लीं संमेळनांत वांटो घेतालीं आनी जितलें घेतालीं तितलेंचि दितालींय.

अशी समाजिक तलाचेरि जालेले एकेक संमेळनाचे अनंतर जालें तें 1939 वर्षाचें कोंकणी संमेळन. भाषिक तलाचेर जालेलें विस्तृत रूपाचें तें परिषद् संमेळन कोंकणी खातीर भांगराचें जालें.

कोंकणी हरिकथा आनी नाटकरंग

कथा, कथन, गीतगायन हाचें जें मिश्रण नाटकांत आसा तें हरिकथाकथनांतूय आसा. चड ऊणे भाव-अभिनयाचो अंशूय आसा. कोंकणींत हरिकथा साबार जाल्याय आनी उणेंच नाटकांय. हरिकथाच वाड्डून नाटकाचें रूप धरूक पावल्याय.

1923 वर्षा चेर्तला गांवांत प्रथम तिरुवितांकूर गौड सारस्वत ब्राह्मण परिषद् संमेळन भरलेले वेळार थांगा 'प्रह्लाद चरित' कोंकणी हरिकथा कथन चमकल्लें. ताचो अवतारक श्री. के. पत्मनाभ भटान तशी मागीर इतर सुमार कडे सुमार कथा अवतरण केल्यो. तांच्या धाकल्या भावान - वामन वाध्यार - तांच्या चेराय गांवांतूच चेरडुवांक घेवनु संगीत-नाटकां खेळयलीं-सत्यनारायण व्रत, शकुंतळा आदी.

1925-1940 कालाक चेल्लया चरित्र, कुचेलोपाख्यान, सत्यवान सावित्री, द्रौपदी वस्त्रहरण आदी सुमार हरिकथा एरणाकुळमच्या श्री. पी. एन. नरसिंह पैन गांवां गांवांतु कथन केल्यो. मात्र न्हय त्यो पुस्तकरूपान उजवाडायल्योय.

जाल्यार एक संपूर्ण संगीत नाटक सादर जालेलें 1943 वर्षांत मात्र. तुरावूर आनी चेर्तला जावनु तीन फंतां ताची प्रस्तुति जाली. तें एक दीर्घ नाटक, सात घंटे पर्यंत चलतालें. बोळंतूर कृष्ण प्रभु हान्नी रचलेलें तें नाटक 'चंद्रहासचरित्र' 1939 वर्षा कारवारांचु जालेल्या प्रथम अखिल भारत कोंकणी परिषद् संमेळनांतु वाचून प्रस्तुत केलेलें. तेंचि हांगा तुरावूर पावलेलें आनी वेदीर सादर जालेलें. ताचे विशीं तांतूं वांटेकार जालोलो सर्गेस्त पी. जी. कामत माम अशी सांगता- *चन्द्रहास नाटक सर्व तरांच्या रसांनी भरलेलें*

एक संगीत नाटक. 'चन्द्रहास नांवांच्या एक राजकुमाराली दुःखपूर्ण जाल्यार शुभांत काणी हांतूं आसा. सरस अर्थपूर्ण गींत नाटकाची विशेषता'.

तुरावूर श्री. आर. माधव पैन सूत्रसंचालन (निर्देशन) केलेले ह्या नाटकांत एरणाकुळमच्या 'बालाजी' राम शेणै हान्नीय वांटो घेतोल्लो खंय.

मागीर एक नाटक अशीच 'आयलेलें' श्री. कुंबळे नरसिंह नायक हांचें 'सत्यवान सावित्री'. तेंचि नाटक वैकमच्या एस. जी. नायक हान्नी गांव भासेंत अनुसृजन केलें म्हूण परामर्श आसा. ह्याच कालांतु तृशूरच्या हरि शेणैन 'नल्ला तंगाळ' नाटक कोंकणींत केलें म्हणूय परामर्श जाला. केरळच्या कोंकणी नाटक रंगार कण्णूरचे श्री. वी. गणेश प्रभूलेंय नांव उल्लेखनीय आसा.

वेगवेगळ्या गावांनी सान होड नाटकां सुमार अवतरण जालेल्याची खबर हांगा थांगा सांगताय. जाल्ल्यार तांतूं व्यत्यस्त वा उल्लेखनीय जावनु कांय एक मुकार येना. तसल्यांनी खंडित जावनु जनांचेर कोंकणीचो प्रभाव घालाच आसा. जाल्यार तांचे विशीं होडि माहिती कांय मेळूक ना. पुण आधुनिक कालाची (1950 च्या उपरांतें) खबर वेगळीच!

जागृत जालेले जागे- एक चित्र



WORLD KONKANI LIBARY
Accn No: 004234

जागृत जालेले जागे - व्यक्तिगत

1 अम्मुलक्का शेणै (1851-1902) कोची
2 एम. शेषगिरि प्रभु (1855-1924) कोषिकोड
3 आर. एस. प्रभु (1878-1956) एरणाकुळम्
4 पी. एन. नरसिंह पै (1879-1959) एरणाकुळम्
5 मंजेश्वर गोविंद पै (1883-1963) मंजेश्वर
6 द्रौपदी बाय (1885-1976) कोची
7 ए. डी. हरि शर्मा (1893-1972) पळ्ळिप्पुरम्
8 के. पत्मनाभ भट (1890-1953) कोडुंगल्लूर
9 वेदवती अम्माळ (1895-1980) आलप्पुषा
10 सरस्वती रंग भट (चेराय)
11 के. श्रीनिवास कामत (आलप्पुषा)
12 आर. सी. शर्मा (1897-1980) पळ्ळिप्पुरम्
13 एस. जी. नायक (वैकम)
14 आर. रंगनाथ प्रभु (1898-1952) पुराक्काड
15 जी. कमलम्माळ (1902-1983) अम्बलापुषा
16 आर. माधव पै (1905-1972) तुरावूर
17 गंगा बाय (1904-1983) कोची
18 के. वामन वाध्यार (1905-1991) चेराय
19 एन. एन. पत्मनाभ शेणै (1910-1989) कुषुप्पिळ्ळी
20 जंबा बाय (1910-1995) कोची
21 गणेश प्रभु वी (कण्णूर)
22 वेंकटेश्वर पै (चेराय)
23 के. पुरुषोत्तम पै (कोची)
24 माणिक्का बाय (आलुवा)
25 सुमित्रा बाय (परावूर)

आनुकालिकांचो वांटो

भाषेचे, साहित्याचे उद्धारांतु पुरोगतींतु आनुकालिकांचो वांटो सुप्रधान आनी सर्वप्रथम. कोंकणीचे कार्यांतूय हें सत्य. केरळचे कोंकणी साहित्याचो उदयकाल पळयल्यार कोची अम्मुलक्का शेणैल्यो रचना 1880 वर्षा थाकून आसा तरीय हांगा कोंकणीविशीं नव जागरण जावंचाक कारण त्यो न्हय म्हूण कळता. ताचें कारण 'सारस्वतबोधिनी' हें मासिक पत्र आनी तिरुवितांकूर गौड सारस्वत ब्राह्मण परिषद् संमेळनां. हांचो परामर्श वेगळोच केला दिकून आनुकालिकां विशी सामान्य खबर मात्र हांगां दितां.

आनुकालिकांची तान आनी प्राधान्य सगळ्याय काळान आसा आनी आशिल्लें तरीय एक आनुकालिक नेमान उजवाडावप श्रमकर काम. कोंकणी भाषेन आनुकालिक उजवाडावप वा प्रचार करप त्या कालाक दुःस्साध्य आशिल्लें. दिकून कोंकणी जनांनी मलयाळम आनी इंग्लीष मासिक चलोंवचो श्रम केलो. एरणाकुळमांतु 'भानु' नांवान आनी आलपुषा गांवांतु 'केसरी' नांवान, साप्ताहिकां पर्यंत थोड्या कालाक उजवाडायल्यांय म्हूण परामर्श आसा.

पुण 'सारस्वत बोधिनी' हें म्हयनाळें 1923 वर्ष थाकून पांच वर्षांक पुणीय नेमान उजवाडाक आयलें. कोंकणी विशीं साबार लेखनां तांतूं आयलीं आनी कोंकणी भाषेनय कविता, गीतां, लेखनां तांतूं आयलीं.

ताजे उपरांतें 1931 वर्षा आनी एक मासिक कोची थाकून शुरू जालें- 'सारस्वतमित्रम्' हांतूं कोंकणी भाषे विशीं लेखनां आयलीं. सुमार तीन वर्षांक हें चालू आशिल्लें.

मागीर आनी एक म्हयनाळें 'सारस्वत भूषणम्' 1943 वर्षा तिरुवनंतपुरम् थाकून सुमार एक वर्षाक उजवाडाक आयलें. हाचेरीय कोंकणी संबंधी खबर आयल्या.

हीं सर्व आनुकालिकां मुख्य जावनु मलयाळम भाषेन आशिल्लीं जाल्यार 1944 वर्षा पुराक्काड श्री. आर. रंगनाथ प्रभून कोंकणी भाषेनच एक म्हयनाळें आरांभिलें- 'कोंकणी'. लिपि मलयाळम् आशिल्ली आनी प्रकाशन हातबरपाचें (हस्तलिखित) पुण पूर्ण रूपान कोंकणी भाषेक अर्पिल्लें आनुकालिक़ तें! प्रति म्हयन्याक ताची बारा प्रति हातानच बरोवन काडून गांवागांवाच्या वेंचिल्या व्यक्ति/समिती कडे पावोवप! हांतू श्री. प्रभूचे शिवाय इतर जायत्यांनी बरयल्यां.

पुण हें जें थांबून गेलें ताचे उपरांत ह्या परामर्शित कालखंडांतु (1950 वर्षा पर्यंत) वेगळें आनुकालिक उजवाडाक आयलेल्याची खबर ना. जाल्यार आधुनिक कालखंडांत परिस्थिति खूब बदल्ली आनी सुधारली हें प्रस्ताव्य आसा.

कोंकणी जायरात केरळांतूय !

कुरपळे गांवांचे श्री. एन. एन. पत्मनाभ शेणै हांगेले 23 गींत एकडे करून प्रकाशन केलेले पुस्तकांतु (1950) 'श्रीकृष्णभक्ति' अंत्यार जावनु दोनि परस्य (जायरात) कोंकणींतूच दिल्यांय!

- श्री. एन. ए. अच्युत शेणैलें जायरात अशी-

प्रसवु जालो, वेळु कोळूक वरां कोरंडो ना - होळ्ळे चेरडाक खेळूक खेळचो खेळु ना - स्कूळांतु वचे चेरडुवांक एक पेन ना - प्राय जालेले धुवेक चांगु एकु गाग्रो ना - विवाहाक म्हूर्तु चोयलीं, चांग कापड, ब्लौसा कुटिके नाय - काळकांतु वचूका, एकु टोर्च ना - खंतय वचून काणु घेतोलो? अशी आशिल्लो विचारु कोणे काडका नाका. 'एवर न्यू स्टोर्सां' तु आयल्यारि सर्व साधनय चांग मेळता!

- श्री. वी. आर. गोविन्द नायकालें परस्य अशी-

कन्यादानाचे वेळारी दिवंचे जातिचींय, सद्द उपयोगाक जावंका जालीलींय काश्या आयदनं कृत्य समयान कोरनु दिवंचाक तयार!

उपकारिल्लीं पुस्तकां - नेमाळीं - स्मरणिका

1. Saraswat Bodhini (Malayalam/Konkani) Monthly - 1923 to 1928-Volumes
2. Saraswat Mitram (Malayalam) Monthly - 1931 to 1934-Volumes
3. Saraswat Bhushanam (Malayalam) Monthly - 1943 to 1944-Volumes
4. The Konkani (Konkani) Monthly 1944 - Two Issues (Manuscript)
5. Konkan Janatha (Konkani) Monthly 1972 onwards - Two Decades-Volumes
6. A History of Konkani Literature-Sahitya Akademi 2000-ManoharRai SarDessai (English)
7. Kuchelopakhyan (Konkani) P. N. Narasimha Pai - 1927
8. Chellaya Charitram (Konkani) P. N. Narasimha Pai - 1927
9. Bhasha Gana Manjari (Konkani) R. C. Sarma - (1930) 1981
10. Balakandam (Konkani) G. Kamalammal - 1930
11. Raghuramayan (Konkani) G. Kamalammal - 1981
12. Gananjali (Konkani) Pub: R. Madhava Pai - 1931
13. Bhajana Malika (Konkani) Vedavathy Ammal - 1947
14. GuruBhakthi (Konkani) Droupadi Bai (1951) 1994
15. Satyavan Savithri (Konkani) P. N. Narasimha Pai - 1951
16. Sree Krishna Bhakti (Konkani) N. N. Padmanabha Shenoi - (1952) 2010
17. Sree Krishna Leelamrutha Ganamala (Konkani) Jamba Bai - 1964
18. Sree Venkatesha Kalyan (Konkani) Aroor Samaj - 1999
19. R. Madhava Pai - Shashtabdya Upahara Grantham (Malayalam) 1965 Edited work

20. Souvenir - All India Konkani Sahitya Sammelan, Kochi - 1996.

21. Souvenir - All India Konkani Parishad, Kochi - 1978

22. P. N. Narasimha Pai Centenary Memorial Booklet, Kochi - 1979

23. Sowbhagyalaksmi Venkatesa Amantra Utsavam (Konkani) Vedavathy Ammal - 1977

24. Sree Laghustotra Ratnavali (Malayalam) K. Padmanabha Bhat - 1941

25. Shradhanjali (Konkani) Ed. P. G. Kamath - 1983

26. Samagra Shenoi Goembab (Konkani) Vol: IV Edited Work - 2006

27. Souvenir - All Kerala Konkani Sammelan Kochi - 1979

28. Souvenir - All Kerala Konkani Sammelan Kochi - 1992

29. Sarva Vijnana Kosam - Vol. 8 (Malayalam)

30. Paricharcha (Konkani) Anthology of Essays - 1993

31. Divti Monthly (Konkani) and Special Issues 1984 onwards - Volumes.

32. Handwritten note books containing songs and Bhajans - Smt. Premeela R. Prabhu, Smt. Jayanthi P. Kamath, Smt. Kanakam S. Naik.

33. Souvenir - Balakrishna Swami Temple, Kuzhuppilly - 1993

34. Venkatesha Kalyan (Konkani) Ed. Prof. R. K. Rao - 1988

35. Godde Ramayan (Konkani) Ed. Prof. R.K. Rao - 1989

36. Shravon (Konkani) Ed. P. G. Kamath - 1996

37. Konkanavum Konkana Bhashayum (Malayalam) Tr. S. G. Naik - 1925

38. Saraswath Vani (Malayalam) Monthly - Volumes from 2000 onwards.

39. Vyshnava Rathne (Malayalam) Monthly - Volumes from 1999 onwards.

40. Konkani Vikas (Konkani) Monthly - Select 3-4 Volumes.

We thankfully acknowledge the donations received for the publication of this book from:

M/s Cochin Thirumala Devaswom, Gosripuram, Kochi.
Sri. S. Sanathana Pai, M/s A Geeri Pai Jewellers, Broadway, Ernakulam.
Sri. G. Gopalakrishna Pai, YNP Trust, Koovappadam, Kochi.
Sri. Shivaprasad S. Shenoy, M/s Sunson Herbal Products, Payyanur.

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★ Mangaluru

यज्ञं दधे सरस्वती

SUKṚTĪNDRA ORIENTAL RESEARCH INSTITUTE

Kuthāpādy, Thammanaṁ, Kochi - 682 032
Kerala, India

Sukṛtīndra Oriental Research Institute is a research foundation registered under the Travancore Cochin Literary Scientific and Charitable Societies Registration Act (Regn. No. ER7 of 1972). The Chief Patron of this Institute is **His Holiness Śrīmad Sudhīndra Tīrtha Swāmiji, Head of Kāshi Maṭh Sansthān, Vārānasi.**

The main objective of this Institute is to promote the study and research in Oriental learning, in particular Indological subjects like Sanskrit, Indian Culture, Literature, History, Philosophy, Arts and Architecture and so on. The Institute is a Research Centre recognised by the University of Kerala and Mahatma Gandhi University. It has a Reference Library containing Indological books and a Manuscript Library containing several palm-leaf manuscripts in Sanskrit. Its activities include guiding research in Sanskrit, taking up research projects, conducting seminars, publication of books and a research journal, and offering diploma courses.

ISBN 9788190896641

9 788190 896641